# नवी दिशा

## मोनिका डे'सा मथायसाच्यो कथा



आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# नवी दिशा

## मोट्व्यो कथा

कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादेमिचो
२०२० वर्साचो
उत्तीम कथा पुसतक पुरसकार मेळ्ळा

– मोनिका डे’सा मथायस, डब्लिन

**Novi Disha** - *A collection of Konkani short stories written by **Monica Dsa Mathias**, edited and transliterated by **Valley Quadros** and digitally published by **Ashawadi Prakashan**.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

| | |
|---|---|
| First Edition | : 2020 (Kannada) |
| Second Edition | : 2021 (Nagari – Digital) |
| Cover | : Ashawadi |
| Layout | : Assisi Press, Mangalore |
| Pages | : 130 |
| Price | : Rs.150 |

*For communication* **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# मांडावळ


- अंतरमुखी समाजेंत अस्तुरी–साहित्य ................ 4
- काळजाचे उमाळे ............................................ 7

1. नवी दिशा ...................................................... 8
2. अनाथ बापूय ................................................ 15
3. घुंवडी .......................................................... 22
4. देवाची खुशी ................................................. 32
5. पयशां खातीर ................................................ 35
6. भाञ्याची आवय ............................................ 42
7. मोगाची काणीक ............................................ 50
8. अनाथ .......................................................... 55
9. वेचीक पूत .................................................... 59
10. खरया मोगाच्या सोधनेर ................................ 64
11. वेचीक काळीज ............................................. 72
12. हांव ताचो मोग करतां .................................... 78
13. रवी बुडताना ................................................. 82
14. मोगाची विंचवण ........................................... 89
15. संपल्ली काणी ............................................... 98
16. तुजे शिवाय संसार नाका ................................ 103
17. नीरमोणें ....................................................... 112
18. निस्वार्थी सेवा ................................................ 122

# अंतरमुखी समाजेंत अस्तुरी-साहित्य

मनीस एक समाजजीवी जाल्ल्यान मनशाच्या जिण्येंत, ताचें वेक्तित्व रूपीत कर्च्यांत समाज एक प्रमूक पात्र घेता. समाज म्हळ्यार वेग-वेगळ्या चिंत्पाचो, वेग-वेगळ्या विचारांचो लोक म्हणतच समाजेंत जियेवन आसचीं कुटमां सयत वेग-वेगळीं. जशें एक कुटम म्हळ्यार फकत दादलो वा फकत बायल मात्र ना; तांतूं आजो, आजी, आवय, बापूय, भाव, भयण, पूत, धूव, नातू, अशें वेग-वेगळे भांद आसलेपरीं समाजेंत सयत असले भांद सहज.

चरित्रेचीं पानां उसतिलीं तर आमकां वाचुंक मेळता; आमचो देस अस्तुरीयांक महत्व दिंवचो देस. हांगासर न्हंयांक, गांवांक, देवी-देवतांचीं नांवां दिल्यांत. देविंची पुजा कर्तात. देविंच्या नांवांनी दिवळां, मंदिरां सयत भांदल्यांत. पूण हकीगतेंत हें कितलें सहज म्हळ्ळें व्हड प्रश्न. एका कुटमांत एका असतुरेक फावो जाल्लो मान लाभता? एका समाजेंत असतुरेक जोक्तो मान मेळता? ह्या सवालांच्यो जापी सोधतेल्यांक आमच्या देशांत असतुरेचेर चल्चो जुलूम दीस गेल्लेपरिंच चडून येंवचें अर्सो दाकयता.

साहित्य सयत एका समाजेक रूपीत कर्ता, एका समाजेचें दर्पण जावनासच्या साहित्यांत सयत असतुरेच्या साहित्याक कितलें मोल लाभलां? कोंकणी साहित्याचेर मोटवो आटोव घालो तर जशें हेर समकाळीन भाशेंतल्या साहित्यांत दिसलेपरीं कोंकणिंतल्या अस्तुरी साहित्याचेर जावंक जाय जाल्लो वावर जाल्लोच ना. अस्तुरीयांक प्रमूक पात्र करून बरयिल्लें दरबसत साहित्य आसा पूण हेंच अस्तुरीयांनी बरयिल्लें साहित्य आसा? आसा तर तें कितले मापान आसा? हें अन्येक प्रश्न उभें कर्तासतां जापिरुपार एकामेका बोटां जोकुयेता; हें काम तांचें, हांचें, आमचें न्हय.

कन्नड लिपिंतल्या कोंकणी साहित्यांत प्रत्येक थरान कथा प्रकारांत सभार अस्तुरी लेखिकांनी बरयिल्ल्यो कथा आसात. आयरीन पिंटो, ग्लेडीस रेगो, जुडीत पिरेरा,

एवलालिया अलवारीस, नंदिनी, क्याथरीन रोड्रिगस, लिल्ली मिरांद, टीना डिमेल्लो, तांतूं प्रमूक. तांचे उपरांत सयत सभार अस्तुरी लेखिकांनी कथा प्रकारांत वावर केला; सोनिया दे’कोसता, विल्मा कोरेया मियार, क्लारा फातिमा पिंटो, जेयल मंजरपल्के, अविना मियार, आनी सभार हेरां.

मोनिका डेसा (मथायस) ह्या मेळिंत एक प्रमूक कथाकार म्हणून हांव मांदुंक कारण हिच्यो एकेक कथा. मनशासंवेदनाचे एकेक कोनशे, मनशा संबंधाचे एकेक गांच, संवेदनशीलता तशेंच एक ल्हान संगत सयत कितले नाजूक रितीन अभिव्यक्त करुयेता म्हळ्ळें मोनिकाच्या काणियांनी पार्कुव्येत. अस्तुरीयांचेर दादल्यांनी बरयिल्लें साहित्य तशेंच अस्तुरीयांचेर अस्तुरीयांनी बरयिल्लें साहित्य कितलें वेगळें म्हळ्ळें हिच्यो काणियो अपुर्भायेन गवाय दितात.

मोनिकाचें कुटम, तिणें वसती केल्ली समाज हांव अजीक पांतीस वर्सादीं पळेवन, पार्कून, समजून आयलां. तेदनां पळयिल्लें हैसकूलाक वेचें भुर्गें उपरांत कोंकणिंत समाजीक कथाकार जावन रूपीत जायत म्हणून हांवें केदिंच चिंतल्लें ना. सोभीत भास, अपुर्भायेचो संवाद, तशेंच समाजेंत आमकां वेग-वेगळ्या रुपांनी दिसच्या एकेका पात्रांक हिच्या एकेका काणियांनी पार्कियेत. हिच्यो कथा वाचून जातच ह्या कथेंतले एकेक पात्र वाचप्याच्या दोळ्यां समोर उभे जातात.

वृत्तेन एक नर्स जावन डबलिनांत वावर करून आसा जाल्ल्यान मनशाभांद, सेवा आनी निस्वार्थी मोग हिच्या कथेचें बंडवाळ. कांय पंचवीस वर्सांनी हिणें बरयिल्ल्यो काणियो कांय पन्नासांख मिकवतीत पूण अजून हिच्या मटव्या काणियांचो बूक छापून आयिल्लोच ना. आनी एका वाटेन कुटमाची जवाभदारी, दुस्रे वाटेन काम करून आसच्या होस्पिटलांत जवाभदारेचो हुद्दो म्हणताना ह्या पंचवीस वर्सांनी वेग-वेगळ्या नेमाळ्यांनी छापलेल्यो कथा हिचेलागीं नातल्ल्यो. पूण म्हाका भगलें हिच्यो विंचणार काणियो जमवन एका बुकारुपार पर्गटुंक जाय म्हळ्ळ्या चिंत्पान थोडी मिनत घाली आनी ताचो प्रतिफळच ’नवी दिशा’ कथाजमो.

मोनिकाच्यो कथावसतू सोंप्यो. समाजीक चिंत्पाच्यो खंच्याय समाजेंत घडुंक साध्य आसच्यो कथा. थोड्यो युवपरायेर बरयिल्ल्यो, थोड्यो काम करून आसलेकडेन पळेल्ल्यो, पार्किल्ल्यो पूण ह्या सर्व काणियांनी सामान्य जावन दिसोन येता म्हळ्यार मनशा मोलां, संवेदनां, नयतीक मोलां, आदर्शां. एका प्रभुद्द कथाकाराची जवाभदारी सयत तीच म्हणून हांव मादून आयलां. एक समाज रूपीत कर्च्यांत एक साहिति समाजेक आर्सो धर्ता जाल्ल्यान हीं संवेदनां त्या समाजेच्या लोकांच्या मनांत जेमेल्ल्या चिंत्पांक कु न जागयतात.

’नवी दिशा’ जम्यांत कांय भावीस वर्सांनी बरयिल्ल्यो कथा आसात जाल्ल्यान कथा अध्ययन कर्पिंक हिच्या कथा साहित्यांत व्हाडावळ पार्कुंक सलीस जांवदी म्हळ्ळ्या इराद्यान हिच्या युवपरायेर बरयिल्ल्यो कथा सयत विंचल्यात. हिच्यो चडताव जावन आयलेवारच्यो कथा सयत मुकल्या वर्सांनी पर्गटून येजय म्हळ्ळे म्हजे आंवडे.

२०२० वरस सभार कारणांक लागून महत्वाचें; एका वाटेन सगळो संसार कोवीड म्हळ्ळ्या मारेकार पिडेंत कंगाल जाला तर दुस्रे वाटेन डिजिटल माध्यमांत कोंकणी साहित्यान खूब वावर सुरू केला. लिपी–बोली म्हळ्ळे दोरे उत्रोंक डिजिटल माध्यम एक परयाय वाट म्हणून हांव लेक्तां. देकून येदोळ जावंक नातलीं जायतीं कामां डिजिटल माध्यमांत जावंक साध्य जालें. पयली जागतीक डिजिटल जमात, पयली अंतरराश्ट्रीय कविगोश्टी, तशेंच कोंकणी कथेंचेर अध्ययनाचें कथापाठ, डीजिटल आडियो बूक अशें सभार रितीन कोंकणी साहित्याक मुकार वेची एक दिशा लाभली म्हणतच मुकार कोंकणी कथाशेतांत वेग–वेगळे प्रयोग जांवची गर्ज आसा. आशावादी प्रकाशन ह्या दिशेन अपलो वावर मुखारून व्हर्तलो आनी फुडें सयत विंचणार साहित्य बुकारुपार पर्गटून येतलो म्हळ्ळोच म्हजो भर्वसो.

**वल्ली क्वाड्रस**

(संपादक: पयणारी.कोम)

# काळजाचे उमाळे

मनशाथंय संवेदनां नातलीं तर मनीस एका खडपापरीं. सिंतिमेंतां, उमाळे, आशा–निराशा, सूक–दूक जशें दरयाच्या सुक्ते–भर्तेपरीं. मनीस फान्राचें काळीक घेवन जियेना देकून ताका समाजेंत हेरांसवें जियेताना सयत एकामेकाच्या भावनांक स्पंदन करुंक पडचें सहज.

एक कथाकार तेच समाजेचो एक वांटो म्हणतच, तो/ती सयत ह्या संवेदनांतलो मेकळो जावंक सकाना. देकून पाटल्या चडुणें पंचवीस वर्सां थावन सयत समाजेंत हांवें पळेल्ले, मेळल्ले, पार्किल्ले वेवेगळे स्वभाव, मनशां, संबंध म्हज्या काणियांनी वेवेगळे पात्र घेवन उदेल्ले आसात. म्हजो व्हड भाव मावरिसाक साहित्याची वोड आसली जाल्ल्यान म्हाका सयत म्हज्या संवेदनांक, सामाजीक स्पंदनांक अभिव्यक्त करुंक लिखणीच एक माध्यम जालें.

पाटल्या वीस–पंचवीस वर्सांनी बरयिल्ल्यो म्हज्यो कथा वेवेगळ्या पत्रांनी पर्गट जाल्ल्यो तरयी, पर्गांवांत काम करून आसच्या म्हजेलागीं त्यो नातल्ल्यो. म्हज्याय काणियांचो एक बूक एका दिसा काडचें स्वपण निजायकी हांवें चिंतुंक नातलें. पूण स्वता एक कथाकार जाल्ल्या म्हज्या भावासार्क्या वल्ली क्वाड्रसान मुंबय थावन मंगळुराक व्हचून म्हज्यो वीस–पंचवीस वर्सांनी फायस जाल्ल्यो विंचणाक कथा सोधून, त्यो एका बुकारुपार काडुंक मन दाकयिल्याचो फळच हो बूक.

पयले सुवातेर म्हाका कोंकणी भास उलवंक तशेंच बरवंक शिकयिल्ल्या म्हज्या आवय–बापायक, म्हज्या शिक्षकांक, म्हज्या साहितीक सुर्वातेर म्हाका उत्तेजन, पाटिंबो तशेंच हुमेद दिल्ल्या सर्व संपादकांक म्हजे खाल्ते धिन्वास. म्हज्या साहितीक पयणांत म्हाका सदांच त्राण तशेंच स्पूर्ती दिंवच्या म्हज्या मोगाळ पतीक; ब्रायन मथायसाक, तशेंच म्हज्या पुतांक हांव काळजाथावन धिन्वासतां.

**– मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन**

# नवी दिशा

"रोबी, अशें कित्याक केलेंय? जीवघात कर्च्या तितलो भिंवकुरो तूं कसो जालोय रोबी? जर तुका कितेंय जाल्लें तर?" अम्सोरान दांवोन आयिल्लें सोनिया रोबिनाच्या खाटीर कुसकालें.

"हांव मेल्यार म्हज्या पाटल्यान रडचीं कोणी नांत"

रोबिनान तकली पंदा घाली.

"कित्याक रोबी तूं म्हाका अपलें म्हण लेखिनांयगी?"

सोनिचो ताळो रडकुरो जालो.

"सोनी, हांव तुजो लेकचरर. तूं म्हाका रोबी, रोबी म्हण आपंवचें बंद कर. तूं एक ब्रिलियेंट स्टुडेंट, कोणा कोणा पाटल्यान तुजो मोलादीक वेळ पाड करिनाका." रोबिनान हळतार आसल्ले कडेच नीट बसलो.

"तूं कितेंय सांग रोबी हांवें फकत तुजोच मोग केल्लो, तुजोच मोग कर्तां अनीं मुखारी तुजोच मोग कर्तालीं. तुज्या काळजांत म्हाका जागो नातल्यारी पर्वा नां, हांव मात्र तुका केदिंच विसर्चीं नां" सोनी दयरादीक ताळ्यान उलवन्ंच वेतालें.

"मोग, मोग, मोग. 'मोग' मुळ्ळ्या सब्दाक आर्थ दीवंक तूं जाणांयगी? आज म्हजें तर्नाटपण, म्हजी सोभाय पळेवन तूं म्हजो मोग कर्ताय. पूण पाल्यां ग्रेसतांचो पिलो तुका भेटात तर म्हज्या मोगाक तूं विस्रातेलेंय. एक पावटीं फोंडांत पडलां परत पडोक म्हाका खुशी नां" रोबी मात्सो शिणलो.

"रोबी, कित्याक चलियांक तूं इतल्या कीळ नद्रेन पळेताय?" सोनी थंयचे हाल्लें नां.

"तुज्या हऱ्येका सवालाक हो एक लान्सो कागदा कुडको जाप दितालो सोनी." अपल्या खाटिच्या देगेन आसल्या लोकरा थावन अपली पर्स काडन एक लान कागदा कुडको सोनिच्या हातांत चेपलो रोबीन.

गुलोबी वर्णाचो तो कागदा कुडको मुदो मुदो जाल्लो तरी सांभाळन दवरल्ल्या बरीं दिसतालो. सोनीन हळतार तो सोडायलो अनीं अपली नदर ताचेर भोंवडायली.

"मोगाच्या रोबी,

जावंक पुरो हें म्हजें आखेरिचें कागाद. कित्याक म्हळ्यार ह्याच महिन्याच्या आट तारिकेर हांवें ग्ल्याडसना कडे लग्ना-भेसांत एकवटचो निर्दार केला. तो अमेरिकांत वडलो सर्जन जावनासा. हें आयकोन खंडीत जावन तुका दूक बोग्तालें. हांवें तुजो मोग केल्लो वय पूण, रोबी हांव मसत चिंतल्या उपरांत ह्या निर्दाराक आयल्यां. दयाकर्न म्हाका भोगशी.

तुजें जावनासल्लें,

मेबल."

कागाद वाचून अपली गोमटी उकलन रोबीक चोयलें सोनीन. तो अपणाचेर कितेंच प्रभाव पडोक नां म्हळ्ळ्याबरीं दिसाळ्या पत्राचेर म्हणन आसल्लो.

"रोबी" सोनिच्या ताळ्याक दिसाळें पत्र ताणें दोडलें. अनीं सोनिच्या हातांतलें पत्र घेतलें. सोनीक उत्रांच बायर सरलीं नांत.

"तुज्या सवालाक तुका जाप लागली म्हण चिंत्ता. हांव एक संपल्ली काणी सोनी. म्हज्या जिविताचे सर्व आवस्वर मुगदाल्यात अनीं फकत समाप्त म्हण पडोंक बाकी आसा. ताच्या पयलेंच तूं नवो आवस्वर सुरू करिनाका. ताच्या बदलाक तुजीच एक नवी काणीं तूं सुरू कर अनीं खंडीत तुका यशस्वी लाबलेली."

रोबिचो ताळो हळतार कांपोंक लागलो.

"एक्स क्यूज मी मेडाम ताका विरामाची गर्ज आसा. प्लीज तुमीं बायर वेतातगी?" नर्साच्या मोवाळ विनतेक सोनी बेड्डा वयलें उटोन उबें जालें. "रोबी,

हांव चल्तां. पूण तुज्या जिविता थावन न्हय. तुजी काणीं इतल्यारच संपवंक हांव सोडचीं नां. हांव तुका भास दितां तुज्या जिविताक एक 'नवी दिशा' हांव लाबयतेलीं. ओ के देन सी यू टुमारो.'' सोनी चल्तच रावलें.

***

दीस, हप्ते, महिनें पाशार जाले. ह्या आवदेंत सोनीन रोबिच्या काळजांत जागो आपणायिल्लो. सोनिच्या निरंतर प्रयत्नान रोबिच्या काळजांत खंचल्लें मेबलाचें रुपणें हळतार माज्वोन येतालें. सोनी ह्या दिसांनीं बोवच संतोसबरीत दिसतालें. ताणें चिंतल्लीं स्वपणां नीज जांवचो वेळ लागीं पावल्लो. पूण विधीक दुस्रेंच पसंद आसल्लें. मेबल वय तेंच तें रोबिच्या काळजाची राणी मेबल पाटीं अयिल्लें रोबिसर्शीं आस्रो सोदून.

***

''रोबी, हांव तुज्या खरया मोगाक समजोंक सकलीं नां. हांवें मोगाचें मोल बांदलें अनीं पयशेच सर्वस्व म्हण चिंतलें. काजाराच्या सुर्वेर ग्ल्याडी म्हजो मसत मोग कर्तालो. ह्या संसारांत म्हजे तितलें अद्र्श्टवंत कोणी नां म्हण संतोसान नाचतालीं. म्हजो संतोस चड तेंप बाळवालोनां. ल्याबांत कामार असतानां जाल्या केमिकल एक्स प्लोशनांत हांवें म्हजे दोळे होगडायजय पडले. थोडो तेंप म्हजी चाक्री कर्न थकल्लो म्हजो नोवरो अपल्या कुड्ड्या बायलेक सांडून दूसरया चलियेच्या पालवा बितर रिगलो. हांवें ताका आडायलें नां. म्हजे खातीर ताणें अपली जिणी विबाडची नाका म्हण 'म्हाका म्हज्या मांय गांवाक पावय उपरांत हांव तुज्या वाटेक आड येंवचीं नां' म्हण भास दिल्ल्यान तो म्हाका म्हज्या मांय गांवाक पावन परत पाटीं अमेरिका उबलो.

तुजो उगडास म्हाका सदांच दोसतालो रोबी. म्हजी परिस्थिती पळेवंक तांकानासतां म्हज्या ड्याडीन तुका सोदून म्हजेलागीं आपवन हाडलो. रोबी, म्हाका कोणायचीय जिणी विभाडचें हक्क नां. तुज्या मोगाक हांवें तिरसकार कर्न तुका हांवें धखो दिला. तुज्या कडे बोगसाणें मागोंकी हांव फावो न्हय. रोबी, येदोळच तुवें म्हाका विसर्न एक नवी जिणी सुरू केल्याय म्हण चिंत्ता. तें कोणी असल्यारी

निजायकी नशीबवंत रोबी. म्हाका तें नशीब ह्या जल्मांत फावो जालें नां'' मेबल अपलें मुखमळ अपल्या हातांनीं लिपवन हुसकार्न हुसकार्न रडलें.
रोबीन हळतार मेबलाच्या मुखमळा वयले हात वोंढ्ावन ताचीं दुकां पुसलीं. ''हांवें तुका भोगशिलां मेबल'' अपल्या वेंगेंत आरायलें रोबीन मेबलाक.

***

''रोबी, तूं परत मेबलाक आपणायतोलोयगी?'' रोबी एक्सुरो आसल्लो पळेवन होच आयिन्न वेळ म्हण चिंतून हळतार उत्रां विंचलीं सोनीन.
''कित्याक सोनी दुबावगी? म्हाकाच पात्येवन तें पाटीं आयलां. सगळ्यांनीं हात सोड ल्ल्या ह्या वेळा हांवें य ताचो हात सोडल्यार देव म्हाका भोगशीतगी? सोनी, सुक्रोन वेच्या झडाक हांवें उदक वोतुंकच न्हजो आसल्लें पूण हांव तांतूं आंक्री पळेवंक आशेलों. अनीं आज...'' रोबी बेजारायेन उलयलो.
''तुज्या उत्रांचो मतलब कितें रोबी'' सोनिच्या कपालार मिरियो पडल्यो. हांवें जर तुज्या मोगाक पाटीं मोग दीवंक नातल्लो तर तूं आज खंय पुणी सुखान आसता आसल्लेंय. अजून वेळ उत्रोंक्ना सोनी. तुज्या जिविताक एक नवो आवस्वर दी अनीं एका बरऱ्या चल्या कडे काजार जावन सुखान जिये सोनी. हांवें मेबलाक म्हज्या दोळ्यांनीं संसार दाकंवचो निर्दार केला. मेबल म्हाका राक्तासतलें हांव चल्तां सोनी'' सोनिच्या जापीक राकानासतां चल्तच रावलो रोबी. अपल्या दोळ्यांनी वाळच्या झरीक आडांवचें निर्फळ प्रयत्न केलें नां सोनीन.

***

''गूड मोर्निंग मेबल, हांव तुका नासटो घेवन आयल्यां'' सोनी मेबलालागिंच खाटीर बसलें.
''सोनी, हांव निजायकी मसत नशीबवंत, म्हज्या अपल्यांनी म्हजो सांगात सोडताना म्हाका तुवें अनीं रोबीन तुमचो सांगात दिलो. हांव तुमचें हें रूण केदिंच फारीक करुंक सकचीं नां.'' सोनिच्या हाताक सास्पलें मेबल. सोनीन अपलो हात मुखार कर्न ताच्या हाताक मेळयलो.

"तूं निजायकी मसत नशीबवंत मेबल" अपलें दूक दांबून दर्न नासटो मेबलाक खावयलो सोनीन. वाटली घेवन तें बात रूमा कुशीन चमकालें. तितल्यार रोबी थंय येवन पावलो.

"सोरी मेबल इल्लो वेळ जालो. सोनीन तुका नासटो दिलो म्हण चिंता" मेबलाच्या कपालाक उमो दांबलो रोबीन. हें द्रश्य पळेवन परत बात रूमाचें दार दांपून घळगाळ्यां रडलें सोनी. कितलें आशेल्लें तें रोबिच्या एका उम्या खातीर, ताच्या त्या एका स्पर्श्या खातीर पूण....

बात रूमाच्या अर्श्यांत आपलें मुखमळ पळेवन तोंड दुवन तें हळतार बायर आयलें.

"सोनी, तुवें म्हाका एक उपकार करिजे. हांव एका हप्त्या खातीर गर्जेच्या कामान डेल्ली वेते असां. हांवें येता परयांत म्हज्या मेबलाक सांबाळतेलेंयमू सोनी?"

रोबिच्या मोवाळ विनंतेक तें घञ्चेन ओप्पालें.

***

"मेबल, हें कितें तूं एक्सुरेंच असाय? सोनी कंय आसा?"

हप्त्या उपरांत पाटीं आयिल्लो रोबी मेबलाक एक्सूरयाक पळेवन सोनिचेर रागार जालो.

"आयलोयगी रोबी बरें जालें. हांव तुजीच वाट राक्तालीं. सोनी चार पांच दीस थावन येवंक नां. ताणें अपली जवाब्दारी एका नर्साक ओप्सिताना हांवें आयकालें. हांवें विचारल्ल्याक बलायकी बरी नां म्हण नीब दीवन चल्लें" मेबल रोबिचो हात दर्न उलयतालें.

"ही दोळ्यांक कसली प ी बांदल्या मेबल?" रोबी मात्सो आकांतलो.

"तुका एक बरी खबर दीवंक राकोन आसल्लीं रोबी. कोणेंगी एका पुनेवंतान मोर्च्या पयलें अपले दोळे म्हाका दिल्ले. देकून म्हजी कार्नियल ट्रान्स प्लांटेशन सर्जरी जाली. आज म्हज्या दोळ्यांची प ी काडुंक. उपरांत हांव देकोंक सक्तेलीं रोबी. आज थावन परत मेळच्या दिश्टी सवें हांव संपूर्ण बदल्तेलीं. तुजे संगी एक नवी जिणी जियेंवचो निर्दार हांवें केला, तुजी पर्वणगी आसल्यार.." मेबलाचें मुखमळ पर्जळ्ळें.

तितल्यार डा। संतोश कुडा बितर रिगलो.

"कशें असाय मेबल? तुज्या दोळ्यांची प ी सुटवंक असा. पयल्यान पयलें तूं कोणाक पळेवंक आशेताय?" डा। संतोश मेबलाक तपासताना सवाल करिलागलो.

"खंडीत जावन म्हाका नवें जीवन लाबयिल्ल्या त्या महान व्यक्तिची तस्वीर पुणी पळेवंक आशेतां डाकटर" मेबलाच्या विनंतेक डा। संतोश ओपलो. अनीं एक तस्वीर मेबलाच्या हातीं दीवन हळतार ताच्या दोळ्यांची प ी सुटवंक सुरू केली डा। संतोशान.

"निजायकी ती एक महान व्यक्तीच सय. अपणें जीव असतानांच अपले दोळे तुका दीवंक तिणें विनंती केल्ली. अपरेशन जावन दोन दिसांनीं तिणें जीवघात केलो. अमीं कितलें प्रयत्न केल्यारी तिचो जीव वांचवंक सकल्नांव. तिका हांवें भास दिल्या. तिचें नांव मात्र तुका सांगोंक हांव सकचो नां." उलयतां उलयतां हळतार मेबलाच्या दोळ्यांची प ी सुटयतलो डा। संतोश.

"मी। रोबीन थोडो वेळ तूं बायर रावशिगी?" दाक्तेराच्या विनंतेक खाल जावन रोबी रुमा बायर चल्लो.

"अतां तुवें दोळे उघड्येत हीच ती चली तुज्या जिविताची पालवल्ली वात परत पेटयिल्ली. तूं पळेवंक सक्तायमू?" डा। संतोशाच्या ताळ्यांत संतोस लिपोन आसलो.

"वय डाकटर हांव पळेवंक सक्तां, हांव पळेवंक सक्तां" खाटीर बसल्ल्या कडेच उडी मारुंक लागलें मेबल. अपल्या हातांतली तस्वीर परत परत पळेवन उपकार बावडिलागलें मेबल.

"कितली सोबीत असा ही चली. कित्या खातीर तिणें अपले दोळे म्हाका संपून जीवघात केलोगाय?" मेबलाच्या सवालाक जाप लाबली नां.

"बरें तर हांव रोबीक बितर दाडतां." डा। संतोश थंयचो चल्लो. रूमा बायर आसल्या बांकार रोबी तकली पंदा घालन बसल्लो.

" मी। रोबीन" डा। संतोशान हळतार अपलो हात ताच्या खांद्यार दवरलो. रोबी एकाचपाणें उडोन पडोन उटोन उबे रावलो.

"रोबीन, सोनी सुवारिसान हें कागाद तुका दीवंक सांगल्लें." डा। संतोश अपल्या बोल्सांतलो कागदा कुडको रोबिच्या हातांत चेपून रोबिचीं बुजां थापुडन चल्तच रावलो. सोनीन कित्याक दाक्तेरा कडे कागाद बरवन दीलां. अम्सरान रोबीन तो कागदा कुडको सोडयलो.

"मोगाच्या रोबी,

हांवें तुका पळेयिल्ल्या थावन हर्‍येक घडी हांव तुका आशेवन आसल्लीं. म्हजीं स्वपणां साकार जातात म्हणताना आयिल्ल्या वादाळान तुका म्हज्या थावन पयस वेलें. म्हज्या मोगाक तूं समजोंक सकलो नांय रोबी. हांवें तुका दिल्ल्या भाशे पर्माणें तुज्या जिविताक एक 'नवी दिशा' लाबयल्या. हें कागाद तुज्या हातांत पावताना हांव तुज्या थावन अनीं ह्या संसारा थावन मसत पयस पावल्यां आसतालीं. हांव तुज्या अनीं मेबला मदें कांटो जावंक आशेनां. ह्या जल्मांत तुजो मात्र हांवें मोग केल्लो रोबी पूण, ह्या जल्मांत तुजें सांगातीण जांवचें भाग म्हाका लाबोंक्ना. मेबलाचे दोळे जावन हांव सदांच तुजे सांगाता आसतालीं. हो विशय मेबलाक मात्र केदिंच कळोंक न्हजो.

आदेवस मोगा,

सदांकाळ तुजेंच,
**सोनी**.

सोनिचीं हर्‍येक उत्रां रोबिचें काळीज भेसां करुंक पावलीं. तो परत बांकार कुसकालो. ताच्या पर्वणगे विणें दोन थेंबे दुकां त्या कागदार पडलीं. उपरांत एक लांब श्वास सेवन कागदाचे चुरे लागिंच असल्या कचरया डब्यांत लिपवन दोळे पुसून तो मेबला सर्शीं पावलो.

"हांव पळेवंक सक्तां रोबी, हांव पळेवंक सक्तां. ह्या महान चलियेन अपले दोळे म्हाका दिल्यात. उपरांत ताणें जीवघात केलो कंय. बिर्मत... " मेबल उलयीत वेतालें. अपल्या हातांतली तस्वीर ताणें रोबी सामकार दरली. रोबी कितेंच उलवंक सकलो नां. ताणें मेबलाक वेंगलें.

"हांव स्वार्थी सोनी म्हाका भोगशी" मतिंतच सोनिकडचें भोगसाणें मागोन मेबलाच्या दोळ्यांक अपले वोंट दांबले रोबीन.

*** 000 ***

# अनाथ बापूय

"ह्या पावटीं चेर्को भुर्गो दीनातल्यार म्हाका तूंय नाका, तुज्यो दुवोय नाकात." विसकेचो घोट ताळ्यांत देंवयताना गरजलो विकटर.

"चेर्को या चेडूं हांवें मात्येंत पेटचें न्हय. ती देवाची खुशी" हांवें समधान घेतलें.

"देवाची खुशी, देवाची खुशी म्हण तीन चेडवांक भुंयक घालांय, ह्या पावटीं म्हाका म्हजी संतत वाडंवचो वारेसदार जाय. नां तर..." परत विसकेक घोट मारलो विकटरान.

ह्या वेळा हाच्या कडे कितेंय उलवन फायदो नां म्हण चिंतून कुजनांत आसलीं अयदाना दुंवन घालन हांवें बेड्रू रूमा कुशीन मेटां काडलीं.

निदोंक वेच्या पयलें म्हज्या तीन आंजासाक्र्या धुवांचेर एक नदर मारली. तेगांय गाड निदेंत असलीं. लागीं वचोन तांकां जाग जायनासल्या बरीं हळू तांच्या कपालाचो उमो घेवन तांच्या अंगावयर असली वोल सार्की कर्न हांव म्हज्या खटल्यासर्शीं पावलीं. एक खण तेर्स मुणोन उश्याक तकली तेंकली. विकटराचीं उत्रां म्हज्या काळजाक भालियेबरीं तोप्तालीं. "जर ह्या पावटिंय म्हाका चेडूं बुरगें जायत तर?", हांव चिंतुंनच घामेलीं. तितल्यार दाराक खीळ शिर्कायिल्लो आवाज आयकालो. "ये बा इल्लो मोग करयां" अमाली देंवचार म्हज्या बगलेक उबो

आसलो. हांवें नीद आयिल्ल्या बरीं नटन केलें. पूण पायदो नां जालो. ताच्या कुडिची आशा बागंवच्यांत तो यशस्वी जाल्लो. उपरांत म्हज्या कुशीनच खटल्यार पर्तालो.

लानपणारच आवय बापयक होगडायिल्ल्यान म्हजे कश्ट सूख वांटून घेवंक म्हाका ह्या संसारांत कोणी नातलीं. म्हजी जवाब्दारी हांवेंच वावरन, दिसाक काम कर्न रातीक शिकोन एका बररया कंपेनिंत कामाक हांव लागल्लीं. मोगाक दोळे नांत म्हळ्ळयाबरीं विकटराच्या मोगान म्हाका सरवस्व लाबयिल्लें. विकटर म्हजो मसत मोग कर्तालो. काजार जाल्या उपरांत 'कामाक वेचें नाका. हांवें जोडल्लें अमचें जीवन सारुंक पुरो' म्हण म्हाका घराच रावयिल्लें. हांवय खूश आसलीं. हांव पयिल्ले पावटीं आवय जाताना विकटर म्हजी मसत जतन घेतालो. म्हजो पूत म्हण म्हज्या पोटाक दर्न सदांनीत म्हज्या कुशिंतल्या बाळा कडे संभाशण कर्न आसल्या ताका हांवें चेडूं बुर्ग्याक जल्म दिताना मसत निराशा भोगल्ली. चेडो बुर्गो जायजे मळ्ळया आशेन भुर्गीं तयार कर्च्या मेशिना बरीं वर्साक एक म्हण तीन चेडवां बुर्ग्यांची आवय हांव जाल्लीं. आज हांव केवल पिंजरया बितरल्या सुकण्या बरीं म्हज्या पतिची जिण्ये सांगातीण जांवच्या बदलाक केवल ताका गर्ज पडताना त्रप्ती लाबंवची एक वसत जावंक पावल्लीं.

***

"विकटर, तुज्या घरांत लक्षी अयलां. नशीबवंत बापूय तूं, केदिंच वाटेर पडचो नांय." सिस्टरीन नेंव्या बाळाक विकटराच्या हातीं दिताना त्या नेंव्या आंजाचे मुखमळ पळेंवचेंय मन करिनासतां विकटर चल्तच रावलो.

म्हज्या दोळ्यांनी परत दुकांच्यो झरी वाळ्ळ्यो. "अनीं म्हज्या नशीबांत येंमकोंडच बरयलां" म्हजेयितल्याक चिंतून हांव घळगळ्यां रडलीं. मिसतेर समजनातल्या सिस्टरीन बाळश्याक पाळण्यांत दवर्न म्हज्या कुशीन खटल्यार कुलो तेंकुंन म्हजीं दुकां पुसलीं. "रडानाका आशा. खंच्या दिसा तुज्या नोवरयाक एका असतुरेचें मोल कळतेलें त्या दीस तो खंडीत पश्चात्ताप पावतालो." म्हजी सगळी काणीं तिका सांगून मन हाळू करयाशें भोगलें पूण म्हज्या घर्ची परिस्थिती चार वोणतिंच्या भायर गेल्यार म्हाकाच लज म्हण हांवें मौन सांबाळ्ळें.

डिसचार्ज जावन घरा आयिल्ल्या म्हाका एक वड आज्याप राकोन आसलें. विकटर सूटकेस घेवन गेल्लो तीन दीस थावन घरा येवंक नां म्हण कामाचें चेडूं नीता म्हणालें.

"ह्या पावटीं म्हाका चेर्को भुर्गो दीनातल्यार म्हाका तूंय नाका, तुज्यो दुवोय नाकात." विकटराचीं उत्रां परत म्हज्या कानांक अपटालीं. हांवें म्हाकाच सांबाळ्ळें. "गर्जेच्या कामान कंय गेलासतलो नीता" म्हजीं दुकां लिपवन हांव बितर सरलीं.

"मम्मी, कंय गेल्लीय मम्मी इतले दीस? पांच वर्सांचे नेंटे शरल दांवोन अयलें. "हांव तुका खेळू करुंक अन्येक बेबी हाडुंक गेल्लीं पुता." शरलाक थंयच बसवन म्हज्या हातांतल्या बाळाक ताच्या उसक्यार दवरलें. "मोसतू सोबीत असा बेबी" शरलान बाळश्याक वेंग्ताना, चार वर्सांचे रूपल तशेंच दोन वर्सांचे ऐरलय दांवोन येवन बाळश्याक वेंगुंक लागलीं. तेगानीं दांबून दर्ताना नेंट्या बाळान रडोंक सुरू केलें. "रडचें बेबी नाका मम्मी अमकां" बुर्ग्याक म्हज्या हातीं दीवन तेगांय नपंयच जालीं.

दीस दांवले, हफ्ते उबले, महिनेय पाशार जाले. विकटराचो पात्तो नां जालो. दिस्पडतो ग्रास सारुंक लागशिल्या आस्पत्रेंत रिशेपशनिसटाचें काम करुंक हांवें सुरू केल्लें.

मसत कश्ट काडन म्हज्या धुंवांक बरें शिकाप दीवन संसारी मौल्यानीं तांका वाडावन तांच्या पांयार उबें कर्च्यांत हांव यशस्वी जाल्लीं. बापायचें उणें पण तांका भोग्तालें तरी म्हजें मन दुकता म्हण एकी पावटीं बापायचो विचार ताणीं केल्लो नां.

***

"हलो, डा। सोनल रेबेल्लो एक एम्हर्जेन्सी एक्सिडेंट केस असा. तुर्तान आपरेशन थियेटराक येव्येतगी?" सोनलान मोबैल बोल्सांत चेपून तुर्तान आपरेशन थियेटरा कुशीन दांव मारली.

वाळचें रगात राववन त्या व्यक्तिचो जीव सोनलान वांचयल्यारी, ताचे पांय परत जोडसुच्यांत सोनल असमर्थ जाल्लें. आपरेशन जाल्लेंच थोड्या घंट्या नंतर पेशंटाक मत अयल्यार ताच्या संभंदिकांक फोन कर्न खबर दिंवच्या खातीर तें ऐसियू कुशीन चमकालें.

"कसो असाय मी। विकटर रेबेल्लो?" हासोन सवाल केलें सोनलान.

“देव बरें करूं डा। सोनल रेबेल्लो.” सोनलाच्या कोटाचेर दिसच्या ऐडी क पळेवन कश्टानीं उलयलो विकटर.

“तुजें एक्सिडेंट जाल्लें. तुका वाटेर वेतेल्यानीं हाडन हांगा भर्ती केल्लो. तुजीं कोणी असल्यार नंबर दी हांव तांका फोन कर्तां”. सोनलाक विकटराची बिर्मत दिसली.

“म्हजीं कोणी नांत डाकटर. थोड्या तेंपा आदीं म्हाका म्हज्या पुतान आसरयाक बर्ती केल्लो. म्हज्या जिविताचेर कांटळोन हांव जीवघात करुंक गेल्लों. लोरिये पंदा पडल्लो मात्र म्हाका उगडास, उपरांत कितें जालें हांव नेणां”. अपल्या दोळ्यानीं देंवच्या दुकांक लिपंवचें प्रयतन कर्तालो विकटर.

“बेजार करिनाका. म्हाका तुजी धूव म्हण लेख. आज थावन हांव तुजी जतन घेतालीं. हांवें तुजो जीव वांचयलो तरी तुजे पांय उरवंक हांव सकलीं नां. दयकर्न म्हाका भोगशी.” विकटराचो हात अपल्या हातीं घेवन उलयतालें सोनल.

“देवान म्हाका म्हज्या कर्नेची शिक्ष्या दिल्या डा। सोनल. हांतू तुजी कांय चूक नां. एक दाक्तेर जावन तुजें काम तुवें केलांय. म्हाका वांचोंकच नाकासल्लें तरी तुवें म्हजो जीव वांचयिल्ल्याक देव बरें करूं”.

“बरें तर हांव चल्तां. म्हाका दूसरया पेशंटांक पळेवंक असा. हांव सिस्टरी कडे सांग्ता कितेंय गर्ज पडल्यार म्हाका फोन करुंक”. सोनल थंयचें चल्लें.

***

“मम्मी, कितले पावटीं सांगलां तुका वकात वेळार काणघे म्हण.” अपलो शीण उचार्न कोंकून आसल्या म्हज्या ताळ्यांत कोंकलेचो शिराप वोतलो सोनलान.

“तुमचें चार अंजा साक्र्या धुवांचें काजार जावन तुमच्या धुवांक पळेयता परयांत म्हाका कांय जायना. देकुन्ंच सांग्ता वेग्गीं एक चेडो पळेवन काजार जाया म्हण.” हांवें य नकली राग दाकयलो.

“कालें मम्मी केदाळाय तुजें रजार, काजार काजार म्हण” शरलाक मात्सो राग आयलो.

“काजार जावन तुवें कितलें सूख पळेयलांय मम्मी? अमकां काजार जा म्हणताय? जर अमचे नोवरेय तुज्या नोवरया बरीं अमकां सोडन वेतीत तर?” ऐरलान भयणिचो सांगात दिलो.

“ऐरल!, ह्याडी विश्यांत तशें पूरा उलयनाका” हांवें ताळो उबारलो.

"खंच्या ड्याडी विश्यांत उलयताय मम्मी तूं? हांवें ताचें मुखमळ समेत पळेवंक नां. अमची जवाब्दारी वावोंवची तांक नासतां नेणत्या बाळांक तुज्या सावळेंत सोडन दाव ल्ल्या त्या असाहायक दादल्याक अमच्या जिवितांत जागो नां." सोनलाच्या उत्रांक म्हज्या कडे जाप नातली. हांव उटोन बेड्डु रूमा कुशीन चमकालीं.

"सोनल, तुवें तशें सांगोंक न्हजो आसलें. मम्मीक मसत दुखलां. चल अमीं वचोन सोरी सांग्या." रूपल, शरल, ऐरल अनीं सोनलाक घेवन आवयच्या कुडा कुशीन चमकालें.

"मम्मी, सोरी मम्मी तुजें काळीज दुखयिल्ल्याक. ड्याडी अमकां सोडन गेल्या उपरांत कितल्या कश्टानीं तुवें अमकां वागयलांय तें अमीं बररयान जाणांव. तुज्या दोळ्यांनीं केदिंच दुकां पळेवंक अमीं तयार नांव. पूण प्लीज अनीं मुकार ड्याडिचें नांव मात्र काडिनाका." रूपल उलवनच आसल्लें. चारी दुवांनी म्हाका वेडो घालो.

"कितलीं भागी हांव. तुमच्या तसल्या धुवांची आवय म्हणुंक म्हाका गर्व भोग्ता. देव तुमकां सदांच सुखी दवरुंदी पुता". हांवें ंय तांका वेंगलें.

"मम्मी, हांवें आज एक वडलें अपरेशन कलें. त्या व्यक्तिचो जीव वांचयलो पूण ताचे पांय उरवंक सकलीं नां. बिर्मत ताका कोणी नांत कंय, ताच्या पुतान ताका अनाथाश्रमक बर्ती केल्लो कंय. तो जीवघात करुंक गेल्लो एक्सिडेंट जावन एम्हर्जेन्सी आपरेशन करुंक अमच्या होस्पिटलाक हाडल्लें. ताका कोणी नांत म्हण रडतालो म्हाका बिर्मत दिसली. तो पाटीं अनाथाश्रमक गेल्यार परत जीवघाताक प्रयतन कर्तालो तें खंडीत. देकून ताची जवाब्दारी हांवें घेतल्या. हांवें ताका अमगेर रावोंक आपयेतगी मम्मी?" बिर्मत उचारली सोनलान.

"तूं पूरा पेशंटांक घरा हाडशी जाल्यार अमीं रसत्यार येजय पडात" शरल हेडयलागलें.

"तूं इल्लें ओगेच राव बाये. हांव मम्मी कडे विचार्न असां" शीण उचारलो सोनलान.

"तुजी खुशी पुता. तुमीं चारी जणां अपले निर्दार खुद्द घेवंक सक्तात, देकून म्हजी पर्वणगी गर्ज म्हण म्हाका दिसना. तुमिंच बांदल्लें इतलें वडलें घर असा जर एका व्यक्तीक जिवीत लाबता तर हांव कित्याक नां म्हणूं. पूण चिंतून मेट काड.

"देव बरें करूं मम्मी" म्हज्या गालाक कीस दांबून चितळापरीं उडोन नंपयच जालें सोनल.

***

"मम्मी, हो विकटर रेबेल्लो. आज थावन अमगेरच रावतालो" व्हील चेरा पाटल्यान रावोन उलयलें सोनल.

टिवी पळेवन असलीं हांव नांव अयकोन एकच पावटीं उटोन उबे रावलीं. म्हज्या पांयापदलीं धर्ण उग्ती जावन म्हाका गिळताशें भोगलें. हांव लागीं असल्या सोप्याचेर कुसकालीं. म्हजे वोंट एकामेका चिडकाल्ले. हांवें एक नदर विकटराचेर मारली. ताच्या दोळ्यांनी दुकां बरोन वोमततालीं. अमची दोगांची परिस्थिती पळेवन शरल, रूपल, ऐरल अनीं सोनल सैर बैर जाल्लीं.

"तुमीं एकामेका वोळकातातगी?" सोनलाची सवालाबरीत नदर अमचेर थांबताना म्हजेकडे उलवंक उत्रां नातलीं.

"वय पुता" विकटराच्या ताळ्यांत दूक बर्साल्लें.

"कशें ओळकतात तुमीं एकामेकाक?" शरलान आतुराय दाकयली.

"तुमकां वाटेर घालन गेल्लो तुमचो निर्भागी बापूय हांवच पुता" विकटर घळगळ्यां रडतालो.

"मम्मी तुजे सूक ल्ले घाय जिवाळ केल्ल्याक म्हाका भोगशी" म्हज्या गालांचेर हात बोंवडावन म्हजीं दुकां पुसलीं सोनलान.

"सोरी मम्मी, ताका अनाथाश्रमच फावो अपलें प्रायश्चीत करुंक." सोनल द्रड निर्दारान उलयलें.

"म्हाका पाटीं अनाथाश्रमक पावय प्लीज डा। सोनल. तुजो उपकार माग्तां. हांव ह्या घरांत अनीं तुमच्या जिणियेंत रावोंक फावो न्हय. म्हाका देवान म्हज्या कर्नेची शिक्ष्या फावो केल्या. म्हजी ऊरल्ली पश्चात्तापाची जिणीं हांव प्रायश्चीत करुंक अशेतां" विकटराच्या उत्रांनी पश्चात्ताप जळकातालो.

शरल, ऐरल, रूपल म्हाका वेंगून समधान कर्तालीं. सोनल कितेंच उलयनासतां विकटराचें वील चेर दारा कुशीन घुंवडायलागलें.

"एक मिनूट सोनल" म्हज्या आवाजाक सोनल थांबलें.

"विकटर, तुज्या दुवेन तुजो जीव वांचयला, पुताक आशेवन आस ल्ल्या तुका पुतानच घरा थावन भायर घालें म्हण आयकालें. तर आज, पंचवीस वर्सां उपरांत तरी दुवेचें मोल कितें म्हण जाणा जालोयगी विकटर?" हांव हळतार उत्रां विंचतालीं.

"आशा, हांव तुजे कडे जांव या म्हज्या दुवां कडे जांव बोगसाणें मागोंक फावो न्हय. वय, हांव पुताक आशेतालों म्हजी संतत मुकार वरुंक. पूण, अपल्याच मुळाक तो कुराड मारीत म्हण हांव नेणासलों. ताका जन्म दीवन ताची आवय अंतरली. कश्टांनी हांवें ताका वाडयलो पूण म्हज्या मोगांत कितें उणेंपण असलें हांव नेणां

दीस वेतां वेतां अमचे मदलो अंतर वाडात गेलो अनीं एक दीस ताणें म्हाका अनाथाश्रमाचीं मेटां चडयलीं. तुमचो म्हाका दीस रात उडास दोसतालो. म्हज्या दुंवाचेर एक नदर घालिजय अनीं तुमचे पांय दर्न माप मागजय म्हण सगळें दैर एकटांय कर्न तुमच्या घरा बागलाक पावताना म्हाका निराशा राकोन आस ल्ली. तुमचो पात्तो नां जालो. तुमकां मसत सोदलें पूण कांय फायद्याचें जालें नां. ह्या संसारांत सगळीं असोनी हांव "अनाथ बापूय" जाल्लों. म्हाका म्हज्या जिविताचेर कांठाळो आयिल्लो. थोड्या दीसां पयलें घट निर्दार कर्न राज रसत्यार तुमचिंच चिंत्ता आटवन चलोन असताना रबस्सान येंवच्या लोरियेच्या रोदांक सांपाडलों." विकटर पश्चात्तापाचीं दुकां गळयतालो. ताची काणीं आयकोन अमचेंय काळीज रडोंक लागल्लें.

"तुमकां पळेयलें अनीं हांव समदानेन मोर्तां. म्हजें बेसांव सदांच तुमचे सवें आसतालें. साद्य तर ह्या अनाथ बापायक भोगशिया. चल पुता सोनल, दयाकर्न म्हाका आश्रमाक पावय." विकटरान अपलीं दुकां अपल्याच हातानीं पुसलीं.

"राव विकटर, तुजी बायल अनीं दुवो जीव असता परयांत तूं परत अनाथ जांवचो नांय. पूण हांव हो निर्दार तुजी सावळी नासतां वाडल्ल्या म्हज्या दुवांचेर सोडतां." हांवें शरल, रूपल, ऐरल अनीं सोनला तेवशीं पळेयलें. तांच्या दोळ्यानीं दुकां उप्येतालीं. तीं एकामेकाक पळेवन कितेंगी हिशाररयानीं उलयलीं.

"ड्याडी, तुवें केल्या कर्न्यांक एदोळच तुवें प्रायश्चीत बोगलांय, अमीं जाणांव एका दुवेचें मोल तूं खंडीत एदोळच जाणां जालाय. जर अमिंय तुका आश्रमाक पावयलें तर पुता अनीं दुवे मदें तुका व्यत्यास कळचोनां. देकून अमीं दुवांनी निर्दार केला अयच्या उपरांत तूं अमचे सांगाताच असतालोय". म्हजें माल्गडें दूव शरल द्रड निर्दारान उलोवन असलें.

"पळेयलेंयगी विकटर, पुताक आशेवन दुवांक सांडल्ल्या तुका पुतान अनाथ केलो तरी, बापायची सावळी नासतां वाडल्ल्या दुवांनीं तुका आस्रो दिलो. हाच्याकी वर्तें प्रायश्चीत दुस्रें नां म्हण हांव चिंत्ता". मतिंत राग असल्यारी काळजाच्या एका कोनश्या मोगाचें एक किटाळ अजून जळोन असलें. म्हज्या धुवांच्या निर्दारान म्हाका भोवच संतोसबरीत केल्लें.

*** ००० ***

# घुंवडी

"ऊट पुता, वोरां आट जालीं, उपरांत इसकोलाक वेळ जाता." जनेलाचे पडदे वोंद्वावन मोगान उलो दिलो हांवें दीपिकाक. "गूड मोर्निंग मम्मी" आंगाची वोळ काडन उटलें दीपिका. उटोन बात रुमा कुशीन चमकालें तें. नासटो रेडी कर्ताना दीपी रेडी जावन बायर आयलें. नासटो सुरू कर्ताना आवय दुवेचें संभाशण सुरू जालें. तितल्यार कोल बेल्लाचो आवाज आयकालो. "दीपी, तूं ब्रेक फासट कर हांव कोण म्हळ्ळें पळेवन येतां." संभाशण अर्द्यार रावोवन हांव दारालाग्गीं पावलीं. दार उघडताना मुकार राव ल्ल्या व्यक्तीक पळेवन हांव थंयच रूक जालीं. "सिलविया, तुवें कितल्या मोगान पोसल्यार कितें जालें, ताचो वारेसदार आयला, अनीं तुका ताचेर कांयिंच हक्क नां." म्हजें अंतसकर्न उलैतालें. "नां, हांव आशें जावंक खंडीत सोडची नां." हांवें म्हजेयितल्याक चिंतलें.

"म्हाका पळयिल्लेंच खंच्या संसाराक पावलेंय? हांवें बितर येव्येतगी?" अविनाशच सवालांक हांव वासतवाक पाटीं आयलीं. हांव देगेक सरलीं. अविनाश बितर रिगलो.

"गूड मोर्निंग अंकल" अपरिचीत तरी वंदिलें दीपिकान. "गूड मोर्निंग पुता" हासोन पाटीं वंदिलें अविनाशान. "मम्मी रिक्ष आयली हांव वेतां" अम्सरान म्हज्या पोल्याक उमो दांबून आंगणाक देवलें दीपिका.

"कितें पुता, मम्मीक मात्र कीसगी? अंकलाक नांगी?" "अंकल, तुका फ्लै किस्स" हाताक कीस दांबून वाररयार उबयलो नेंव्या दीपिकान.

"सो स्मार्ट" उदगारलो अविनाश.

"तुज्या बरिंच" उचारुंक न्हजो जाल्लीं उत्रां उचार्न जीब चाबली हांवें . आश्चरयान म्हाका पोळेवन उपरांत उत्रां बदलिलीं अविनाशान. "तुज्या बेबीक देखलें, तुजो नोवरो खंय सिलवी?" बसका विंचताना सवाल केलें अविनाशान. "नो..नो..व्रो... ताणें ह्या संसाराक आदेवस मागोन धा वर्सां जालीं अविनाश." म्हजो ताळो कांप्तालो. "कितें, सिलवी हें तूं कितें उल्लैताय?" "म्हजें नशीब फुटलां अविनाश." हांवें तकली पंदा घाली. "हो! सोर्री सिलवी, तुजे सूकल्ले घाय हांवें जिवाळ केले ऐ याम रियली सोर्री." बेजारायेन उलयलो अविनाश. "कितेंय पियेवंक घेताय आविनाश?" विशय बदलुंचे प्रयतन केलें हांवें.

"नाका सिलवी, हांव तुज्यालागीं एका गर्जेचा कामान आयलां. प्लीज सिलवी म्हाका निराशी करिनाका. निर्मल तुजी मोगाची इश्टीण मू? तें म्हज्या बुर्ग्याची आवय जांवच्यार आसल्लें. तें सरल्ली खबर म्हज्या इश्टां थावन म्हाका मेळल्ली. थोड्या काराणांक लागोन म्हाका ताच्या मोर्णाक येवंक जावंक नां. ताचें भुर्गें कंय आसा म्हण तूं जाणांयगी सिलवी?" अविनाशाचीं उत्रां आयकोन घडगडो मार ल्लो अनभव जालो म्हाका. "अविनाश, ताणें सरोन लागीं लागीं धा वर्सां जालीं. अतां तूं ताच्या बुर्ग्याक सोदून आयलाय? एदोळ परयांत कंय आसल्लोय अविनाश? हांवें मात्सो राग दाकयलो.

"सिलवी, ताणें तुज्ये लागीं कितेंच सांगोंक्ना?" "नां अविनाश, तें मोर्ताना म्हाका पळेयजय म्हणतालें कंय पूण त्या वग्ता हांव घरा नात ल्ल्यान, म्हज्या फूट ल्ल्या नशीबांत ताची निर्जीव कूड देखचें भाग मात्र भोगेल्लें." म्हज्या दोळ्यां तावन देंव ल्लीं दुकां उसक्यार पोडोन जिरलीं.

"सिलवी, हांव अन्येक सवाल विचारूं?" "कितें?" हांवें अविनाशचें मुखमळ चोयलें कुतूहलबरीत नद्रेन. "सिलवी, तूं कोलेजिंत आसताना म्हजो मोग कर्तालेंयमू?" अविनाशन म्हजें मुखमळ पळेवन सवाल केलें. हांव पांच मिनुटां तटस्थ जालीं. "अविनाश, तो एक संपललो अवस्वर, अतां चिंतून कांय फायदो नां." हांवें म्हजी दीश्ट दर्णीक लायली. "सिलवी, अमीं अतां कित्याक काजार

जावंक न्हजो?" "अविनाश" ताचीं उत्रां अखेर जांवच्या पयलें हांव किळंचलीं. "कित्याक सिलवी, हांवें कितें पुणी चूक सांगलेंगी?" अविनाश लान बुर्ग्याबरीं उलैतालो. "कित्याक साध्य नातल्लीं उत्रां उलैताय अविनाश?" हांवें राग दाकयलो.

"कित्याक साद्य नां सिलवी" अविनाशन हट सोडलें नां. "अविनाश, हांव एक विधव."

"तूं कितें चिंत्ताय हांव अंकवार म्हणगी? नां, हांव य एक विधूर. म्हाका धा वर्साचो एक चेर्को बुर्गो आस" अविनाश सिलविच्या दिश्टीक अपली दीश्ट मेळोंक सकलो नां. "व्हाट!?"

"वय सिलवी, तूं पात्ये या सोड हें सत". अविनाश हळतार उत्रां विंचतालो.

"पळे अविनाश, हर्येका मनश्याच्या जिणियेंत एक घुंवडी येता. हांव दोन जिरिंयांच्या मदें एक्सुरीं रावोन आसां. पाटीं पळयल्यारी एक गूंड जिरी अनीं मुकार पळैल्यारी एक गूंड जिरी दिसता. एकच हांवें रावल्ल्या कडेच रावजय या त्या गूंड जिरियेंत उडी मारिजय. तशी जाल्या म्हजी परिस्थिती. सांग अविनाश ह्या परिस्थितेंत हांव कितें करूं?". म्हजे दोळे बीजल्ले. गालांचेर हात बोवडांवन हांवें हळतार अविनाशाक चोयलें तो मौन आसल्लो.

"हांव चल्तां सिलवी, साध्य तर परत मेळ्यां" ताचेंय काळीज रडता म्हळ्ळ्याक ताचें मुखमळ साक्स जावनासल्लें. तो चल्तच रावलो.

***

दीस गेले, हफ??ते सर्रले, महिने उबले अनीं वर्सांय पाशार जालीं. पील सुकणें अतां आकासाक उबोंक आयतें जाल्लें. आवय सुकण्याक अतां खंत सुरू जाल्ली अपूण अनीं एक्सुरीं जातालीं म्हण. पूण तिणें अपणाकच समधान कर्न काणगेलें. हें प्रक्रतिचें नियम तें कोणा वर्वी मोडुंक जायन म्हण. वय म्हजें नेंटे बाळ दीपिका अतां व्हड जाल्लें. अमीं रातीं जेवणाच्या मेजार मात्र सांगता बसोन जेवताना उलोंवचे आसल्लें. नातल्यार दीपिकाक म्हजे खातीर खर्चुंक थूडो वेळय मेळनातल्लो. तें म्हजे थावन पयस वेताशें म्हाका भोग्तालें. तें खूश आसल्लें. तें आज–काल उडकणां घाल्चें चितळ जावंक पावल्लें. ताका आडावंक म्हाका मन नातल्लें. ताची खुशीच म्हजी खुशी जावनासल्ली. "दीपिका, हांवें तुज्या खातीर एक बरो चलो पळेवन तुजें काजार करिजय म्हण चिंतलां तुजी अभिपराय कितें?" जेवणाच्या मेजार बसोन आसताना हांवें उल्लोवण्याक बुन्याद घाली. अपल्याच

संसारांत कितेंगी चिंतून जेवन आसलल्या दीपिकाक आवयचीं अचानक उत्रां आयकोन उसतुरें गेलें.

"मम्मी उदक" अपल्या ताळवेक अपणेंच थापुडन उलयलें दीपीक.

"कितें जालें मा दीपी, काजराचो प्रसताप काडताना तुका कित्याक उसतुरें गेलें?" हांवें फोकाणां केली.

"नां, नां मम्मी हांव कितेंगी चिंतून आसल्लीं" दीपिकान परत एक उंडी तोंडांत दवरली. "काजारा विश्यांत तुजी अबिपराय विचारली पुता" "कोणाच्या काजरा विश्यांत मम्मी?" "अनीं कोणाच्या तुज्याच. म्हजी काजार जांवची प्राय उतरली." हांवें क्रतक राग दाकयलो.

"इतले वेग्गीं हांव तुका जड जालिंगी मम्मी?" "तशें न्हय पुता, जावंक आसचीं शूभ कारयां पूर त्या त्या वेळार जाल्ल्यारच ताका सोभाय पुता" हांव उलोन्ंच वेतालीं. "तें व्हय मम्मी, पूण हांव गेल्ल्या उपरांत तुका पळेवंक कोणा आस?"

"तूं म्हज्या विश्यांत खंत करिनाका पुता. म्हज्या नशीबांत कितें लिखलां तशेंच जातालें. सलवणे पाटल्यान जयत अनीं कश्टां पाटल्यान सूख आसताच." "पूण मम्मी, तुवें सगळी जिणी दुखानिंच हात दुलेय मू कितें तुका हीं उत्रां लागू जायनंतगी?"

"म्हजें नशीबच फुटलां पुता, गोमव्या परयांत उदकांत बुडल्या उपरांत हिंव खाता म्हळ्यार जातागी? तें पूर सोड, तूं म्हाका हें सांग, तुवें खंच्या पुणी चल्याक पळेलांयगी? कोणाचो पुणी मोग कर्तायगी?"

"तें... तें... पुरा अतां कित्याक मम्मी?" "सांग पुता दीपी लजेनाका."

"मम्मी, ताचें नांव सूरज. म्हज्या आफिसाचो मेनेजर तो. कोलेजिंत आमीं सांगाता शीकल्ल्यांव. ताच्या वर्विंच म्हाका शिकाप जाल्ल्या उपरांत बरें काम मेळ्ळें. तो मोजो मसत मोग कर्ता मम्मी" दीपीक बिंयान उत्रां विंचतलें.

"तुजे खुशे पर्माणेंच जांवदी दीपी. ताच्या मम्मी–ड्याडी सांगाता ताका फाल्यां आमगेर आपय. म्हजीं उत्रां आयकोन दीपी संतोसान उडी मार्न म्हज्यालागीं येवन जेवणाचो उसटो हात म्हज्या गोमव्या भंवारी रेवडावन म्हज्या गालांक अपले वोंट दांबिलागलें. त्याच संतोसान ताणें वचोन

रिसीवर उकल्लें अनीं ही संतोसाची खबर ताणें सूरजाक तिळसिली.

दुस्रो दीस दीपिकाच जिण्येचो वर्त्या संतोसाचो दीस. हांवें उटंवच्या पयलेंच तें उटोन रेडी जाल्लें. वरां सार्कीं नोव मार्ताना दाराची कोल बेल्ल वाजली.

"मम्मी, तीं आयलीं म्हण दिसता, वचोन दार काड प्लीस" आरायलें म्हाका दीपिकान.

"दीपी, तुंच वचोन काड पुता. हांव चिक्कें बिझी आसां"

"मम्मी, प्लीज मम्मी हें एक काम म्हज्याकडे सांगानाका. वच मम्मी प्लीज" पराक्तिलागलें दीपीक. दीपिकाचे ओत्तायेक लागोन संतोसन तशेंच आतुरायेन बागलासर्शीं पावलीं. दार उघडताना मुकार रावल्ल्या व्यक्तीक पळेवन हजार घडघडे सांगाता मारल्लो अनभव जालो म्हाका.

"कितें अंटी, आयिल्ल्या सयरयांक बागलार थावन्ंच पाटीं धाडचें म्हण चिंतलायगी कितें" हांव रावल्ल्या कडेच रूक जाल्लीं पळेवन सूरज उलयलो.

"हो! ऐ याम सोरीं. येया बितर येया" हांवें कसटांनी मुखमळार हासो हाडल्यो. तितल्यार दीपिकाय हातांत तंड पीवनाचे ग्लास घेवन चोवकेक पावलें.

"सिलवी, म्हज्या पुतान बररया चेडवाकच विंचलां. म्हज्या पुताची पसंद तुजी धूव म्हळ्ळें हांव नेणासलों. अतां म्हाका अधीक संतोस भोग्ता, अमची इसटगत संभंदांत बदल्ली म्हण" आविनाश म्हाका पळेवन संतोसान उलयीत वेतालो.

"अविनाश, हें...हें... काजार जावंक साध्य नां" तांची दीश्ट फूड करुंक तांकनासतां हांवें तकली पंदा घाली.

"सिलवी, तुका पिशें पुणी लागोंक नामू?" अविनाशाक राग आयलो. "............" हांवें मौन पण सांभाळ्ळें.

"मम्मी, जर हें काजार जायन तर हांव जीवघात कर्तलीं." दीपिका रडोंक आयतें जाल्लें.

"दीपिका!!!"

"अंटी, अशें कित्याक उलयताय? म्हाका शिकाप नांगी?, सोभाय नांगी?, काम नांगी? अंटी उलय" सूरजान राग दाकयलो.

"तुमचीं काळजां शिंदचीं उत्रां हांव आयकोंक सकाना पुता"

"तर सांग सिलवी, हें काजार आडावंक कारण कितें?" अविनाशान अपलें हट सोडलें नां.

"अविनाश, जी ज्वालामुखी आज परयांत म्हज्या काळजांत दांबून दवर ल्ली आज तुमचे मुखार फुटयतां अनीं समधानेन मोर्ता" हांवें दीर्घ श्वास सेवलो. अविनाश, सूरज अनीं दीपिका आतुरायेन म्हजेंच मुखमळ चोयतालीं. "पुता

दीपिका, तूं म्हजी धूव न्हय बगार अविनाशाची धूव. अनीं भावा–भयणिचें काजार जावंक साध्यगी पुता".

"मम्मी, हें तूं कितें उलयताय?" "सिलवी, तुका पिशें लागलं?" "अंटी, हें सतगी?" सवालांचो शिंवोर म्हजेर वोतलो.

"व्हय पुता दीपिका, आज परयांत लिपोन दवरल्लो हो घूट म्हजे सांगाताच अंत्य जायजय म्हण चिंतल्लें. पूण दुस्री वाट नासताना आज हो घूट तुमच्या मुखार उगडापो करिजय पडलो." तांच्या दिश्टिंक फूड करुंक तांकनासताना हांव हळतार उटोन जनेला कडे पावलीं बायर दिसच्या निळशा मोळबाचेर अपली दीश्ट खंचयली अनीं हळतार उत्रां विंचलीं. "पंचवीस वर्सां आदीं हांव, निर्मला अनीं अविनाश एकाच कोलेजिंत शिक्तेल्ल्यांव. अविनाश एक सोबीत अनीं स्मार्ट चलो जाल्ल्यान चेडवानीं ताचो मोग आशेंवचें सहज जावनासल्लें. हांवय तांतलीं एकलीं जावनासल्लीं. हांवय अविनाशाचो गुपीत मोग कर्तालीं. पूण अविनाश निर्मलाचो मोग कर्ता म्हण कळताना हांवें रेंवेर बांद ल्लीं स्वपणांची रावळेरां दर्णीक शेवटाल्लीं. हांव मसत रडलीं पूण वेळ उतरल्लो. निर्मला म्हज्या मोगाची इश्टीण जाल्ल्यान हांवें म्हज्या मोगाचो त्याग करिजय पडलो. अविनाशाक विस्रोंचे मसत कश्टांचे जाल्लें पूण म्हजें प्रयतन हांवें सोडलें नां. अखरेक हांवें म्हजी सगळी जिणी एक्सुर्पणांत जियेंवचो निर्धार घेतल्लो. दीसां पाटल्यान हफ्ते महिने वर्सांय उबोन गेलीं. अमची कालेज संपली. अविनाश कालेज संपल्ल्या दूसरया दिसाच मायाक जाल्लो. निर्मला मसत रडलें, कित्याक ताणें केल्ल्या पात्काचो पळ ताका आतां भोगुंक आसल्लो. निर्मला अविनाशाच्या बुग्र्याची आवय जांवच्यार आसल्लें. निर्मलाचें घराणें मरयाद्बंत अनीं देव–भिरांतेचे जावनासल्ल्यान ताका त्या घरांत जागो लाबलो नां. दिशा दिसानात ल्लें निर्मला अखरेक म्हजे सर्शीं आस्रो विचार्न आयलें. म्हाका ताची बिर्मत दिसली.

निर्मला खातीर हांवेंय घर सोडन बाड्याचें घर सोदिजय पडलें. दीस भरले अनीं निर्मला एका सोबीत चेडूं भुग्र्याक प्रसूत जालें. निर्मल त्या नेंट्या बाळाक म्हज्या हातांत दीवन आशें म्हणालें."सिलवी, कितेंच नेणासल्ल्या ह्या नेंट्या बाळाक तुज्या हातीं दितां. ताका तुज्याच बुग्र्या बरीं तूं वाडयतालेंय म्हण पात्येतां. जर तुका कश्ट भोग्तात तर ताका कंच्या पुणी आश्रामांत सोड. एद्दोळ परयांत तुंवें केल्ल्या सर्व

उपकारांक देव बरें करूं" अपल्या जिविता विश्यांत कांटाळो भोगल्ल्या निर्मलान जीवघात केल्लो. म्हाका अतां सगळ्यो वाटो बंध जाल्ल्यो. त्या नेंव्या बाळाक घेवन घर वचोंकी न्हय, एक्सूररयान त्या नेंव्या बाळाक काणघेवन रावोंकी न्हय. म्हाका कितेंच समजनातलें. तितल्यार म्हाका अन्येक आघात राकोन आसल्लें. म्हजीं अवय–बापय दोगांय अवघडांत अंतरल्लीं. हांव संपूर्ण असहायक जालीं. चिंतून चिंतून एका निर्दाराक आयलीं. त्या नेंव्या बाळाक वर्न आश्रमांत सोडलें अनीं घर्ची वाट दरली. मसत रडलीं. म्हाका बुजयतालीं कोणी नातल्लीं. हावेंच म्हाका समाधान केलें. सैरयां–दैयरां सांगाता मोर्णाची विधी संपयली. इतल्या वडल्या आसतीक हांव एकलिंच वारेसदार जाताना सैरीं – दैरीं पूरा म्हाका सांभाळच निबान लागीं सरलीं. हांवें म्हजें काळीज घट केलें. म्हाका कोणायचीय घर्ज ना म्हण स्थीर रावताना, एकेकलिंच निस्रोंक लागलीं. हांव आतां तितल्या व्हडल्या घरांत एक्सुरीं जाल्लीं. म्हज्या मतीक समधान नातलें. म्हजें एक्सुर्पण पयस करुंक हांवें निर्मलाच्या बाळाक घरा हाडचो निर्दार घेतल्लो. समाजेक फूड कर्च्या कातीर हांवें विद्विचो वेस पांगुरिजय पडलो. धा वर्सां उपरांत अविनाश निर्मलाच्या बुर्ग्याक सोदून म्हज्या घर्चें मेट चडताना हांव भियेल्लीं तो म्हजें सर्वस्व जाल्ल्या दीपीक वरुंक आयला म्हण. पूण तशें कितेंय घडोंक्ना. अविनाश आयिल्ल्या वाटेन पाटीं पर्ताल्लो उपरांत आजच हांवें ताका पळेंवचें."

हांव लांब श्वास घेवन म्हजी काणीं संपवन हांवें तांचेर दीश्ट चरयतान सगळ्यांचे दोळे बीजल्ले. हांवें दीपिचो हात अविनाशच्या हातीं दीवन परत उलोंक सुरू केलें. "अविनाश, हांवें समाजेक फूड कर्न ह्या फुलाक बोंग्या थावन फूल करिजय तर मसत कश्ट काडल्यात. अनीं आज तुज्या आसतीक तुज्याच हातांत ओप्सितां ह्या फुलाक केदिंच बावोंक सोडिनाका" म्हज्या दोळ्यां थावन देंवल्ले दोन थेंबे त्या हातांचेर पडले. "मम्मी, तूं रडताय? आज परयांत हांवें तुका रडचें पळेवंक नां. अपल्या काळजाबितर इतलीं दुकां दांबून दर्न म्हाका तूं हासयतालीय. हांव तुका सोडन कंय वेचीं नां." दीपिका हुसकार्न रडतालें.

"सिलवी, हें काजार खंडीत जातालें." आविनाशन सूरजाचो अनीं दीपिचो हात अपल्या हातीं घेतलो. "अविनाश, तूं पिसो पुणी जावंक नांयमू?" हांव आविनाशचेर अज्यापांची नदर चरयली.

"सिलवी, अम्सोर्नाक. तुजी जिणी आमचे मुखार उघडलीय अतां म्हजी काणीं आयक" अविनाश सूरजा कुशीन घुंवलो.
"सिलवी, जशें दीपिका तुजी धूव न्हय तशें सूरज म्हजो पूत न्हय" सूरजाच्या भुजांक धर्न उलयलो अविनाश.

"पप्पा" किंक्राटलो सूरज.

"वय सिलवी, कालेज डे जाल्लेंच रूमाक पावताना म्हाका एक कराळ खबार राकोन आसल्ली. म्हजो पप्पा सिरियस आसल्लो. हांव म्हज्या पप्पाचो मसत मोग कर्तालों. लानपणा थावन अवयचो अनीं बापयचो मोग दीवन मोगान म्हाका सांभाळल्लें. निर्मलाक मेळच्या तितलो वेळ म्हज्याकडे नातल्लो. हांव दूसरयाच घडिये बस दर्न म्हज्या पप्पा सर्शीं पावलों.

"पुता, हाचें नांव निशा. हाक कोणी नांत ताचो घोव अनीं मांव विमान अवघडांत अंतरल्यांत. ताचो मांव म्हजो इश्ट जाल्ल्यान ताका हांवें भास दिल्ल्या ताच्या सुनेक हांव अखेर परयांत पळैतालों म्हण. तें अतां भरल्लें गुर्वार पुता ताका बरें कर्न सांबाळ अनीं हांवें दिल्ली भास उरय. तुका देवाचें बेसांव आसतालें पुता. ताका अनीं ताच्या बुर्ग्याक बरयान सांभाळतलोय म्हण भास दी" पप्पान अपलो हात मुखार हाडलो. त्या घडिये हांव निर्मल विश्यांत कितेंच सांगोंक सकलों नां. पप्पाचा मोगा खातीर हांवें अपलो हात पप्पाच हातार दवर्न ताका भास दिली. निशाची जवाब्दारी म्हज्या हातीं संपून पप्पान थोड्याच घडियानीं दोळे दांपले. आतां हांव कात्रिंत शिर्काल्लों. एका वाटेन म्हज्या बाळाची आवय जावंक आसचें निर्मला अन्येका कुशीन भरल्लें गुर्वार, म्हजी जवाब्दारी निशा. निशाक एक्सूररयाक सोडन निर्मला सर्शीन धांवोन येवंक म्हाका मसत ताळणी येताली पूण बापायक दिल्ली भास म्हज्या वाटेक आड येताली. थोड्या दिसानीं निशा एका सोबीत चेड्या बुर्ग्याक म्हाका ओप्सून तें ताच्या घोवा सर्शीं पावल्लें. ह्या मधें म्हज्या इश्टां थावन खबर मेळ्ळी म्हज्या निर्मलाकी हांव ह्या जल्मांत पळेवंक सकचो नां म्हण. हांव रडलों. हांवें म्हाकाच सांभाळ्ळें. पप्पाक दिल्ल्या बासे पर्माणे हांवेंय ह्या फुलाक मोगान पोसून वड केलां. अतां सांग सिलवी, हें काजार तूं आडांवचे नांयमू?" अपली काणी संपवन म्हाका चोयलें अविनाशान.

"हें काजार खंडीत जातालें अविनाश, बगार हांवच मुखार रावोन हें काजार करयतालीं." हांव हासलीं.

पूण दीपी अनीं सूरजाचे दोळे दुकांनीं भरल्ले.

"अमचे खातीर कितले कश्ट तुमीं काडल्यात. अपापल्याच फुडाराक उजो तुमीं लायला. निजायकी तुमीं वर्तीं मनश्यां." दीपीन अनीं अविनाशान रडोंकच सुरू केलें.

"पळे दीपी, सूरज हो वेळ रडचो न्हय. आमीं सगळें विसर्न काजराची तयाराय सुरू करयां. कमोन चियर अप". हांवें दीपीक अनीं सूरजाक वेंगलें. कश्टांनीं ताणीं तांच्या मुखमळार हासो हाडल्यो.

"वय, सूरज, म्हजी मम्मिंच म्हजी सासुमांय जाताली, अनीं तुजो पप्पाच तुजो मांव जातालो." संतोसान उलयलें दीपिका.

"दीपी, तुज्या उत्रांचो मतलब म्हाका समजोंक्ना पुता" हांवें अनीं अविनाशान अज्यापोन दीपिकाक देकलें. "मम्मी, आज परयांत हांवें कितें विचारल्यारी तें सगळें तुवें म्हाका दिलांय, पूण आज हांव अक्रेक एक विचार्ता नां म्हणानाका प्लीज." दीपी म्हजे हात दर्न हळवायेन उलयलें. "कितें पुता विचार, म्हजे थावन साद्य तर हांव खंडीत दितां."

"मम्मी, तुवें कित्याक अविनाश अंकलाची जिण्ये सांगातीण जावंक न्हजो?"

"दीपी, हो एक विशय सोडन दुस्रें कितेंय विचार?" हांवें कृतक राग दाकयलो.

"कित्याक मम्मी?" दीपी हटाक पडलें.

"दीपी, तूं अनिकी लान बुरगें पुता, तुवें जाणा जांवच्यो संगती ह्या संसारांत अनिकी मसत आसात. ह्या समाजे विश्यांत तूं कितेंच नेणांय"

"तुमच्या काजराक ही समाज खंडीत आड येंवची नां मम्मी."

"काजराक जाल्ली धूव आसतान ह्वे मतारेक होरबोस पोळे म्हण ही समाज खंडीत जावन बोट जोक्तेली."

"मम्मी, ल्हान थावन ह्या समाजेक फूड कर्न जियेल्ली तूं अतां ह्या समाजेक भियेताय?" दीपीन अपलें हट सोडलें नां.

"ह्या एका विशयांत तूं हट करिनाका दीपी. जर हांव ह्या क्षणीक सुखाक लब्दाल्लीं तर, आज तूं ह्या जाग्यार आसतें नात ल्लेंय. खंच्या पुणी अनाथ आश्रमांत अनाथ जावन वाडतें आसल्लेंय." म्हजीं उत्रां दीपिच्या काळजाक तोपलीं जायजय, ताणें सलवणी मानून घेतली.

"व्हय पुता दीपी, ह्या संसारांत घोव–बायलेचो संभंद सोडल्यार दुस्रेय मसत पवित्र संभंध आसात" अविनाशान दीपिच्या भुजांक धर्न दीश्ट म्हजेर खंचयली.

***

सूरज अनीं दीपिकाचें काजार बारीच गद्दाळायेन जालें. अनीं आज आयिल्लो दीस वेगळाचाराचो. म्हज्या जिवितांतलो निजायकी एक दुखा भरीत दीस तो जावंक पावल्लो. वरां सांजेची स जाल्लीं. अविनाश अपल्या पुताक सूरजाक अनीं अपल्या सुनेक दीपिकाक घेवन मेटां देंवलो. दीपिका म्हाका पोटलून दर्न हुसकार्न हुसकार्न रडतालें. हांव तुका एक्सूरयाक सोडन कंय वेचीं नां म्हण हटाक पडल्लें. "काजारा उपरांत घोव अनीं घोवाचें घरच सर्वस्व पुता." म्हण समजोवन कशेंय बोळावन घर बायर सरोंक आयतें केल्लें हांवें दीपिकाक.  सर्वांच्या दोळ्यांनी दुकांची झर वाळताली. म्हाका एक्सूरयाक सोडन मसत पयस तीं पावल्लीं. पूण तांचे हात मात्र वाररयार हाल्चे म्हाका दिसताले. म्हजी दिश्ट गयरी जाली, दुकां बरोन. पूण रडोन फायदो नातल्लो. पील सुकणें अतां पाकां फुटोन आकासाक ऊब ल्लें. प्रकतेच्या नियमां पर्माणें आवय सुकणें आज अपल्या घोंटेरांत एक्सुरें जाल्लें.

थंयच लागीं आसल्ल्या आराम कदेलार हांव कुसकालीं. हांवें दोळे धांपले. सगळ्या म्हज्या जिणियेचें चित्रण म्हज्या दोळ्यां सामकार अयलें. हांवें दोळे उग्ते कर्ताना बोंवतोणी काळोक प्रसारल्लो. हांवें हळतार उटोन दिवे पेटयले.

म्हाका अनिकी जियेवंक आसल्लें. हांवें आशेल्ली जिणी हांव जियेवना व्हय, पूण हांवें विंचलेली जिणी येदोळ परयांत सार्थक पणीं हांवें सार ल्ल्या. निर्मलाची आशा हांवें ज्यारी केल्ल्या, दीपिकाक ताचें जिवीत हांवें लाबयलं. तर हांवें अनीं कोणा खातीर जियेजय. म्हज्या उतर प्रायेर कोण आसा म्हजी चाक्री करूंक? देकुन्च हांव इछचा मरण आशेतां. आसत–बदीक सगळें हांवें दीपिकाच्या नांवार बरयलां. जिण्येची हांवें विंचवण केली व्हय, मर्णाचीय विंचवण कर्ची ताळणी म्हाका मसत पावटीं आयली पूण एक धीर क्रिसतांव स्त्री जावन हांवें अशें केल्ल्यार चूक जायत. देकून स्वाभावीक मरण हांव आशेतां, पूण वेगिंच. ह्याच खातीर म्हज्या काळजाच पिडेचीं वक्तां हांवें उडयल्यांत, दाक्तेराची भेट आडायल्या, मर्णाक हांव राकोन रावल्यां अधीक मोगान वेंगुंक.

*** 000 ***

# देवाची खुशी

वरां सांजेचीं स मार्ताना ललिता येवन सगळ्या दिसाची पुरासण पयस कर्च्या खातीर अपल्या गुडसुलाच्या मेटार बसोन अपल्या पालवाच्या पोंतान अपलें मुखमळ पुसून लांब श्वास घेवंक लागलें.

“मांय म्हाका भूक लागल्या” पांच वर्सांचे नेंटे कविता आवयच्या पासळेंत रिगलें

“मांय, आज फेसत नंयगी? प्रेम्हाक्कागेर गम्मत केलां. अमकां कांय नांगी मांय?” आट वर्सांच्या नेंव्या कुसुमाचीं उत्रां ललिताचें काळीज शिंदुंक पावलीं.

“अमकांय बरे दीस येतेले पुता” अपल्या पालवाच्या पोंताक बांद ल्ली अयची कूल सुटय लागलें ललिता.

“तुमीं बसा हांव आंगडी वचोन कितें तरी घेवन येतां” ललिता मेटां वयलें उटोन उबें जालें.

थोड्याच वेळान पेजेक अनीं निसत्याक जाय जाल्ल्यो वसतू घेवन बितर रिगलें ललिता.

दोन दीस थावन उजो देखानात ल्ल्या रांदणीक लांकूड चेपून उजो पेटयलागलें. सळसळच्या उदकाक तांदूळ घालन उजो मुखार सार्ताना ताची मत ताणें एदोळ परयांत सारल्ली कराळ जिणीं नियाळुंक लागली.

“लान थावन्ंच कश्टांक म्हज्या सांगाताच घेवन हांव चल्तां. आवय–बापायक लानपणारच हांवें होगडायलें. म्हज्या बप्पून अपल्या खांद्यार आसची अपली जवाब्दारी देवंवच्या खातीर म्हाका एका बेब्द्याच्या गोमत्याक बांदले. काजार जाल्या उपरांती सुधाकरन अपली सवय सोडुंक नातल्ल्यान सुधाकराच्या भावानीं म्हाका तशेंच सुधाकराक घरांतलें बायर घाल्लें. एक लानशें गुडसूल अमीं बांदून अमची काजारी जिणीं अमीं सुरू केली. थोडे दीस सुधाकरन पियेंवचें सोडलें. हांवें देवाक अर्गां दिलीं. पूण कुसुमा जल्माल्ल्या दिसाथावन परत सुधाकरन बाटली वेंगली. अनीं थोड्या वर्सानीं कविता जल्माताच सुधाकर पुर्तो भिगडलो. लडाय, झगडें, कर्कर चडात गेलें. हांव सलवालीं. मौन पणीं सगळें सोसुंक शिकलीं.”

“मांय, पेज वोतली” कुसुमाच्या जागवणेक ललिता चिंन्ना सागोरांतलें वासतावाक पाटीं आयलें. पेज भुंय दवर्न निसतें रांदणीर चडयलें ललितान.

“मांय, अमीं वेग्गीं जेव्यां नां तर बाब आयल्या उपरांत रांद ल्लें जेंवचेंय अमच्या नशीबांत आसचें नां”. कुसुमाच्या तोंडांतून समजणेचीं उत्रां भायर पडलीं. ललितान हुनोनी पेज अनीं निसतें तीन बशियांनीं वांटलें.

कविता अनीं कुसुमा भुकेन कंगाल जाल्ल्यान हून म्हण पळय नासतां गिळुंक लागलीं. ललितान पयलो घास काडन तोंडाक दवर्ताना सुधाकरचो ताळो आयकालो.

“दार काडगो भाणशीररया” सुधाकराच्या ताळ्याक भुर्गीं कोनश्यांत लिपलीं. ललिता कांपोंक लागलें.

“नाका मांय दार काडिनाका” कुसुमाचो ताळो कांप्तालो.

“ह्या मोडकोर दाराक सुधाकराची एकच खोट पुरो पुता, देकून दार काडचेंच बरें” ललिता कांपच्या पांयांनी दारा लाग्गीं पावलें.

“इतलो वेळ गो गाडवा तुका दार काडुंक?” ललिताच्या केसांक दर्न पयस लोटलें सुधाकरन.

मुखार आसल्ल्या बशियांनी पेज अनीं निसतें पळेवन ताचो पिंतेग चाळवालो.

“हांव नातल्ल्या वेळार खावन जेवन गम्मतां मार्तात?” सुधाकरन तीनी बशियो पांयांनी चिल्लिल्यो अनीं निसत्याचें कुंडलें काडन अंगणाक उडयलें. उपरांत थंयच लकोन पर्तालो. तो अनीं सकाळीं परयांत उटचो नां म्हण खचीत कर्न ललिता

सवकास उटलें. कोनश्यांत लीपल्लीं कविता अनीं कुसुमां येवन आवयच्या वेंगेंत लिपलीं.

"देवान कश्ट दिल्ल्यांकच कित्याक दिंवचे मांय?" रडकूररया ताळ्यान वोमतें पडल्ल्या बशियेक पळेवन उलयतालें कुसुमा.

"देवाची खुशी पुता" ललिता मोडकेंत उरुल्लो नीस तीन ग्लासांनीं वोतुंक लागलें. कश्टां वयर कश्ट सोसून तें सलवाल्लें. ह्या कराळ जिणियेक अंत्य दिंवचो खठोर निर्दार ताणें केल्लो.

"म्हाका भोगशिया पुता, तुमकां सुखान वाडयजय म्हण कितलीं स्वपणां हांवें देखल्यारी तीं स्वपणां जावनुंच उरलीं. जर तुमकां सूख दीवंक म्हज्यान साद्य नां, तर तुमकां दूक दिंवचो अधिकारय म्हाका नां. साद्य तर अन्येका जल्मांत एका ग्रेसत घराण्यांत जल्म घेया अनीं सुखान जियेया"

मनांतच उलयलें ललिता.

ललितान देवाच्या खुशे विरोद वचोंक चिंतल्लें. ग्लासानीं वोतल्ल्या निसाक वीक भर्शिल्लें ललितान. उमाळोन येंवचे हुसकार दांबून दर्च्या खातीर अपलो पालंव ताणें अपल्या तोंडांत चेपलो.

"दरा पुता, इल्लोसो नीस उरला तोच पियेया" कांपच्या हातांनीं ललितान दोन लोटे कविता अनीं कुसुमाच्या हातीं दिले. ताणीं एकाच घोटान लोटो खाली केलो. अनीं दूसरयाच घडिये तीं दर्णीक शेवटालीं. ललिताच्या दोळ्यांनीं दुकां बरोन ताचे दोळे घयरे जाल्ले. हातीं असल्लो अखरेचो लोटो अपल्या वोंटाक तेंकलो ललितान.

"ऊठ गो, सूरयो मात्यार येवंक जालो अनिकी निदोन पडलांय. कितें कामाक वचोंक नांगी?" पियेल्लें पिर्वाताच उठोन ललिताक दोंकुळ्ळें सुधाकरन. चोवकेंत रित्या दर्णीर आसचो त्यो तीन निर्जीव कुडी म्हण जाणां जावंक ताका चड वेळ लागलो नां.

"कित्याक ललिता तुवें आशें केलेंय? तुमच्य विणें म्हाका ह्या संसारांत दुस्रें कोण आसा? कित्याक म्हाका सांडून गेल्यात? व्हचानाका ललिता पाटीं ये. अनीं मुखार हांव पियेंवचों नां म्हण भास दितां. दयाकर्न म्हाका एक्सूरयाक सांडून व्हचानाकात" हाक बोब मार्न हर्दें बडयतालो सुधाकर. पूण वेळ उतरल्लो.

*** ००० ***

# पयशां खातीर!!!

“बिर्मत कितें जायत त्या आवय–बापायच्या काळजाक एकच चेर्को आसल्लो” निर्जीव कुडिची तपशील कर्न आसल्ल्या ड़ाॅ अश्विनाच्या कानाक जम ल्ल्या लोकाच्या जम्या थावन थोडीं उत्रां आयकातालीं. निजायकी काळीज कडंवचें द्रश्य तें जावनासल्लें. धा वर्सांचो नेंटो गोडवीन काबराल निर्जीव जावन पडोन आसल्लो. ताची आवय हाक बोब मार्न रडताली. ताचो बापूय अपल्या काळजाचेर फातर दवर्न अपल्या बायलेक समधान कर्तालो. ह्या परिस्थितेंत अपणें कितेंय सवालां विचार्चीं सार्कीं न्हय म्हण चिंतून निर्जीव कुडीक पोसट मार्टमाक दाडन मेटां देवलो ड़ाॅ अश्वीन.

दूसरया दिसा मोर्न मात्येक पावन घरा येताना घर्च्या आंगणांत पोलीस जीप पळेवन एकेकलेच थंयचे निस्राले.

"पळे मी। काबराल, तुमकां डिसटरब कर्चो अमचो द्येय न्हय, तरी पूण अमीं अमचें कर्तव्य करुंक आस ल्ल्यान परत तुमच्या घर्चीं मेटां चडजे पडलीं.

ऐ याम वेरी वेरी सोरी फार डिसटरबिंग यू. कितें घडलें म्हण अमकां तिक्के विवर्सून सांगशातगी?" शीदा उलयलो ई। अश्वीन.

"इन्सपेकटर, गोडवीन म्हजो एकलोच पूत. चोवतेंत शिक्तालो. ताचें इसकाल इल्लें वेग्गीं सुटता जाल्ल्यान अनीं अमीं कामा थावन घरा येताना इल्लो वेळ जाता जाल्ल्यान घर्ची चावी अमीं सेजारा दवर्न वेतांव. तो इसकाला थावन येवन, चावी हाडन, दार काडन, प्लासकांत रेडी आसल्ली चा पियेवन उपरांत परत दाराक खीळ शिर्कावन खेळोंक वेतालो. उपरांत ताणें येंवचें सांजेर साडे स वरार. लवीना साडे पांच वराशें कामा थावन येता अनीं रांदपाची तयाराय सुरू कर्ता. हांवें कामा थावन घरा येताना थोडे पावटीं वरां आट उतार्तालीं. काल कामा थावन येवन वसतूर बदलुंक म्हण बेड रूमाक वेताना चेडो खाटीर पडला. ताका कांय हुशार नां आसतालें म्हण लागीं वचोन ताचा कपालार हात दवर्ताना चेडो थंड ऐसा बरीं जाला. म्हज्या बोबेक कुजनांत आसल्लें लवीना दांवोन आयलें अनीं उपरांत हांवें दाक्तेराक तशेंच तुमकां फोन केलें.

विकटरान सगळें असा तशेंच सांगलें. "हांवें मिसेस लवीना काबराला कडे थोडें उलव्येत गी?" ई। अश्विनान विनंती केली.

"हांव ताका समाधान कर्न ताका निदावन आयलां तें जागें आसल्यार तुमीं ताच्या कडे उलयेत, पूण प्लीज ताका चड डिसटरब करिनाकात ताचें रडणें विळाप म्हज्यान पळेवंक जायना." विकटर बेजारायेन उलयतालो.

"जायत" म्हळ्ळ्या बरीं तकली हालवन बेड्डु रूमा कुशीन चमकालो ई। अश्वीन. विकटरान ताचो पाटलाव केलो. लवीनान हुसकार्चें पळेवन तें निदोंक ना म्हण चिंतून ई। अश्वीन ताचे सर्शीन गेलो.

"मिसेस लवीना काबराल" हळतान आपयलें ई। अश्विनान.

तितल्यार लवीनान हळतार तकली उकल्ली. तिचे दोळे तांबडे जाल्ले, मुखमळ सूजल्लें. "मिसेस काबराल, हांव तुजो चड वेळ घेना. एकच सवाल.

"तूं कामा थावन घरा येताना गोडवीन घराच आसल्लोगी?"

"नां इन्सपेकटर, हांव घरा येताना हर्शेंचे बरीं वरां साडे पांच जाल्लीं. हर्शेंचे बरीं दाराक खीळ शिर्कायिल्ली. सदांय तो इसकाला थावन येवन खेळोंक वेतालो

अनीं कालय खेळोंक गेलासतालो म्हण चिंतून हांव कुजनांत रांदपात मेतेर जालीं. उपरांत आट वरार हो आयलो अनीं...." लवीनान परत रडोंक सुरू केलें.

"समधान घे मिसेस काबराल. हांव जाणां एका बुर्ग्याक होगडावन तुमकां कितलें दूक भोग्तासतालें म्हण. पूण धा वर्सांचो बुर्गो खंच्या काराणाक लागोन जीवघात कर्तालो? म्हाका दिसता ताणें जीवघात करुंक्ना बगार ताका वीक भरयलां." ई। अश्वीन उलयीत वेतालो.

"वाट नान सेन्स इन्सपेकटर!? वीक भरवंक म्हजो पूत कोणाचोय दुस्मान न्हय" विकटराक मात्सो राग आयलो.

"पळे मी। काबराल, वीक भरवंक या जिवेशीं मारुंक कोणाचोय दुस्मानच जायजय म्हण नां. थोडे पावटीं आवय बापायची शिक्षा भुर्ग्यांनीं भोगिजय पडता."

"तुमगेर फुलां झडांक मार्चें वकत आसागी?" लवीना अनीं विकटर मौन आसल्लीं.

"अमगेर फुलां झडांच नातल्यार वकात कंय थावन येतालें" विकटराचो राग निवोंक नातल्लो.

"अनीं निदेच्यो गुळियो?" ई। अश्विनान विकटराच्या मुखमळा वयली दीश्ट बदलिली नां. " सगळो दीस काम केल्ल्यान अमकां दोगांयकी बरी नीद येता?" विकटर रागानच उलयतालो.

" तर गोडविनाक पुलां झडांक मार्चें वकात अनीं निदेच्यो गुळियो कंय मेळ्ळ्यो?"

"हें तूं कितें उलयताय इन्सपेकटर?" इन्स पेकटराच्या उत्रांचो मतलब विकटराक समजलो नां.

"वय मी। काबराल, तुज्या पुताक निदेच्या गुळियो अनीं फुलां झडांचे वकत चायेंत भर्सून भरयलां." ई। अश्वीन लवीनाचें अनीं विकटराचें मुखमळच चोयतालो. अपल्या हातंतलो पोसट मार्टम रिपोर्ट विकटराच्या हाताक हसतांतर केलो इन्स पेकटरान.

"नां हें खंडीत साद्य नां" लवीना नीट बसलें.

"चा तुवेंच फ्लासकांत घालन दवर्ची मू?" ई। अश्वीन लवीना सर्शीन पावलो.

"वय इन्सपेकटर, दनपारां जेवणाक आयिल्ल्या वेळार चा कर्न फ्लासकांत घालन दवर्न पर्त्यान कामाक वेतां. तांतू वीक बर्सोंक खंडीत साद्य नां."

लवीना देदेस्पार जाल्लें. "तर तुका कोणा वयर पुणी दुबाव आसागी?"

"नां इन्सपेकटर" विकटराच्या हातांतलो रिपोर्ट वोडन घेतलो लवीनान.

"जायत तर गर्ज पडल्यार हांव परत येतालों" ई। अश्वीन वचोंक घुंवलो.

"इन्सपेकटर" लवीनाच्या ताळ्याक इन्सपेकटर पाटीं घुंवलो.

"इन्सपेकटर, अमच्या सेजारा फुलां झडां असात अनीं तांगेर एक मातारीय आसा. तिका सुमार तेंप थावन हुशार नां. बहुश्या ती निदेच्यो गुळियो घेतासतली." लवीना हळतार उलयलें.

"थंयच तुमीं चावी दवर्चिगी?"

"वय" लवीनान तकली हालयली.

"बरें" ई। अश्वीन तकली हालवन चल्लो.

"डिकोसता, चल अमीं तांगेर वचोन येव्यां" अपल्या सांगात्याक घेवन सेजार्चा घर्चीं मेटां चडलो ई। अश्वीन.

***

"देव बरो दीस दींव तुमकां. अमीं बितर येव्येतगी?"

"ये..ये..या इन्स..पेकटर ब.. ब..सा." मुखली बसका दाकवन जेस्सी बाय थंयच बसली.

"अमीं हांगा गोडविनाच्या तनकेक आयल्यांव मिसेस जेस्सी गोम्स"

"व.. वयगी? पूण ताणें जीवघात केला म्हण आयकालें इन्सपेकटर"

"नां मिसेस गोम्स ताका वीक बरयलां"

"कितें!!!!"

"वय" उलयता उलयताना ई। अश्विनाची दीश्ट हेणें तेणें सास्पताली.

"तें कसलें जेस्सी गोम्स" ई। अश्विनान बोट जोकलें.

"हो, तेंगी? तें फुलां झडांच्या वक्ताचो खाली लकाटो." जेस्सीन तो काडन इन्स पेकटराच्या हातीं हाडन दिलो.

"पेरडोन" ताचें नांव वाचलें इन्स पेकटरान.

"हो खाली लकाटो उडयनासतां हांगा पाक्यार कित्या खोववन दवरला जेस्सी गोम्स?"

"तें..तें.. गेलेत्या हफ्त्यांत फुलां झडांक वकत मार्न खाली लकाटो माडा मुळा उडयिल्लो, थंय वास्राक बांद ल्लें, तो लकाटो खावन तेदाळाच तें वास्रूं मेलें इन्सपेकटर" जेस्सीन खाली लकाटो वर्न पाटीं पाक्याक खोवयलो.

"जर खाली लकाटो कोणाचोय जीव काडुंक सक्ता तर ताच्या बितर आसल्लें वकत कितलें कठीण आसोंक पुरो न्हयगी डिकोसता?" लागिंच आसल्ल्या वाश बेसिनांत हात दुताना अपल्या सांगात्याक सवाल केलें ई।अश्विनान.

“बरें तर मिसेस गोम्स देवान बरें म्हळ्यार अमची भेट परत जाताली” मेटां देंवलो ई।अश्वीन डिकोसताक घेवन.

“जा...जायत इन्सपेकटर.” लांब श्वास सेवलो जेस्सी बायेन.

“अन्येक विशय, तूं मसत भियेल्ले बरीं दिसता, कित्याक जेस्सी गोम्स?” अंगणांत उबे रावोन कितेंगी चिंतून पाटीं घुंवलो ई। अश्वीन.

“कां..कां..य नां इन्सपेकटर, हाच्या आदीं अमगेर तनकी करुंक कोणी पोलीस येवनांत. दे..देकून इल्ली कावजेणी भोगली.”

ई।अश्वीन अनीं डिकोसता हासोन्ंच अपल्या जीपा तेवशीं चमकाले.

“तुका कितें भोग्ता डिकोसता?” जीप स्टार्ट कर्ताना उलयलो ई। अश्वीन. “सर, म्हाका दिसता हांच्या कडे आसच्या चावियेचो उप्योग कर्न तांगेर कांय चोरुंक गेल्ल्या वेळार चेक्र्यान पळेयिल्ल्याक ताका वीक भरवन जिवेशीं मारलासतलें म्हण म्हाका भोग्ता सर” डिकोसता शीदा उलयलो.

“जावंक पुरो डिकोसता, पूण खुनिगारान कितेंच क्लू सोडुंक नां. बारीच हुशार्गाय वापरल्या. एनी वे केस म्हज्या हातांत आसा म्हणताना खुनिगार कितलो हुशार आसल्यारी शिर्कोन पडतलोच.” उलयतां उलयतां स्टेशन आयलें. डिकोसताक स्टेशनांत सोडन परत जीप स्टार्ट केलें ई। अश्विनान.

***

“डिकोसता, देर ईस ए गूड निवस फार यू.”

संतोसाच्या कदामानीं डिकोसटाच्या क्याबिनाक रिगलो ई। अश्वीन.

“कितें सर खुनिगार मेळ्ळोगी?” उटोन उबे रावलो डिकोसता.

“वय डिकोसता, हांवें सांगल्ले पर्माणें हांवें खुनिगाराक दरलें”

“रियली!! कोण तो सर. आतुराय दाकयली डिकोसतान.

“वेगिंच तुका कळतेलें, चल म्हजे सांगाता” ई। अश्वीन डिकोसताक घेवन जीपार चडलो.

“गूड मोर्निंग मी। एंड मिसेस काबराल. हांवें सांग ल्ल्या बरीं खुनिगाराक दरला.” घरा बितर रीगल्लेंच उलवंक सुरू केलें ई।अश्विनान. अंगणांत पोलीस जीप पळेवन तेणें हेणेंचो थोडो लोक आंगणांत जम्लो. बितर वेचें दैर नासताना आंगणा थावन्ंच तीळुंक लागलो.

“रियली!! यू ह्याव डन अ ग्रेट जाब ई। अश्वीन. तो कोण म्हण सांग हांव अतांच ताका जिवेशीं मार्ता” विकटराच्यो मुटी अंर्दाल्यो.

“फार युवर कैंड इनफार्मेशन मी। काबराल “तो” न्हय “ती”.” इन्स पेकटरान तिद्विलें. “व्हाट???” विकटर उडोन पडलो.

“खुनिगार कितलो हुशार असल्यारी एक नां एक दीस कानुनाच्या दिश्टीक शिर्कताच न्हयगी मिसेस जेस्सी गोम्स” लवीनाक भुजवन आसल्ल्या जेस्सिलागीं मेटां काडलीं ई। अश्विनान.

“तुमीं कितें उलयतात म्हाका कितेंच समजाना?” जेस्सिच्या कपालार मिरियो पडल्यो.

“हांव समजयतां त्या नेंव्या धा वर्साच्या बुर्ग्याक फुलां झडांचे वकत अनीं निदेच्यो गुळियो तुमगेर मात्र मेळोंक साद्य न्हयगी मिसेस गोम्स?”

“इन्सपेकटर तर गोडविनाक हांवें जिवेशीं मारलां म्हणचेंगी तुमीं? हाका तुमचे कडे साक्स आसागी?” जेस्सीक राग आयलो.

“हांव खुनिगाराक दरुंक वेताना साक्षी समेत वेतां मिसेस जेस्सी गोम्स.”

इन्सपेकटर हासलो. “तर म्हज्या पुताक हिणें जिवेशीं मारलांगी? हांव तिका खंडीत जीवंत दवरिशीं नां.” लवीनाचे दोनी हात जेस्सिच्या गळ्याक अंर्दाले.

“हांवें तशें सांगोंक्ना मिसेस लवीना काबराल” इन्सपेकटर समधानेन उलयतालो.

“तर खुनिगार कोण इन्सपेकटर?” चडपडलें लवीना.

“तेंय हांवेंच सांगिजयगी?”

“इन्सपेकटर, वोपारिनीं उलवन पयलेंच नास जाल्लें समादान पुर्तें नास करुंक आयलायगी?” रागान उलयलो विकटर.

“समधान घे मी। विकटर काबराल. ह्या घर्चें समधान मात्र न्हय, हें घर सासणाक काळोकाचें बिडार केल्ल्या खुनिगाराक हांव दरुंक आयलां.” लोकाच्या जम्या मदें गुजगुजो आरंभ जालो.

“मन ग ` कर मी। काबराल हांव अतां तुज्या पुताच्या खुनिगाराचें नांव सांग्ता.” जमल्लो लोक सगळो एकाचफाणें थंड जालो. एक सासंव पडल्यारी अवाज जांवच्या तितलें मौन थंयसर सादलें.

“फुलां झडांचें वकत अनीं निदेच्यो गुळ्यो जेस्सी गोम्सागेर मेळतात म्हण तुवें सांगलेंय, ह्यो दोन वसतू अंगडिंतय मेळतात न्हयगी मिसेस लवीना काबराल?” इन्सपेकटर लवीनाचे बोंवाडे काडुंक लागलो. “व्हाट डू यू मीन इन्सपेकटर?” लवीना मातशें रागार जालें.

“ऐ मीन व्हाट ऐ से मिसेस काबराल. हांव साक्षे समेत अयलां इनकार करुंक तुका जांवचें नां. कमोन स्पीक अप” इन्सपेकटर गरजलो.

“इन्सपेकटर, एक आवय अपणें जल्म दिल्ल्या बुग्र्याकच जिवेशीं मारीतगी? तशें कर्चें जाल्यार गरबांतच ताची खुनी कऱ्येती न्हयगी?” लवीना रडलेंच.

“तेंच म्हाका समजानां. एक आवयच आपल्या पुताक जिवेशीं मारीत तर ह्या संसाराचें अंत्य आयलें म्हण चिंत्ता. पूण तुवें अनीं नाटक कर्चें बरीं नां. देकून चूक वळकोन घेतल्यार तुकाच बरें. इल्लिशी शिक्ष्या तरी उणीं जातेली.”

एदोळ परयांत अंगणांत थावन तिळचीं सगळीं अतां बितर घुसलीं. “वय इन्सपेकटर हांवेंच ताका जिवेशीं मारलें.” लवीनान तकली पंदा घाली. विकटर मौन असलो. जमल्लीं सर्वां थंड जाल्लीं. लवीनान्‌च मुंदरिलें.

“म्हजें इश्टीण एक ग्रेसत घराण्यांतलें. कितेंगी चडुणें जावन तें आवय जालें. तें अंकवार आसल्ल्यान ताच्या आवय बापायन ताचो गरब काडंवचें प्रयतन केलें. पूण हें मात्र अपूण ह्या भुग्र्याक जल्म दितलिंच उपरांत तुमीं कितेंय करा म्हण हठाक पडलें. अमकां बुर्गीं नातल्ल्यान हांव त्या बुग्र्याक पोसकीं करुंक ओपलीं. ताणें बुग्र्याक म्हज्या हातांत दिलें उपरांत काजार जावन गलफाक उबलें. बुरगें वड जाल्या उपरांत हांव कांय वांट्याक झगडें कर्तां म्हण ताणें बुग्र्याच्या नांवार एक करोड रुपियांचे इन्सूर केल्लें. हांवें त्या बुग्र्याक बररयान वाडयलें म्हज्या मतिंत कितेंच वायट चिंतप येवंक नां. थोड्या दीसांदी विकटराक बिजनेसांत लाखानीं नश्ट जालो. अनीं कितले कश्ट काडन काम केल्यारी मेळच्या भिकेच्या सांबाळाक हांव कांठाळ्ळीं. अनीं एकच पावटीं ग्रेसत जावंक चिंतलें.” लवीनान दर्णीक लायिल्ली दीश्ट बदलिली नां. कोणायचीय दीश्ट फूड कर्च्या स्थितेर तें नातल्लें.

“गूड मिसेस लवीना काबराल तुजी चूक तुवेंच ओळकोन घेतलीय. सत सांगाजय तर म्हाका तुजे वयर दुबाव मात्र आसलो. खुनिगाराक दरुंक एक्की साक्स म्हाका लाबोंक नां. हांव तुमच्या दोगांच्या ओफिसाक विचार करुंक गेल्ल्या वेळार म्हाका कळ्ळें पोर दोनपारां उपरांत तुमीं दोगांयनी कामाक रजा घाल्ली म्हण. देकून एक लान नाटक हांवें खेळाजय पडलो. अनीं ह्या खुनियेंत तूंय समासम पात्र दारी म्हळ्ळें हांव जाणां मी। विकटर काबराल. यू बोत आर अंडर अरेसट.” लवीनाक अनीं विकटराक खडो शिर्कावन ई। अश्वीन जयताचो हासो हासलो.

*** ००० ***

# बाड्याची आवय

"वीरा, तुज्याकडे गर्जेचें थोडें उलवंक आसा, म्हज्या क्याबिनाक ये". डा। अश्वीन अपल्या क्याबिना कुशीन चमकालो. वीरा कितेंच जाप काडिनासताना ताच्या बराबर मेटां काडिलागलें.

"बस". मुकली बसका दाकयली डा। अश्विनान.

"मिस्स वीरा तुज्या आवयक वांचवंक तिका तुर्तान ओपन हार्ट ओपरेशन करिजे पडतेलें. ह्या ओपरेशनाक "मैट्रल व्यालव रिपलेस्मेंट" म्हणतात. ह्या ओपरेशनाक सरी सुमार पांच लाख रुपय खर्च आसा. जाता तितल्या वेगीं तूं पयश्यांची विलेवारी कर्शी तर, हांव तुज्या आवयक वांचवंक सक्तलों. तुजो निर्दार म्हाका वेगिंच कळय. बरें तर अनीं तुवें वच्येत". डा। अश्वीन वीराच्या मुखमळाचे मिरियो मेजुंक लागलो.

"जायत डाकटर". वीरा अपलीं बारादीक कदमां घालन क्याबिना थावन बायर आयलें.

"कितें जालें पुता? दात्तेरान कित्याक आपयिल्लें?" खंतीश्ट जाल्ल्या तेरेज बायेच्या तोंडा थावन अवचीत उसाळल्ल्या सवालाक वीरा सैर बैर जालें. "का...कांय नां मांय, अनिकी थोडे दीस हांगाच आस्पत्रेंत रावजय पडतेलें. संपूर्ण गूण जायनासताना घरा वचोंक न्हजो म्हणालो". कश्टानीं उत्रां आरायलीं वीरान.

"मांय, सिस्टरीन दिल्लीं वक्तां घेतलिंय मू? तर अतां निदे. तुका विरामाची आदीक गर्ज आसा कंय". पांया मुळांत आसल्ली वोल काडन तेरेज बायेच्या आंगार पांगुरली वीरान.

आवयच्या खाटी लागीं बसोन तकली खाटीक तेंकून चिंतुंक लागलें वीरा. पूण बावडें कंय थावन हाडतेलें पांच लाख रुपय. बापय, भयण, भाव हांची सावळी वीरान देखोंक नातल्ली. अतां आपल्या मात्यार असचें आवय म्हळ्ळें पाकेंय हांव उरवंक सकचीं नांगी? तर कोणा खातीर हांवें वांचोन उरजय? दोळ्यानीं सराग वाळची झर तें थांबवंक सकलें नां. हळतार ताणें तकली उकल्ली. आवय ताची निदेंत आसल्ली. आवयचें म्हणध मुखमळ पळेवन परत ताणें दोळे दांपले. वीराक एकेक घड्यो पाशार कर्चें त्रासाचें जाल्लें. देगेच्या खाटीर आसल्ल्या व्यक्तिचेर ताची दीश्ट गेली. तो बावडो हातीं बूक घेवन दिसा-उज्वाडाक नेकेत्रां मेजतालो. "तुजें वाचून जाल्यार तो बूक म्हाका दिशिगी?" दीन पणीं विचारलें वीरान.

"दर वाच" क्रतक पणीं बूक वीरा तेवशीं ओड्डायलो त्या व्यक्तीन. थांबल्लो वेळ पाशार करुंक वीरान बुकाचीं पानां घुंवडायलीं. दीश्ट ताची घुंवच्या पानांनी आसल्यारी मत मात्र नांनांत्या चिंत्नांनी रेवडाल्ली. अचानक एका कोलमाचेर ताची दीश्ट थांबली. "वांटेड सरोगेट मदर" इछछापत्र दसकत केल्ल्यांक पांच लाख रुपय बासायिल्ले.

"पांच लाख रुपय" अपलेसतकीं घुणगुणलें वीरा. तक्षण्ंच अपल्या पर्सांतली डैरी उग्तावन त्या बुकांतलो एड्रेस्स ताणें डैरेंत गिच्चिलो. बूक त्या व्यक्तीक पाटीं दीवन डैरी पर्सांत लिपयली वीरान.

"मांयक जाग जाल्ल्यार सांग हांव गर्जेच्या कामान बायर गेल्ल्यां, वेगिंच पाटीं येतां म्हण प्लीज". देगेच्या खाटीर असल्ल्या व्यक्ती लागीं सांगोन ताच्या जापीक राकानासतां वार्डा थावन बायर पडलें वीरा.

"वीरा, जें तूं करुंक बायर सरलांय तें समांगी? आवय खातीर अपल्याच फुडाराक उजो दीवंक तूं बायर सरलांय हें तुका समा दिसतागी? खंच्या आवय खातीर हें सर्व तूं करुंक बायर सरलांयगी त्याच आवयक आज न्हय तर पाल्यां सोडन तूं वेतेलेंय. चिंतून पळे वीरा तूं एक आंकवार चली. चिंतून मेट काड". वीराचें

अंतसकर्न परत परत वीराक जागयतालें. पूण वीरान द्रड निर्दारान अपलो हात आपवणे–कांपिणे वयर दवरलो. एक हळताची स्त्री बागलार प्रत्यक्ष जाली.

"हो एड्रेस्स तुमचोच मू?" अपली डैरी त्या स्त्रियेे मुखार दरली वीरान.

"वय, वय ये, ये बितर ये" अपरिचीत तरी बारीच मोगाचो येवकार लाबलो वीराक.

"बस पुता, हांव म्हज्या पुताक अनीं सुनेक अपयतां". संतोसान ती बितर धांवली.

"म्हजें नांव विकटर, अनीं हें म्हजें पतीण सुजाना," एक आकर्शक दादलो वीरा सामकार उबो जालो. तांक हात मेळवंक वीरा उटोन उबे रावलें.

"म्हजें नांव वीरा. हांव बाड्याची आवय जावंक तयार आसां". तडव करिनासतां शीदा उलवण्याक बुन्याद घालन विकटराच्या हाताक अपलो हात मेळवन बारीच कश्टांनी अपल्या वोंटार हासो हाडचें व्यर्त प्रयतन करिलागलें वीरा.

"तूं काजरिगी?" गंभीर सवाल विकटराचें.

"हांव एक विधव" मटवी जाप वीराची.

"बाड्याची आवय जांवच्या पाटलो उद्देश कितें?"

"म्हज्या आवयक नवें जिवीत लाबवंक"

"म्हळ्यार?"

"ह्या संसारांत एकच अस्रो जावनासल्या म्हज्या आवयचा हार्टच्या ओपरेशनक म्हाका पांच लाखांची गर्ज आसा".

"बरें तर, अतां हावें सांगचें चीत दीवन आयक तुवें इछचा पत्राक दसकत केल्ल्या दिसा थावन ह्या घरा थावन भायर वेचे बरीं नां. तुकाय हांगासर कोणेंय मेळोंक येंवचे बरीं नां. तुका ह्र्येका थराची सौलता हांगा लाबतेली. पांच लाख तुवें विचारल्ल्या तेदाळा तुवें सांगल्ल्या कडे पावीत जातलो. अमकां एक बुरगें दीवन त्याच घडिये तुवें हें घर सोडन व्हचाजय. उपरांत तुका अनीं अमकां, अनीं तुवें अमकां दिल्ल्या बाळाक कितेंच संभंद असचो नां. हीं सक्कड शर्ता तुका पसंद जाल्यार, तूं अमकां पसंद जालांय, तुवें वेग्गिंच्या वेग्गीं येवन इछचा पत्राक दसकत कर्‍येत." विकटर गंभीर असल्यारी मोवाळायेन उलयलो.

"जायत बरें तर, हांव म्हज्या आवयची जवाब्दारी कोणाक पुणी संपून वेगिंच पाटीं येतालीं." वीरा मेटां देंवलें. ताच्च्या मुखमळार संतोस पर्जळतालो.

"तुका पिशें पुणी लागोंक नामू वीरा?" अन्सिल्लाक वीराचो राग आयलो.

"तुका म्हज्या आवयची जवाब्दारी काणघेवंक कश्ट भोग्तात तर सांग, हांव कितें पुणी दुस्री विलेवारी कर्तां." अन्सिल्लाच उत्रांचो दुस्रोच मतलब काडिलागलें वीरा.

"तूं म्हाका चूक समजलांय वीरा, तुज्या आवयक सांबाळचें कांय वडलें काम न्हय. सुकोन वेच्या झडाक उदकाची झर लाबल्ल्या बरीं अनाथ जाल्ल्या म्हाका सर्वस्व लाबतेलें. पूण तुजें जिवीत विबाडचें म्हाका पळेवंक जांवचें नां. तूं एक अंकवार चली वीरा, आज न्हय तर पाल्यां तुवें आवयचो पालंव सोडन तुज्या नोवरयाचो हात दरुंक असतालो. तवळ हें कठोर सत तुज्या नोवरया थावन कशें लिपयतेलेंय? सत संसाराक कळताना तूं असाहायक जावन धर्णीक शेवटतलेंय अनीं तवळ कोण जाणां तुका आधार दीवंक तुजी आवय थंय असतालिगी नां म्हळ्ळें. हांवें तुका समजंवचें समजयलें निर्दार तुज्या हातांत असा." अन्सिल्ला वीराक मोगान समजयलागलें.

"नां अन्सिल्ला, म्हजो निर्दार कोणा वर्वीं बदलुंक जांवचो नां. तूं म्हजें लानपणाचें सांगातीण देकून मोज्या आवयची जवाब्दारी तुका ओप्सून दीवंक आयल्यां. म्हज्या पुडाराची म्हाका खंत नां. हांव फाल्यांच थंय वेतेलीं. उपरांत तुका पयशे दाडतेलीं. त्या घरा बितर रिगल्या उपरांत बायल्या संसाराचो संपर्क म्हाका असचो नां. या कोणेंय म्हाका संपर्क कर्च्या बरिंय नां. हांव वर्सा उपरांत शीदा पाटीं तुज्या लागिंच येतालीं. मांय कडे हांव कामाक बोंबय वेतां म्हण सांग्तां. म्हज्या आवयक अपल्या आवय बरीं चत्रायेन सांबाळतेलेंय म्हळ्ळो भर्वसो म्हाका असा. बरें तर हांव चल्तां अन्सिल्ला. तुका मसत देव बरें करूं." उलयतां उलयतां वीराचो ताळो गदगदलो. आन्सिल्ला थावन दुकां लिपवंक वीरा सरारां कदमां घालन चल्तच रावलें. अन्सिल्ला राव ल्ल्या कडेच कुसकालें.

***

"कंय गेल्लेंय पुता, तूं एक घडीय म्हज्या सामकार नातल्यार म्हाका कावजेणी भोग्ता" तेरेज बाय दुवेक पळेल्लेंच उटोन बसली.

"मांय अनीं हें तुवें सवायेर घालिजय पडतेलें, कित्याक म्हळयार म्हाका बोंबय एक बरें काम मेळ्ळां हांवें फाल्यांच व्हचाजय पडतेलें". अवयक हाडल्लें जेवाण बोश्येंत घाल्ताना अवयचें मुखमळ पळेवंक दैर पावनासतां उत्रां विंचतालें वीरा.

"पुता वीरा, येदोळ परयांत दिस्पडतो ग्रास दीवन देवान अमकां राकलां तशेंच अनिकी राक्तालो. म्हाका ह्या स्थितेर सोडन कशें पुता तुका बोंबय वचोंक मन येतालें?" तेरेज बायेचे दोळे बिजले.

"मांय, दाक्तेरान म्हाका सांगलें तुका एक लान ओपरेशनाची गरज असा म्हण. देकून थोड्या पयश्यांची गरज असा म्हणालो. मांय तूं कांय भियेनाका, म्हज्या जाग्यार अन्सिल्ला तुका बररयान सांभाळतेलें. तुज्या ओपरेशनाचे पयशे एकटांय केल्लेंच तुज्या लागीं हांव पाटीं येतां उपरांत तुका सोडन खंय वेचीं नां" उमाळोन येंवचीं दुकां दांबून दर्न उलयलें वीरा.

"पुता वीरा, हांव एक पिकी खोली पुता, फाल्यां नां तर पोर्वं झडतालीं. म्हजे खातीर तूं कित्याक इतले कश्ट काडताय? ओपरेशन नासताना म्हजें आवक असता परयांत हांव वांचतेलीं. म्हाका कितलें आवक देवान दिलां ताच्याकी वर्तें आवक अपल्या ओपरेशना द्वारीं तो दाक्तेर दीवंक सकचो नां. देकून पुता हांवें सांगचें आयक अनीं म्हाका घर आपवन वर." तेरेज बाय हातांत बोशी घेवन शीत चिड्डिताली. "नां मांय तुका ह्या स्थितेर पळेवंक म्हाका जायना. हांव वेगिंच पाटीं येतालीं." वीरान अपल्या आवय सर्शीं खाटीर कुलो तेंकलो.

"जायत पुता, तुज्या खुशे पर्माणेंच जांव" दीर्घ श्वासा सवें अपल्या हातांतली उंडी हळतार तोंडांत उडयली तेरेज बायेन.

अवयचें जेवाण जाल्लेंच बोशी दुवन अपलेंय जेवाण मुगदिलें वीरान. वीरान दिल्लीं वक्तां घेवन हळतार उश्याक मातें तेंकलें तेरेज बायेन. अपलें मुखमळ वीरा थावन लिपवन अपलेस्थकीं रडताली ती.

वीरा दिवो बंद कर्न जनेलांतल्यान दिसच्या आकासाक अनीं झिळमिळच्या तारांक पळेंवच्यार पडलें. कितेंय जांव चिंत ल्लें काम सगळें सलिसायेन जालें, अन्सिल्लाकी समजयलें, आवयकी फटयलें. अयच्या रातीं उपरांत एका वर्सा उपरांत हांवें म्हज्या आवयक पळेंवचें तिका हांव मोरोंक सोडची नां. मन ताचें इल्लें हाळू जाल्याबरीं ताका बोगलें. आराम कदेलार बसोन आसल्ल्या कडेच ताणें दोळे दांपून निद्रा देवीक वेंगुंक तें आयतें जालें.

***

दीस ऊबल्ल्या बरिंच विकटाराचें बाळ वीराच्या गरबांत वाडोंक सुरू जालें. त्या घरांत ताणें देखानातल्लें खाण, पळेयनातलें जिवीत, चिंतिनातल्लो मोग ताका मेळ्ळो. ताका हऱ्येक घड्ये आवयचीं चिंता दोसुंक लागलीं पूण आवय विश्यांत

कोणाय कडेन खबर काडच्या स्थितेर तें नातल्लें. नोव महिने जावंक तें राकोन रावलें. दीस दांवले, हफ??ते सरले अनीं थोड्याच दीसांच सुखाळ जिवितांतले महिनेय उबोन गेले. भोव कश्टांनी तो नोवो महिनोय पाशार जालो. विकटर अनीं सुजाना तांच्या फ??डाराच्या दिव्याक राकोन रावलीं. अनीं आज वीराच्या जिवितान एक नवी घुंवडी अपणायिल्ली. अदृश्टगी या दुरादृश्टगी त्या एका भागी दिसा वीरा जोवळ्या चेर्क्या बुर्ग्यांची आवय जालें. बुर्ग्याक देखल्लेंच विकटर वीराक विस्रालो. एका बुर्ग्याक हातीं घेवन थोडे पयशे वीराच्या हातांत चेपून ताणें वीराक वचोंक हिशारो दिलो. वीरा कालुबुलें जालें.

“हें कितें विकटर, हीं दोगां बुर्गिंय तुजिंच तुंच सांबाळ. अनीं तुवें सांगल्ल्या पर्माणें पांच लाख रुपय तुवें म्हाका येदोळच दिल्याय, हे चडतीक पयशेय म्हाका नाकात. हांव चल्तां. ”वीरा वचोंक अम्सरलें.

“वीरा अमच्या इछचा पत्रा पर्माणें अमकां एकच बुरगें पुरो म्हण अमीं तुका सांगल्लें. तुकाय बुर्गीं नांत नैंगी, हें दुस्रें बुरगें तुकाच आसोंदी. जाय तर थोडे पयशे चडतीक वर पूण आमकां एकच बुरगें पुरो”. वीरान कितलो आडदोस मागल्यारी घरांतलीं हेरां अनीं विकटर आयकालोनां. अपली नीज काणीं वीरा तांका सांगोंक भिंयेलें. नीज गजाल आयकाल्या उपरांत दोनी बुर्ग्यांक वर अनीं अमचे पयशे पाटीं दी म्हण सांगल्यार कितें कर्चें. दुस्री वाट नासताना पात्काचें प्रायश्चीत म्हण चिंतून पाळण्यांत आसल्ल्या बुर्ग्याक उकलन, वेंगून उम्यांचो शिंवोर ताचेर वोतून परत ताका पाळण्यांत निदावन देगेन आसल्ल्या बुर्ग्याक घेवन अन्सिल्लाच्या घर्चीं वाट गुड्डायली वीरान. नांनांती चिंत्ला ताच्या मतिंत घुंवतालीं. हांव घडल्ली गजाल सगळी मांयक विवर्सून सांग्तेलीं ती खंडीत म्हाका बोगसून म्हज्या बुर्ग्याक आपणायतेली.

***

“अन्सिल्ला, मांय कंय आसा? तिचें ओपरेशन जालेंगी? ती अतां कशी आसा? म्हजो उडास काडतागी? अतां ती कंय गेल्ल्या?” अन्सिल्लाक पळयिल्लेंच सवालांचो शिंवोर वोतलो वीरान. “हें बुरगें कोणाचें वीरा? ताणीं तुज्या बुर्ग्याक स्विकार करुंक नांगी?” वीराच्या सवालांक जापी दिंवच्या बदलाक सवालां उडयलीं अन्सिल्लान.

"पयलें म्हज्या सवालांक जापी दी. उपरांत हांव सगळें सोडवन सांग्तां" वीराक अन्सिल्लाचो मात्सो राग आयलो.

"वी....वी....रा, म्हाका भोगशी." अन्सिल्लाचो ताळो गदगदलो.

" अन्सिल्ला मांय कंय असा?" वीरा अम्सरलें.

"वीरा, कोणा खातीर तुवें इतलें केलेंयगी तीच तुका सांडून गेली. ओपन हार्ट ओपरेशन फ??ल जालें वीरा. ओपरेशन टेबलाचेरच तिणें प्राण केलो कंय. हांव तुका दिल्ली भास उरवंक सकल्ना वीरा. हांव तुज्या आवयक वांचवंक सकल्ना. म्हाका भोगशी." उमाळोन येंवचे दूक दांबून दर्न एकाच उन्नान उलयलें अन्सिल्ला. वीरा मोनें जाल्लें. ताचे वोंट हाल्लेनांत. तें उटोन चल्तच रावलें. एदोळ तें आवय खातीर जियेलें अनीं ताणें अपल्या बुर्ग्या खातीर जियेंवचो निर्दार केल्लो.

***

बुर्ग्याचें रडणें आयकोन चिंन्ला सागोरांतलें वासतवाक पाटीं आयलें वीरा. ताणें चिंत ल्लें एक जाल्लें दुस्रेंच. अंकवार आवय जावन समाजेच्या दिश्टीक तोपल्यारी दैरादीक चली जावन समाजेक फूड कर्न, कठोर सतां अपणा बितर जिरवन अपणाचोच एक फुडार रूपीत केल्लो वीरान.

"विकटर बरबोज" टी.वी चेर नांव आयकल्लेंच वीराचे कान नीट जाले. मुकलें द्रश्य तें पळेवंक सकलें नां. "विकटर हाचें सगळें कुटाम अवघडांत अंतरलां. अनीं विकटर सिटी आस्पत्रेंत गंभीर स्थितेर आसा. वळक आस ल्ल्यानीं तुर्तान संपर्क करिजय म्हण विनंती." वीराक कितें कर्चें समजोंक्ना.

"तुकाय अमकांय कसलोच संभध आसचो नां" विकटराचीं उत्रां परत परत ताच्या कानाक आपटालीं. "नां वीरा, तुवें अशें कर्चें समा न्हय. ह्या संसारांत ताचीं म्हळ्ळीं कोणी नांत. ताका तुजी ह्या घड्ये अदीक गरज असा." वीराचें काळीज वीराक समजयतालें. सेजार्चा आंटिगेर बुर्ग्याक दवर्न तुर्तान तें सिटी अस्पत्रेक पावलें. विकटराची परिस्थिती पळेवन वीराक दूक उमाळोन आयलें. "मेडाम ताका अनिकी मत येवंक नां. ताका मत येता परयांत कितेंच सांगोंक जायना. तुमीं ताच्या

कडे उलवंक प्रयत्न करा मेडाम. तशें पुणी तो दोळे उग्ते कर्तागी पळेव्यां'' सी। जेसिंता बेजारायेन उलवन चल्तच रावली.

विकटराच्या तकलेक ब्यांडेज रेवडायिल्ली. आंगार किंडेल्ले रगात अजून तशेंच आसल्लें. वीरान हळतार अपलो हात विकटराच्या कपालाचेर दवरलो. दोळे ताचे बंद आस ल्ल्यान अपल्या काळजांतलीं सिंतिमेंतां उचारुंक ताका दैर आयलें.

''विकटर, हांव नेणां ह्या संसारांत तुका अनीं कितल्यो घडियो उरल्यात म्हळ्ळें, पूण तूं अमकां आदेवस मागच्या पयलें हांव तुज्या कडे म्हज्या पात्कांचें कुम्सार जावंक आशेतां. विकटर, हांव विधव म्हण तुज्या कडे फटी मारले. जर हांव अंकवार म्हण सांगल्यार म्हाका तूं नेगार कर्तलोय म्हळ्ळ्या एकाच कारणा खातीर. म्हाका पयश्यांची अधीक गरज आसली. म्हज्या आवयच्या काळजाच्या ओपरेशन खातीर. सत सांगजय तर कंच्या घड्ये तूं म्हज्या जिवितांत प्रवेश जालोयगी, त्याच घडिये हांवें तुका म्हजो सर्वस्व म्हण मांदला. तुका सोडन दूसरया चल्या विश्यांत चिंतुंकी हांव सकना. हांव तुज्या बुग्र्याक म्हज्या कुशिंत वावन असताना, तुवें मोगान म्हजी चाक्री कर्ताना हांव चिंत्तालीं येंवच्या जल्मांत पुणी म्हाका तुजी पतीण जावन निर्मी देवा म्हण. विकटर, हांव एक अनाथ चली. तुज्या तसल्या महान व्यक्ती विश्यांत चिंतुंकी फावो न्हय पूण विकटर, हांव काळजांत थावन तुजो मोग कर्तां अनीं खंच्या घडिये तुंवे म्हाका तुज्या वेंगेंत गेतलेंयगी त्याच घडिये हांवें तुका म्हजो नोवरो म्हण मांदलां. तुका म्हज्या विश्यांत कितेंच बोगणां नांत जावंक पुरो पूण हांव तुजो मसत मोग कर्तां.'' बीजल्ले दोळे अपल्या हातांनी सुकवन विकटराच्या कपालाक उमो दांबचे दैर घेतलें वीरान. उपरांत मन नातल्ल्या मनान दारा कुशीन ताणें पावलां काडलीं.

''वीरा'' असकत ताळ्याक तें पाटीं घुंवलें. कश्टानीं व्हचानाका म्हळ्ळ्या हिशारयानीं अपलो हात उकल्लो विकटरान. वीरा संतोसाच्या उमाळ्यानीं विकटर सर्शी दांवलें. देवान वीराचें मागणे अयकाल्लें अनीं विकटराक वीराच्या वांट्याक सोडन दिल्लो.

*** ००० ***

# मोगाची काणीक

"गूड मोर्निंग डो। श्वेता". सुमार अर्द्या घंट्या थावन डो। श्वेताच्या क्याबिनांत राकोन आसल्लो डो। नवीन तिचें येणें पळेवन उटोन उबे रावलो.

"गूड मोर्निंग" हासोन पाटीं वंदिलें डो। श्वेतान. पूण तिच्या कपलार मिरियो पडल्यो.

"हांव डो। नवीन, कविताचो पती" श्वेताच्या तोंडा थावन उत्रां बायर पडच्या पयलेंच नवीनान तोंड उघडलें.

"हो हलो!" अपलो उज्वो हात नवीनान मुकार हाड ल्ल्या हाताक मेळोवन ताका बसक दाकवन तेंय बसलें.

"कविता कशें आस". वयलेबार सवाल केलें डो। श्वेतान.

"शी ईस आलरैट". मटवी जाप दिली नवीनान. "हांव हांगा कविताचो स्क्यान रिपोर्ट वरोंक आयलं." नवीनान्ंच मुंदरिलें.

"ऐ याम वेर्री सोर्री डो। नवीन, कविताच्या गरब पोतियेक मार जाल्ल्यान तें अनीं केदिंच आवय जावंक सकचे नां." एकाच उत्रान जाप दिली डो। श्वेतान.

"तर हांव केदिंच बापय जावंक सकचो नां न्हयगी?" डो। नवीनाचें तोंड बावलें.

"एक डोकटर जावन तशें कित्याक उल्लैताय, अतां सैयन्स कितलें मुकार पावलं." डो। श्वेताच्या उत्रांनीं नवीनाक उज्वाडाचें एक कीर्ण दिसलें.

"खंच्यांती तूं सक्सेस्स जायनातल्यार उपरांत एडोपट अ चैलड." डो। श्वेता उलोन्ंच वेतालें.

"नो, डो। श्वेता नेवर. म्हाका म्हज्या सगळ्या आसतीक म्हज्याच रगताचो वारेसदार जाय. दूसरयांचे रगत तें केदिंच म्हजें जांवचेंनां". डो। नवीनाच्या ताळ्यांत दूक बर्साल्लें. "थ्यांक यू डो। श्वेता". हात मेळवन थंयचो चल्लो डो। नवीन.

***

“कितें चिंतुंक पडल्यात डोकटर, म्हाका कुमक करुंक साद्य नां तर शीदा सांगोन सोड. थोड्या पावटीं देवय दुबळ्यांचे कश्ट पळेवन दोळे दांप्ता. बरें तर हांव चल्तां.” अपल्या पालवान अपले दोळे पुसून वचोंक उटलें नैना.

“नैना” डो। नवीनाच्या उल्ल्याक पाटीं घुंवलें नैना.

“नैना, हांव तुका कुमक करुंक तयार आसां. तुवें विचारल्ल्या तितले पयशे दींवकी तयार आसां अनीं वयल्यान चडीत पयशे हांव तुका दितालों पूण तुवें म्हजें एक काम करुंक आसा.” डो। नवीनाचो ताळो कांप्तालो.

“सांग डोकटर. हांव ह्या शरीरांत हो उस्वास चल्ता वरेग तुमची सेवाकर्न आसतेलीं.” हात जोडले नैनान.

“तुवें मोर्ता वरेग म्हजी सेवा कर्ची गरज नां, फकत एक वरसभर हांवें सांगल्ल्या बरीं कर्न म्हज्या सांगात रावल्यार पुरो.” नवीन नैनाच जापीक रावतालो.

“जायत डोकटर हांव तुमीं सांगल्ल्याबरिंच कर्तां.” खुशेन पर्वणगी दिली नैनान.

“बरें तर पयशे वरोंक पाल्या ये.” डो। नवीनाचे मुखमळ परजळ्ळें.

“देव बरें करूं डोकटर.” नैनाच मुखमळाची छायाच बदल्ली.

डो। नवीन नैना गेल्लीच वाट पळेवंक लागलो. एक लांब श्वास सेवलो ताणें. ताणें काडुंक चिंतल्लें तें मेट समा या चूक म्हण तो नेणासलो. पूण ताणें काडुंक चिंत ल्ल्या त्या मेटांत यशश्वी खंडीत लाबतेली म्हळ्ळो भर्वसो ताका आसलो.

***

“कविता, कितें मौन आसाय बलैकी बरी नांगी?” अपणा सांगता खाटीर आड पडल्ल्या अपल्या पतिणेक सवाल केलें नवीनान.

“तूं डो। श्वेता सर्शीन गेल्लोयगी?” अचानक सवाल उडयलें कवितान. “ हो सोर्री मा. हांव कामांत इल्लें बिझी आसल्ल्यान वचोंक विस्रालों. पाल्यां खंडीत वेतां.” चुकवन काडचें प्रयत्न केलें नवीनान.

“म्हजे कडेच फट मार्तायगी नवीन?” कवितान नविनाकच चोयलें. “नां, सत सांग्ता म्हाका आज वेळ नातल्लो” कविताच्या दिश्टीक दीश्ट मेळोंक सकल्ना नवीन.

“हांवें म्हजो रिपोर्ट वाचलो. तुज्या ब्यागांत मेळ्ळो म्हाका” कविताच्या कडक्क उत्रांक मातशें बियेलो नवीन.

"ह्या जल्मांत माका आवयपणाचें भाग लाबचें नां नंयगी? ह्या घरांत बुग्र्यांचे हासचें खेळचें अमीं पळेवंक सकचें नांव न्हयगी?" कवितान तकली नवीनाच्या हर्ध्यार दवर्न रडोंक सुरू केलें. कविताचीं उत्रां अयकोन नवीनाचें काळीज कोसाळ्ळें. ताणें ह्या संभाशणाची तयाराय करुंक नातल्ली. "तूं रडनाका कविता, देव आसा तो अमकं कसली पुणी वाट खंडीत दाकवन दितालो." कविताच्या मात्याचे केस पोशेले नवीनान. "नवीन, तूं दुस्रें काजार जा" कविताच्या चिंतिनातल्ल्या उत्रांक नवीन सैर बैर जालो. "हें तूं कितें उल्लैताय कविता, अनीं मुकार असलीं उत्रां उल्लैनाका". उमाळोन येंवचें दूक दांबून दर्न उल्लैलो नवीन.

"हांव तुका बुरगें हाडन दितालों कविता". हळतार उत्रां विंचलीं नवीनान.

"नाका नवीन, दूसरयांच्या बुग्र्याक एडोपट कर्चें म्हाका बिल्कूल पसंद नां. ह्या घरांत वाडोन वड जांवच्या बुग्र्याच्या शरीरांत म्हजें रगात नां तर वड न्हय, तुजें रगात आसजायीच". कविता द्रड निर्दारान उलयतालें. कविताच्या उत्रांचो आर्थ नवीन जाणां जालो तरी नेणार्पणाचो वेस ताणें पांगुरलो. " तूं कितें कितें चिंतून तकली पाड कर्न घेनाका कविता, जांवचें सर्व आमच्या बरयाकच म्हण चिंतून सगळें देवाचेर सोड. तो सगळें समा कर्तालो. अतां रात जून जाली, चल तूं निदे". नवीनान हो विशयच दांपच्या खातीर बेड्रुमांतलो मंद दिवो पालवायलो.

नव्या दिसाच्या येण्याक तांबडो सूरयो दरयांत लिप्तालो, चंद्र अनीं तारां अपलीं परजळ पाचार्तालीं. दीस अशेच उबोन गेले. हफ्ते तशें महिनेंय दांवताले.

"नवीन, म्हाका घराच बसोन बोर जाता, आयच्या उपरांत तुजें दोनपाराचें जेवाण घेवन हांव तुज्या नर्सिंग होमाकच येतां जायतगी?" नवीनाची गोमटेक टाय अंर्दिताना कविता उलयलें. "जायत तर तशेंच कर" कविताचीं उत्रां आयकोन तकली गुंवल्यारी अपणाकच सांबाळ्ळें नवीनान. कविताच्या कपालाक उमो दांबून गाड्येचें दार उगडलें नवीनान. "सी.यू अट नून डारलिंग" वाररयार उमो उबवन गाडी नर्सिंग होमा कुशीन दांवडायली नवीनान.

नवीनाच्या क्याबिनाच्या देगेच्या स्पेशल रुमांत आसच्या त्या गुर्वार स्त्रियेक सदांय देक्तेलें कविता अपल्या पतिलागीं ताच्या विश्यांत विचार्चें दैर ताका नातल्लें. नां नांती चिंन्ना ताच्या मतिंत दोसतालीं. एक दीस ताणें एका नर्साक विचार्न्च सोडलें. "सिस्टर, त्या स्पेशल रुमांत आसची ती स्त्री कोण म्हण हांवें जाणा जाव्येतगी?" आतुरायेन विचारलें कवितान. "मेडाम, ती अमच्या बोसाची वी.ऐ.पी पेश्ंट. देकून आमीं तिची चन्नायेन जतन घेवन आसांव. ती अतां आट महिन्यांची

गुर्वार. अनीं एक देड महिनो तिणे हांगाच रावजय पडतेलें’’. सिस्टर सांगोन चल्तच रावली. कवितान परत तिचें मुखमळ चोयलें. म्हण मुखमळाची ती पळेवंक सोबीत आसली. ‘‘दुबाव’’ म्हळ्ळ्या एक भिरांकूळ किड्यान कविताच्या मतिबितर स्वागत घेतल्लो. कविता चड चिडचिडें जालें. उन्रा उन्राक ताणें नवीना कडे झगडोंक सुरू केलें. त्या चलिये विश्यांत अपल्या पतिच्या तोंडा थावन आयकोंचे मसत प्रयतन केलें. पूण कविता झगड्याक देंवताना अपलें तोंड बंद कर्न नवीन चल्तच रावतालो. कवितान कितलें झगडें केल्यारी नवीनान कविताक दाकंवच्या मोगांत कितेंच उणेंपण करुंक नातलें. तो कविताचो मसत मोग कर्तालो. अशेच दीस पाशार जाताले. अनीं आज उदेल्लो कविताचो जल्मा दिवस. ‘‘ मेनी ह्याप्पी रिटर्न्सआफच डे डारलिंग’’ कविताक अपल्या वेंगेंत घेतलें नवीनान. ‘‘थ्यांक यू’’ क्रतक हासो हासलें कविता.

‘‘कविता, आज तुज्या जल्मा दिसाक तुका एक वर्ती काणीक दीवंक चिंतल्या. म्हजे खातीर राकोन राव. हांव वेगिंच पाटीं येतालों. कविताक अपल्या वेंगेंतलें वेगळें कर्न मेटां देंवलो नवीन. कविता नवीनाकच पळेवन उबें रावलें.

अपल्या डैरेचें अक्रेचें पान पिंदून कवितान गिच्चुंक सुरू केलें.

‘‘मोगाच्या नवीन,

हांवें तुका दिल्ल्या भाशे पर्माणें आज परयांत सुखांत तशें दुकांत तुजो सांगात दिला. नवीन, हांव तुजे जिण्ये सांगातीण जावंक फावो न्हय

देकुन्ंच हांवें हो निर्दार घेतला. अमकां बुर्गी जांवची नांत म्हण आयकाल्या घडियेच हांवें हो निर्दार घेजय आसल्लो तरी अतां वेळ उन्रोंक्ना. हांव जाणां तूं त्या चलियेक अनीं ताच्या बुर्ग्याक ह्या घरांत हाडुंक बायर सरलाय. हांव तुमचे मदें केदिंच येंवची नां. तुमकां बरें जिवन माग्तां. आदेवस मोगा...’’

थोडो वेळ थंयच बसोन अपल्या पूटल्ल्या नशिबाक रडालागलें कविता. वेळ पाशार जाल्लो ताच्या गुमानाक गेलो नां. हळतार तें उटलें. अपली सुटकेस भर्न दार बंद कर्न मेटां देंवताना नवीनाचें कार अंगणांत थांबलें.

‘‘हें कितें कविता, म्हाका एक्सूरयाक सोडन वचोंक बायर सरलांय. नां कविता प्लीज तशें करिनाका. दर ह्या घर्चो दिवो जावन हें नेंटे बाळ ‘‘दीपक’’ अमचें घर उज्वाडायतालो. तुज्या जल्मा दिसाक हांवें दिंवची ‘‘मोगाची काणीक’’ कविता’’

सोबीत वसतुरानीं गुटलायिल्लें तें नेंटे बाळ नवीनाच्या हातांत विशेव घेतालें. ताचें तें नेंटे मुखमळ पळेवन ताका पटलून दर्न उम्यांचो शिंवोर वोत्यां म्हण भोगलें कविताक, तरी ताणें अपणाकच सांभाळ्ळें. ताची दीश्ट कारा कुशीन गेली पूण

कारार कोण्ंच नातल्लीं. ''कविता तुज्या मतिंत आसच्या हऱ्येका सवालाक हांव जाप दितालों पूण आतां बितर चल''. नवीनान कविताचो हात दरलो. कविता रावल्ल्या कडेच रूक जाल्लें.

''बरें तर कविता, तूं तुजो निर्दार बदलुंक तयार नांय तर वच हांव तुका आडायना. पूण वेच्या पयलें सत गजाल आयकोन वच''. अपल्या हातांत आसल्या बाळाचें मुखमळ चोवनच उलयलो नवीन.

''कविता तुवें चिंतल्ल्या बरीं हें बाळ म्हज्या अनीं नैनाचा दैहीक संपर्कान जल्माल्लें खंडीत न्हय.'' अपल्या उत्रांक फूल स्टोप घालन कविताक चोयलें नवीनान. कविता अजून मौन असलें. ताच्या कपाला वयले मिरियो माज्वोंक नातले. नवीनानच मुंदरिलें.

''हांवें नैनाचेर एक प्रयोग केलो म्हज्याच रगताचें बाळ जल्मोंक. तुका तें समजोंचे नां तरी हांव सांग्तां. हांवें केल्ल्या ''टेसट ट्यूब बेबी'' प्रयोगांत हांवें यशस्वी जोडली. हांव सत सांग्ता म्हाका अनीं नैनाक कितेंच संबंध ना. ताका पयश्यांची गरज आसली अनीं म्हाका बुर्ग्याची. अमीं एकामेकाच्या गर्जांक पावल्यांव. पयशे घेवन तें चल्लां. अनीं केदिंच येंवचेंनां. अनीं पुणी तुजो निर्दार बदलुंक सक्षिगी कविता?'' नवीनान परात्तिलें.

कवितान अपली दीश्ट एक पावटीं नवीनाचेर अनीं ताच्या हातांत आसच्या बाळाचेर जोकली. उपरांत दीर्घ श्वास घेवन अपल्या उज्वा हातानीं दर्णीर आसली सूटकेस घेवन वचोंक तें घुंवलें.

''कसलें फातार काळीज तुजें कविता, हांवें चिंतुंकच नां सत जाणा जाल्या उपरांती तूं म्हाका सांडून चल्तालेंय म्हण. देव तुका बरी वाट दाकंवदी''.

दुखेसत काळीज घेवन अपल्या बाळासंगी घर्चीं मेटां चडलो नवीन. थोड्याच वेळान सूटकेस थंयच गळवन पाटीं धांवोन आयलें कविता. नवीनाच्या हातांतल्या बाळाक घेवन उम्यांचो शिंवोर ताचेर वोतिलागलें. नवीनाच्या दोळ्यां थावन देवल्लीं संतोसाचीं दोन थेंबे दुकां पोल्यार जिरलीं. कविताय रडतालें. तितल्यार नेंटे बाळ दीपकानय रडोंक सुरू केलें. कवितान दलवन रडच्या बाळाक थांबयलें. तितल्यार नवीनान कविताच्या गालांचेर अपले हात बोवडावन ताचीं दुकां पुसलीं. उपरांत कविताक अनीं दिपकाक ताणें वेंगलें. ''मोगाची काणीक'' जाल्या नेंट्या बाळान तूटल्लो गांच घडसिल्लो, पालवल्लो दिवो परत पेटयिल्लो.

*** ००० ***

# अनाथ

“डा ज्योती!!!!!” अलीस बाय अपल्या कुशीन अन्येका खाव्येर नीद ल्ल्या ज्योतीक पळेवन घाभरली. सगळें आंग तिचें दुक्तालें. हाताक पैप उमकाळताले, तोंडार आक्सिजन मासक विराम घेतालें. देगेन वेंटिलेटर रडोन आसल्लें. ती ऐ सी युंत आसा म्हण समजोन घेवंक चड वेळ गेलो नां. अपल्या तोंडार आसचें आक्सिजन मासक हळतार मात्यार लोटून एक हात खाटीक तेंकून अन्येक हात पोटाक दर्न दुकीन उटोन नीट बसली अलीस बाय. आपल्या बगलेच्या खाटीर नीदल्ल्या ज्योतिचीय हीच आवसता जावनासल्ली.

“बिर्मत कितलें दुक्तासतलें” चन्नाये विणेंच दोन थेंबे दुकां अलीस बायेच्या पोल्यार जिरलीं. तितल्यार ज्योतीन हळतार दोळे उगते केले. अनीं कश्टांनी अपल्या मुखमळार हासो हाडल्यो. “गूड मोर्निंग मिसेस गोम्स. कशी आसाय तूं?”. त्या मोवाळ उत्रांक परत अलीस बायेचें काळीज बरोन आयलें. “हांव बरीं आसां बा, पूण, म्हजें आपरेशन तुवें करुंक नांय?” आलीस बाय अपली प्रश्नार्थक दीश्ट ज्योतिचेर उडयलागली. “मिसेस गोम्स, व्हय, हांवें तुजें आपरेशन करिजय आसल्लें पूण तुका कशी करुंक दूसरया कोणायचीय किडणी मेळानातल्यान अनीं म्हजी परिक्ष्या कर्ताना म्हजी किडणी तुज्या जिवाक ताळ पडता जाल्ल्यान वेळ पाड करिनासताना तुका वांचवच्या एकाच इराद्यान हांवें हो निचेव घेतलो. व्हय हांवें म्हजी किडणी तुका दिल्ल्या. हांवें एक दाक्तेर जावन कितें करिजे आसल्लेंगी तें केलां. म्हज्या पेशंटाचो जीव हांवें उरयला. तुवें मोजो उपकार बावुडचो या पयशे मागंवची कांय गरज नां. म्हाका देवान एदोळ परयांत ताच्या बेसांवानीं सांबाळ्ळां अनीं मुखारी तोच सांभाळतलो म्हळ्ळो खरो भर्वसो आसा”. ज्योती उलयीत वेतालें. अलीस बाय मात्र दुकांची झर वाळवन मौन रावोन आयकाताली.

“म्हाका तुवें कित्याक वांचयलेंय डा। ज्योती, हांव ह्या तुज्या वर्त्या काणिकेक फावो न्हय. हांवें आदारल्ल्या चूकीक देवान सार्की शिक्षा म्हाका दिल्ली. हांव हो संसार सांडुंक तयार आस ल्लीं”. अलीस बायेन आपल्या गालार हात बोंवडायलो. तितल्यार अलीस बायेचो नोवरो अनीं पूत रूमाबितर रिगले. “कशें आसाय आलीस? अळे म्हाका बिजनेस ट्रिप्पाक तोड्या तेंपा खातीर गांव सोडन व्हचाजे पडते लें. धर हे पयशे तुज्या सांगाता दवर. हांवें लीलाक्कक सांगल तुजी जतन घेवंक. रायानाक बिजनेसाचें इल्लें अनुभव लाबंवच्या खातीर ताका हांव मोजे सांगाता घेवन वेते आसां. तीन महिन्यां उपरांत तुका मेळतां. अमचे विश्यांत खंत

करिनाका. वी विल्ल बी फायन''. नोटांची आ ीं अलीस बायेच्या हातांत चेपून तिचो नोवरो अनीं पूत रायन थंयचे बायर पडले.

हें सगळें पळेवन आसल्लें डा। ज्योती आज्याप पावलें. पूण अलीस बाये कडे कितेंच विचार्चें दैर ताणें घेतलें नां. अलीस बाय वगेच आसल्ली पळेवन ताका तडवुंक तांकलें नां.

''मिसेस गोम्स, तूं खंत करी नाका, तूं बरी जाता परयांत हांव तुजी चाक्री कर्तेलीं''. अपल्या खाटीर थावन उटोंक तांकनातल्यारी ज्योतिच्या मोगाळ उत्रांनीं अलीस बायेचें काळीज जीकल्लें.

सूख? दूक वांटून घेवन दीस अशेच पाशार जाले. आपरेशनाचे घाय गूण जावन येताले.

''फाल्यां तुमीं दोगांनीय घरा वच्येत डा। ज्योती अनीं मिसेस आलीस गोम्स''. दाक्तेरान सांग्ताना ज्योती संतोसलें, पूण आलीस बायेच्या मुखमळार काळ्या मोडानीं वेडो घाल्लो.

''डा। ज्योती तुज्या सांगाता सारल्ले हे थोडे दीस म्हज्या जिवितांतले मोलादीक दीस. फाल्यां अमीं अपापल्या घरा वेतेल्यांव. पूण ताच्या पयलें हांव तुजेकडे एक निगूड सत उचारुंक आशेतां. हांव जाणां हाच्या उपरांत तूं म्हक कांटाळतालेंय, पूण व्हड न्हय'' अपलीं वसतुरां ब्यागांत चेपून ब्यागाची झिप्प ओडली अलीस बायेन. खाटी देगेन आसल्ल्या आराम कदेलार ती कुसकाली. ''म्हाका आयकोंक मसत आतुराय भोग्ता, कितें आसा तें वेग्गीं सांग मिसेस गोम्स'' ज्योती अपल्या खाटीर बसोन आतुरायेन अलीस बायेचें मुखमळ चोयतालें.

''डा। ज्योती, तीन महिन्यांची गुर्वार हांव एक्सुरीं अबोर्शन क्लिनिका बितर बसोन म्हज्या नशिबाक रडतालीं. अबोर्शन करंवचेंगी नाकागी? ह्या विश्यांत निर्दार करुंक म्हाका बोव कश्ट मार्ताले. म्हाका दैर दिंवचीं या म्हाका भुजंवचीं कोणी म्हज्या सांगाता नात ल्लीं. आसल्लो तर एक बेब्दो बापय. ताका म्हजे विश्यांत पडोन वचोंक नातल्लें. ताच्या पियोवण्याक जाय तितले पयशे ताच्या हातांत चेपल्यार पुरो आसल्लें.

मोगाचो खेळ खेळन, स्वपणां दाकवन, म्हज्या कुडी सांगाता खेळोन हांव आवय म्हण कळताच नांपयच जाल्ल्या व्यक्ती विश्यांत चिंतुंकी म्हाका लज भोग्ताली. ''हांवें जर ह्या बाळाक जल्म दिल्ल्यार हो संसार ताका आपणायतगी? ताका एक बरो फुडार लाभतगी?'' हांव चिंन्ना सागोरांत बुडलीं. ''आलीस गोम्स'' म्हजें नांव आपयताना हांव चिंन्ना सागोरांतलीं जागीं जावन रिसेपशन कौंटरा कुशीन मेटां

काडिलागलीं. “आबोर्शन कर्च्या पयलें तुका तयार करुंक आसा चल म्हज्या सांगाता” एका चलियेन म्हजो हात दर्न म्हाका बितर वेलें.

“तुज्य सांगाता कोणी आयल्यांतगी?” त्या चलियेन विचार्ताना हांवें नां म्हण तकली हालयली.

“धर ह्या पेपरचेर सैन कर” तिणें एक कागदा कुडको म्हज्या मुखार ओड्डायलो. कांपच्या हातनीं हांवें तो घेतलो अनीं सैन करुंक मेजा वयलें पेन्न हातीं घेतलें. तितल्यार म्हाका एक ताळो आयकालो. “मम्मी म्हाका जिवेशीं मारिनाका मम्मी” पेन्न अनी कागद थंयच उडवन क्लिनिका थावन बायर हांव दांवलीं.

“म्हाका भोगशी पुता” म्हज्या पोटाक पोटलून दर्न हांव घळगळ्यां रडलीं. भारादीक मेटां हांवें घरा कुशीन काडलीं. “कितें गो इतलो वेळ जालो. आफिसांतलें काम केल्ल्यार मात्र पावना, घर्चें काम कोण तुजो मांव कर्तागी?” पियोण्याच्या आमालार उलयतालो म्हजो बापय. “आना, म्हाका म्हज्या आफिसा थावन बोंबय ट्रान्स फर मेळ्ळा. एका हप्त्यान व्हचाजे पडतेलें” हळतार वोंट उसायले हांवें. “बोंबय वच, नातल्यार ताच्या पोल्तोडी वच. म्हाका मात्र हप्त्या हफ्त्याक पयशे धाडते राव”. हांवें घेतल्ल्या खटोर निर्दाराक म्हज्या बापायची पर्वणगी लाबल्ली. हफ्त्यान हांवें बोंबय पोटली बांदली. काम केलें. म्हाका ओळकिचीं थंय कोणी नातल्ल्यान कोणायकी हांवें बियेजय म्हहण नातल्लें. बापायक खूश दवरुंक ताका हफ्त्या हप्त्याक पयशे धाडते रावलीं. कसटांनीं काम कर्न स महिनें संपले. म्हज्या होसटेलाच्या धनिनेक हांवें म्हजी सगळी काणीं सांगल्ली. तिणेंच आवयच स्थानार रावोन म्हाका प्रसतूतपणावेळार सांभाळ्ळें. एक सोबीत चेडूं बुर्ग्याक हांवें जल्म दिलो. तितल्यार म्हजो बापय सिरियस आसा म्हळ्ळी खबर म्हाका पावली. कितेंच उपाय नासताना म्हज्या काळजाच्या कुडक्याक अनाथ आश्रमाच्या वडिळणीक ओप्सून हांवें गांवची वाट दरली. सिरियस म्हळ्ळी फटकिरी खबर धाडन म्हज्या बापायन म्हाका एका ग्रेसत दादल्याक विक्क्ची विलेवारी केल्ली.

ग्रेसत दादल्याची पतीण हांव जालीं. चार वोणती मदलें म्हजें जिवन आरंभ जालें. हांव फकत एक वैफ जाल्लीं (वंडर्फूल ईन स्ट्रुमेंट फोर एंजोय मेंट). हांवें आशेल्लो पतिचो मोग म्हाका लाबलोच नां. पयशांच्या हांतुळनार निदोन मोगाचीं सोपणां हांव देकतालीं. कांटळो आयिल्लो म्हाका म्हज्या जिविताचो. म्हजो पती पयशे कर्च्यांत व्यसत आसल्लो. ह्या मदें म्हाका एक चेर्को बुर्गो जल्मालो. वाडत आयलो अनीं तोय बापयचो पाटलाव करुंक लागलो. आवय म्हळ्यार केवल रांदून वाडन घर सांबाळची व्हसत म्हण ताणें लेकल्लें. अशेच दीस पाशार जाले. हांवें

केल्ल्या चुकीक खरया संभंदांचो आर्थ म्हाका देवान दाकवन दिल्लो. हांवें म्हज्या धुवेक अनाथ कर्न आश्रमांत सोडन आयिल्ल्या दिसा थावन पाटीं घुंवोन पळेयनातल्यारी, ताची जतन घेवंक ताका वड करुंक, शिकाप दीवंक अनीं आज एक प्रसिद्द सरजन जावंक हांवच काराण. हांवें ताका जिवेशीं मारुंक चिंतल्यारी ताणें आज म्हजो जीव वांचयल''. अलीस बाय अपलें मुखमळ आपल्या हातांत दांपून दर्न हुसकार्न रडताली.

''म.....म्मी....'' ज्योती अलीस बायेच्या खांद्यांक दर्न तिका उटयलागलें. ''म्हाका भोगशी पुता'' अवय धूव एकामेकाक वेंगून दर्न काळीज हाळू जाता परयांत रडलीं. ''मम्मी, तुवें म्हाका जिवेशीं मारिनासताना वांचोवन्च म्हाका वडलो उपकार केलाय. तुज्या हातांनी उंडी दीवन म्हाका व्हड करिनातल्यारी म्हाका एक बरो फुडार लाभयलाय. हांवें तुका बोगशिलां. त्या ग्रेसतांच्या चार वोणदी मदें अनीं तुवें कैद रांवचें म्हाका पसंद नां. म्हज्या जिवांत उस्वास आसता परयांत हांव तुका सांभाळतालीं''. ज्योतीन अलीस बायेचीं दुकां पुसलीं. ''चल आतां निदे पाल्यां सकाळीं हांव तुका आमगेर आपवन वर्तां. तुज्या पुताक आनीं नोवरयाक तांचे पयशे तांक सांभाळतले''. आलीस बायेक निदावन वोल आंगार वोडन अपल्या खाटीर चडलें ज्योती.

''गूड मोर्निंग मम्मी'' दोळे गश्टून आंग वोळ काडन उटोन बसताना ज्योतीक आज्याप राकोन आसलें. ताच्या कुशिचें बेड्डु खाली आसलें. दडबडोन उटोन नीट जालें तें. बेड्डु सैड लोकराचेर एक दोवें कागद ताका दिसलें. अम्सारान ताणें तें उघडलें. तांतू आशें लिखून आसलें. ''ज्योती, पयल्यान पयलें म्हाका बोगसून आवय जावन आपणायिल्ल्याक देव बरें करूं. अनीं तुज्या फुडारा विशीं चिंतिनासताना अपली तर्नी किडणी म्हाका दीवन म्हजो जीव वांचयिल्ल्याक हांव सदांच तुका आभारी जावनासां. हांव तुजेर जांव या म्हज्या घोवाचेर जांव या म्हज्या पुताचेर जांव वोजें जावंक आशे नां. हांव चल्तां म्हजी वाट दर्न. अमचो हो संभंध अमचे मदेंच आसोंदी. तूं अनाथ जावन वाडलांय, आनाथ जावनच राव. नां तर ही समाज तुका जियेवंक सोडची नां. म्हजो पती अनीं पूत म्हाका सोदचें प्रयतन कर्चे नांत म्हण चिंत्ता, तांका तितलो वेळ आसचो नां. म्हजें बेसांव सदांच तुजेर आसतालें पुता. आदेवस तुमकां समेसतांक'' ज्योतिच्या हातातलें कागाद धर्णीर गळ्ळें, अनीं सांगाताच ज्योतीय.

*** ००० ***

# वेचीक पूत

आयचो सूरयो पप्पाच्या जिवितांत एक नवी घुंवडी हाडन येंवच्यार आसल्लो. सात वर्सांच्या ह्या कठोर वेगळाचारा उपरांत आज पप्पाचो एकच आस्रो, एकच स्वपाण जावनासल्लो, मोगाचो पूत पाटीं येंवच्यार आसल्लो. शेतां बाटानीं, गाद्यां तोटानीं घाम पीळन घोळचें अपल्या वडपणाक उणें म्हण चिंतून आसत सगळी अपल्या नांवार बरवन घेवन जल्म– दातारां थावन पयस पावल्या उपरांत ताच्या वेगळाचारान ताच्या आवयक बली घेत ल्लो. हेंच चिंतून ताचो बापूय लाचार जाल्लो. ह्याच घडिये आनाथ जावन घर आधार नासताना गांवान गांव भंवतल्या म्हाका देवान बरो आस्रो लाबयिल्लो. अनीं पप्पाक केदिंच ताच्या पुताचें उणेंपण भोगुंक हांवें सोडलें नां. लाचार पप्पाक हांव आधार जालों. आधार नात ल्ल्या म्हाका पप्पान मोगाचो आस्रो लाबयलो. अनीं अशें असताना पप्पाचो एकच वारेसदार पाटीं येता म्हण कळ ल्लेंच पप्पा संतोसान नाचतालो. पूण म्हज्या काळजांत कित्याक गी एका थराचो मोसोर उबजाल्लो. हांव खंडीत जावन जाणासल्लों हांव मोसोर करुंक फावो न्हय. पप्पान म्हाका अस्रो दीवन पुता सार्को

मोग लाभयला. अशें चिंतून हांवेंच म्हाका थांबयलें अनीं बितर चल्लों, आज येवंक असच्या "वेचीक पुता"क संभ्रमीक येवकाराची तयाराय करुंक.

पप्पा सोप्यार बसोन मुखल्या गेटीकच चोयतालो. अनीं अबळे ती घडी उदेल्ली. अपणाच्या पुतान व्याक्सेर थावन देंवोन गेट उग्ती कर्ताना पप्पा नीट जालो. पुताक वेंगच्या आतुरायेन मुखार धांव ल्ल्या पप्पाची चाल थंयच थांबली. कारण अपल्या पुता सांगाता एक चली अनीं ताच्या हातीं एक नेंटे बाळ आसल्लें.

"कसो आसाय पप्पा?" मुखार आयिल्ल्या ऐवन बाबान्च उलवण्याक बुन्याद घाली. "......." पप्पा तांका पळेंवच्यारच पडल्लो.

"पप्पा हें म्हजी होकाल शरल अनीं हें अमचें एकच माणीक ऐरल." पप्पाचें मौन पण पळेवन ऐवन बाबच उलयलो.

"......." तरिकी पप्पाचे वोंट वेगळे जाले नांत.

"पप्पा सोरी, अम्सरान काजार जाल्ल्यान हांवें कोणायकी आपवणें दीवंक नां." पप्पाच्या पर्वणगे विणें बितर रिग्ताना उलयलो ऐवन बाबा.

"वय पुता, मनश्याक हंकार येताना अपलो जल्म दातार बापूयच पर्की जाता" पप्पा अपलेस्थकीं उलयिल्ले म्हाका आयकालें. लांब स्वास घेवन सोप्यार कुसकालो पप्पा.

"हांव तुमकां थंड पीवन घेवन येतां" तांच्या बराबर हांवी बितर चमकोल्लों.

"तूं हांगासर कामाक आसाय म्हण चिंत्ता. देव बरें करूं" पीवन हातीं घेताना उलयलो ऐवन बाब. हांवें वय म्हळ्ळ्या बरीं तकली हालयली.

"हो मांय सरल्यागी? म्हाका खबरच दीवंक नां?" वोणदीर उमकाळच्या तस्विरेक पळेवन उलयलो ऐवन बाब.

"तुमकां तिळसुंक तुमचो नंबर या विळास नातलो" हांव खाली ग्लासांक राकोन उबो आसल्लों.

"जायत जायत, चड अधीक प्रसंग उलैनाका. चल तुजें काम कर." ऐवन बाबाच्या दमकेक हांव टीपायचेर आसल्ले खाली ग्लास घेवन कुजनाक रिगलों. ऐवन बाबाचीं उत्रां म्हज्या काळजाक तोपुल्लीं. हें सर्व संभाशण अयकोन असल्लो पप्पा उटोन थंयच दोरियेर असल्लो तुवालो काडन खांद्यार घालन तोटाकुशीन चमकालो. ताका चड बेजार जाल्ल्या वेळार ताणें तोटांत वचोन बसचें आसल्लें. सांज जाताना पप्पा सार्को जातालो म्हण चिंतून हांवें म्हजें काम मुंदरिलें. पयस थावन थकोन आयिल्ल्या आमच्या सयरयांक तांच्या कुडिची निताळाय करुंक उपकार मागलो. उपरांत रांदून दवरल्लें स्वादीक जेवाण मेजार मांडलें. जेवाण

सेवल्या नंतर थोडो वेळ विराम घेवन सांजेचें शीतळ वारें सेंवच्या खातीर तीं तोटा तेवशीन चमकालीं. हांव सांजेची पोटची विलेवारी करुंक रांदपा कुडाक रिगलों.

वोणती वयल्या घड्याळा बितरल्या सुकण्यान वरां सात जालीं म्हण अपल्या सुमधूर ताळ्यान म्हाका जागयताना हांव रांदच्या कुडा थावन भायर आयलों. आयिल्ल्या सयरयांक जळ्यारां थावन वांचंवच्या खातीर घर्चीं दारां जनेलां धांपलीं. पयशिल्ल्यान आयकोंवच्या इगर्जेच्या घांटीक हांवें मती बितरच तेर्स भेटयलो. तितल्यार घर्ची कांपीण वाजली. हांव एकाच बाक्कारान दाराकाडे पावलों. अमचीं सयरीं बितर आयिल्लिंच दार दांपुंक वेताना पयशिल्यान म्हाका पप्पा येंवचो झळकालो. हांव दार उग्तेंच दवर्न आंगणाक देंवलों.

“पुता, नाणी तापल्यागी?” पप्पाचें मुखमळ एकदं बावल्लें.

“वय पप्पा” हांवें मटवी जाप दिली. “म्हाका जेवंक नाका पुता. आज कित्याक गी पुरासण भोग्ता” नाण्ये थावन आयिल्लो पप्पा अपल्या कुडा कुशीन चमकालो. ह्या घड्ये ताका दोसचें समा न्हय म्हण चिंतून हांवें तकली हालयली.

“ पळे ऐवन अमकां पाल्यां रातीं धा वराची ट्रैन म्हण उडास आसामू? आयचो सगळो दीस तुवें विभाडलोय. पप्पा लागीं केदाळा उलयताय? फाल्यां सांजे बितर विलेवारी जायनातल्यार हांव म्हज्या धुवेक घेवन चल्तां. तूं राव हांगाच तुज्या बापय सांगाता.” दूदाचो ग्लास घेवन ऐवन बाबाचें दार ठोक्तां म्हणताना आयकोंक न्हजो जाल्लें तें म्हज्या कानांक पड ल्लें. थोडो वेळ थंयच रावोन इल्ल्या वेळा उपरांत दार ठोकून दुदाचे दोन ग्लास थंयच आसल्ल्या मेजार दवर्न भायर चल्लों. पप्पाच्या रुमाक तिळताना पप्पा कूस पर्तून निदलो. हांवें आयकाल्लें पप्पाक सांगल्यार ताका अनिकी चड दुकतालें म्हण चिंतून हांवें म्हज्या कुडा तेवशीं मेटां काडलीं.

***

“पप्पा, अमकां पार्टीं वचोंक आसा. आज रातीं धा वरांची ट्रैन बूक जाल्या.” सकाळिंचो नासटो कर्ताना उलयलो ऐवन बाबा.

“…….” पप्पान अपल्या हातीं असच्या दिसाळ्या पत्रा थावन नदर बदलिली नां. “पप्पा, म्हाका तुज्याकडे इल्लें गर्जेचें उलवंक आसल्लें” चायेचो घोट मार्ताना परत मुंदरिलें ऐवन बाबान. “कितें सांग” म्हळ्ळ्या बरीं अपली नदर ऐवन बाबाचेर लायली पप्पान.

"पप्पा, म्हज्या बिजिनेसांत मसत नश्ट जाल्ल्यान हो घर जागो सगळो विकिजय पडलो. हें घर सोडन दितालों म्हण ह्या पत्रांचेर तुज्या दसकतेची गरज आसली. फाल्यां ह्या घर्चो धनी येंवचो असा. ताणें येंवच्या बितर हें घर खाली जावंक जाय. तुमचीं वसतुरां अनीं हेर गर्जेच्यो वसतू सोडल्यार हेर कितेंच तुमीं वर्चे बरीं नां. म्हजी परिस्थिती समजोन घे. तुजें काळीज दुखयिल्ल्याक म्हाका भोगशी पप्पा." पप्पाच्या तोंडार कितेंच बदलावण नातली पळेवन ऐवन बाबान्च मुंदरिलें.

"पप्पा, तुका म्हजे सांगाता रावोंक खुशी आसल्यार तुवें म्हजे सांगाता येव्येत. जर तुका गांव सोडन येवंक खुशी नातल्यार हांगाच लागसार असच्या 'जीवन ज्योती व्रद्धाश्रम' 'त तुका भर्ती कर्तालों. पप्पा निर्दार तुज्या हातांत आसा."

ऐवन बाबाचो ताळो कांप्तालो. "पुता जीवन, एक पेन्न घेवन ये" पप्पान म्हाका हिशारो केलो. हांवें वचोंक घुंवताना ऐवन बाबान अपल्या बोल्सांतलें पेन्न काडन दसकतेचो जागो दाकयलो. पप्पान एक पावटीं म्हाका चोयलें उपरांत दसकत केली. ताचे हात कांप्ताले. आपूण जीवंत असतानांच आसत सगळी पुताच्या नांवार केल्ल्यान ताका अतां दुस्री वाट नासली.

"हांवें व्रद्धाश्रमांत राव्येत पुता पूण जीवन कंय वेतालो?" पप्पाच्या ताळ्यांत खंत तशेंच दूक झळकातालें.

"तो कांय मातारो न्हय पप्पा. येदोळ परयांत धर्माचें खेलें अनीं पुणी कश्ट काडन घोळोंदी." ऐवन बाबा जापीक राकानासतां अपल्या कुडा कुशीन चमकालो. म्हाकाय मसत बेजार जालें तरी हांवें म्हाकाच सांभाळ्ळें. अनीं पप्पा सर्शीन पावलों. पप्पा मेजाक तकली तेंकून बसल्लो. हांवें पप्पाच्या भुजांचेर हात दवरलो. पप्पान हळतार तकली उकल्ली. पयिल्ले पावटीं हांवें पप्पाच्या दोळ्यांनीं दुकां देखल्लीं. पप्पान अपल्या गालांचेर अपलो हात भोंवडायलो अनीं उटोन चल्तच रावलो.

दीस तो बारीच मौन पणान पाशार जालो. पूण हांवें सयरयांक जेवणा खाणांत उणें केलें नां. धर्तेर काळोक पडताना पप्पा घरा बितर रिगलो. दोळे ताचे सूजल्ले. "पुता जीवन तीं गेल्या उपरांत तूं तिक्केशे म्हज्या रुमाक ये. तीं वेताना म्हाका उटंवची गरज नां" पप्पाच्या तोंडा थावन सोररयाचो वास मार्तालो. पप्पा शीदा अपल्या कुडाक चमकालो.

नावन जेवन वरां नोव जाताना अमचीं सयरीं बायर सरलीं.

"पप्पा जागो असागी जीवन" ऐवन बाबा म्हजे सर्शीं आयलो.

"नां ऐवन बाबा पप्पाक नीद आयल्या, ताणें उटंवचें नाका म्हळां." हांवें हळतार तकली बागवन सांगलें.

"बरें तर अमीं चल्तांव. एदोळ परयांत पप्पान तुका पुकटाचें खावयलें न्हय गी? अनीं पप्पाची जवाब्दारी तुज्या हातांत असा. पप्पाक सांभाळ. चल शरल." ऐवन बाबा शरल बाय अनीं ऐरल बेबी सांगाता अंगणाक देंवलो. हांव बागील दांपून पप्पाच्या कुडा कुशीन चमकालों. पप्पा जागोच आसल्लो पूण ताचे दोळे तांबडे जाल्ले.

"तीं गेलिंगी पुता?" उटोन बसलो पप्पा. "वय पप्पा" मटवी जाप दिली हांवें. "पुता जीवन, म्हज्या पुतान तुजें काळीज दुखयिल्ल्याक म्हाका भोगशी. आज परयांत तुवें म्हाका बररयान सांभाळ्ळांय. हांवें तुका अजून कितेंच दिल्लें नां. दर पुता ही पांच लाखांची चेक्क. तुज्या मुखल्या जिविताक आधार जातालो म्हण पात्येतां. हाच्याकी वर्तें म्हजेलागीं तुका दीवंक कितेंच उरोंक नां. इतली आसत असोन य हांव आज बिकारी जालां."

पप्पाच्या दोळ्यांनी सरांरां दुकां देंवतालीं. अशें तरी पप्पाचें मन हाळू जांवदी म्हण हांवें ताचीं दुकां पुसचें प्रयतन करुंक्ना. "पप्पा, ह्या संसारांत कोणी नात ल्ल्या म्हाका तुवें आस्रो दिलाय हाच्याकी वर्तें कितेंच म्हाका नाका. ही चेक्क म्हाका नाका पप्पा. म्हज्या जीवांत उस्वास आसता परयांत तूं बिकारी जांवचों नांय पप्पा. तुजें रूण फारीक करुंक म्हाका आवकास लाबय". हांवें पप्पाक वेंगलें.

" पुता ही चेक्क तुवें म्हाका एदोळ परयांत सांभाळ ल्ल्याची काणीक जावनासा. प्लीज नाका म्हणानाका. अतां वचोन निदे. फाल्यां अमकां हें घर सांडुंक असा." पप्पान परत पांच लाखांची चेक्क म्हजे तेवशीं वोड्डायली. पप्पाक अनिकी दुखंवचें समा न्हय म्हण चिंतून हांव चेक्क घेवन म्हज्या कुडा तेवशीं पावलां काडलीं. थोडो वेळ म्हाका नीदच आयली नां. मतीक मसत बेजाराय जाल्ली. मसत वेळ हांतुळनार लोळ्ळ्या उपरांत निद्रा देवीन म्हाका वेंगलें. सकाळ जाल्लीच कळ्ळी नां. दडबडोन उटोन सासटो तयार कर्न पप्पाक उटवंक पप्पाच्या कुडा तेवशीं कदमां काडलीं. उपरांत अमकां पेट–बिचाणें बांदुंक आसलें.

"पप्पा" मोवाळायेन आपयलें हांवें . पप्पा हाल्लो नां. हांव भियेलों. लागीं वचोन पळेयताना म्हाका आज्याप राकोन आसल्लें. पप्पाची कूड थंड जाल्ली. ह्या भिरांकूळ संसाराक फूड करुंक तांकानासतां पप्पा ह्या संसाराक आदेवस मागोन अमचे थावन मसत पयस पावल्लो. "वेचीक पूत" पप्पाच्या जिवितांत सूख–संतोस हाडन येंवच्या बदलाक पप्पाक सासणाच्या विशेवाक पावन गेल्लो.

*** ००० ***

# खरया मोगाच्या सोधनेर

"डिंग डोंग" काल बेल्लाच आवाजाक हांव हातांतलो रिमोट टिपोयचेर उडवन दारालाग्गीं पावलों.

"कोण जाय असलें". अपरिचीत प्रायेसताक पळेवन हांवें सवाल केलें.

"रोबीन रोड्रिगस". गंभीरायेची जाप आयली अपरिचीत व्यक्ती थावन.

"हांवच रोबीन रोड्रिगस" हांवें हासचें प्रयतन केलें.

"हांव आशाचो बापय. म्हजें नांव लियो. हांवें बितर येव्येतगी?" म्हज्या जापिची गरज म्हण लेकिनासतां लियाब बितर पावलो. म्हज्या तकलेंत हजार चिंन्ना कांतयतालीं.

लियाबान चड वेळ पाड करिनासतां उलोवण्याक बुन्याद घाली.

"रोबीन, आशा तुमचच होस्पिटलांत ऐ सी युंत एडमीट अस. मोर्णाच तणीर अपल्या जिविताचे अक्रेचे घड्ये मेजते अस. हांव हांगा पावोंक हें कागद कारण.

हांव हांगा आशाचा मोगाची भीक मागोंक येवंक ना. तुका मन आसा तर एक पावटीं म्हज्या दुवेचेर नदर घाल." लियाब अपल्या हातांतलें कागद म्हज्या हातांत चेपून चल्तच रावलो.

हांवें कांपच्या हातांनी तें कागद उग्तें केलें. तांतू आशें लिखून आसलें. "मोगाचा पप्प अनीं मम्मी, हांव जाणा हांवें कर्ची चूक म्हणोन. एकलीच धूव जावनासल्य म्हाका तुमीं मोगान वाडवन, बरें शिकाप दीवन, बरो फुडार तुमीं म्हाका फावो केलो. पूण आज हांवें तुमकं दोगांयकी सोडून हो संसार सांडून वेचो निर्दार केला. हांव रोबिविणें जेयेवंक सकचिनां. ताणें मोजा निस्वार्थी मोगाक इनकार केलां. तो म्हज्या सांगाताच ऐ सी युंत काम कर्ता. म्हाका बोगशीय मम्मी अनीं पप्प. तुमची निर्भागी दूव आशा".

कागद वाचून हांव शिरीं चुकलों. खरया मोगाचा सोदनेर हांवें मोजी सगळी जिणीं विबाडली. आनीं आज म्हजे मोगाक लागोन हो संसार सांडुंक तयार जालां आशा. नां हांवें ताका वांचयजय. घट निर्दारान हांवें अंगणांत रावोन आसचा बैकाक किक्क मार्रली.

ऐ सी यू बायर आशाची मम्मी अनीं पप्प उबे रावोन अर्स्यांतल्यान खाटीर निदोन आसल्या अपल्या दुवेक पळेवन दुकां गळयतालीं. तांच्या दिश्टीक म्हजी दीश्ट लावंक सकनासतां हांव ऐ सी युचें दार लोटून शीदा बितर पावलों. हांव थंय काम कर्तां जाल्ल्यान म्हाका कोणचाच पर्वणगेची गरज नातली. हांव आशाच्या बेड्डा सर्शीं पावलों. देगेन आसलो पडदो वोडन हांव बेड्डा सर्शीं असल्या कदेलार गळ्ळों. आशाचो हात आपल्या हांतीं घेवन मोगान हांवें पोशेलो. आशा गूंड निदेंत असलें. तोंडांत उस्वासाचो व्यूब आसलो. आंग सगळें वायरानीं भरल्लें. दोन थेंबे दुकां अपापिंच म्हज्या दोळ्यांत थावन देवोन पोल्यार जिरलीं.

मत म्हजी दोन दिसां आदीं घडल्लें घडीत नियाळुंक लागली.

***

"रोबी, ये तुका हांव घर सोडतां". गाड्येचें दार उग्तें केलें आशान. "इटस ओके आशा हांव चलोन वेतां" हांवें मुकार मेटां काडलीं. "म्हाका तुजे कडे इल्लें गर्जेचें उलोंक आसा ड्युटे विश्यांत" आशाच्या विनंतेक हांव गाड्ये चें दार उघडन गाड्ये बितर बसलों. थोड्याच घडियानीं गाडी दरया तडिकडे पावली. असतमतेंत सूरयो बुडोंक आयतो जाल्लो. "कितें उलोंक अस वेग्गीं उलोय म्हाका वेळ जात" सुकीं

उत्रां म्हजे तोंडांत थावन बायर पडलीं. चड वेळ पाड करिनासतं आशान मोजो हात आपल्या हांती घेवन उलोंक सुरू केलें. "हांव तुजो मोग कर्ता रोबी".

तांचीं उत्रां अखेर जांवच्या पयलें हांवें म्हज्या हातीं आसलो ताचो हात पापुडलो. "फटी मार्न म्हाका हांगा आपवन हाडलेंयगी तुवें". हांव घरजलों. "म्हाका समजवचें प्रयतन कर रोबी. तुजा खातीर जीव दींवकी हांव तयार आसां. तुजेविणे हांव वांचोंक सकचिंनां". आशा देदेस्पार जावन उलेतालें.

"आशा, तूं बररयान जाणांय मोग म्हळ्ळो सब्द म्हजे डिक्षनरिंत नां. अनीं चेडवाचीं म्हाका एलरर्ज आसा म्हळ्ळेंय तूं बररयान जाणांय. म्हाका म्हजे इतल्याक सोड अनीं तूं तुजी वाट पळे. हांव चल्तां." हांव वचोंक घुवलों. "खरो मोग ह्या सब्दाचो आर्थ जाणंयगी तूं.."

आशान अपलें हट सोडले नां. "खरो मोग" हांव व्यंग्य हासो हासलों.

"रगता मासाचें काळीज म्हजें. वोताक सुकोत घाल्लें सुकें खोबरें न्हय. मोग म्हळ्ळ्या उत्राक हांव कांटाळतां तर ताका कारण आस. तुका आयकोंवची सकत आसा तर आयक".

हांव बुडचा सूरयाक चोवन्ंच रेवेर कुसकालों. पयले पावटीं हांवें उलोंवची आतुराय दाकय ल्ल्यान म्हजे कुशीकच रेवेर बसोन म्हजीं उत्रां चीत दीवन आयकतालें आशा.

"आशा, म्हजो पप्पा सोळा वर्सांचो आसतान काम सोदून गलफाक पावलो. पंचवीस वर्सांचो जाताना गावाक येवन अमच सेजार्च्या वाड्यांतल्या चेडवा कडे काजार जावन ताका आपवन काणगेवन परत गलफाक उबलो. म्हजीं दोगां भयणी जल्मालीं. उपरांत निर्भागी हांव जल्मालों. दोन्ंच महिन्यानी म्हाका पर्क्यांच हातांत दीवन म्हजीं अवय बापय परत पावलीं पाटीं गलफाक. हांव अनीं म्हज्यो भयण्यो आवय बापय आसोनी अनाथ जावन कोणा कोगाच्या घर वड जाल्यांव. म्हाका व्हड केल्ल्यांकच हांव मम्मी ड्याडी म्हण आपयलागलों. थोड्या वर्सां उपरांत म्हजें अन्येक भयण ह्या संसाराक आयलें. ताचा उपरांत म्हजीं आवय बापय गांवांत घर बांदून गांवांत रावलीं. हांव पांच वर्सांचो जाताना अचानक एक दीस म्हजीं आवय बापय येवन म्हाका तांच्या घर आपवन वर्न गेलीं. तांक मम्मी ड्याडी म्हण आपयजे म्हण ओत्ताय करिलागलीं. हांव आयकलोंना. तांक मम्मी ड्याडी म्हण आपय नातल्याक म्हाका सदां मार पडतले. दूसरयांच आवय बापायानीं तांच्या बुर्ग्यांचो मोग कर्चो पळयतान म्हाका मोसोर जातालो. मोग म्हळ्ळ्य उत्राचो आर्थच नेणासलों. आसोच हांव वड जालों. एक्सुरों, रागिश्ट हांव जालों. म्हजीं सिंतिमेंता

समजंवची कोण्ंच ना जालीं. आस ल्ली एक वडली मांय ड्याडीन मार्तान मदें एताली. एक दीस तीय अंतरली. हांव आतां सगळ्या संसारांत एक्सुरो जाल्लों. ना म्हजी आवय म्हजीं भोगणं समजोंक सकली नां म्हजो बापय. धावी शिकोन बेंगळूर पावलों हांव. काम कर्न पी यू सी चें शिकाप हांवें संपयलें. युवजणंच सेंट्रल कौन्सिलांत बर्ती जालों. मेक्यानीक जांवची आशा असली. बापयन सांगलें नां नर्सिंग कर. नर्सिंगाचें डोनेशन पळेल्लेंच बापयन सांगले म्हज्ये कडे पयशे नांत. स्वपणंची रावळेरां धर्णी सम जालीं. दुस्रेच दीस घर सोडन इसटां सर्शीं परत बेंगळूर पावलों. काम सोदलें. काम मेळ्ळें. हातांत पयशे आयले. मोबयल काणगेलें म्हजे जिविताक एक दिशा लाबली. इश्टांचो संपर्क केलो. दशेंबराच्या चोवदा तारिकेर म्हज्या पाद्री इश्टाचें फोन आयलें. तुर्तान गांवाक ये. गांवाक येवन पावलों. म्हजे कातीर नर्सिंग सीट राकोन आसली. मन नातल्या मनान पादरयाबाच्या ओत्तायेन नर्सिंगाक बर्ती जालों. लोन काडलें नर्सिंग शिकलों. हांगासर म्हाका बेटलें विविना. सोबीत सुंदर चेडूं. बस स्त्यांडांत बस्साक राकोन आसताना अमची पयली भेट जाली. फोन नंबर अदल बदल जालो. दीश्ट एक जाली, काळीज बेटलें, मोग उदेलो. मोजो पयलो मोग विविना. अमीं एकमेकाचो मोग करुंक सुरू केलो. लोन फारीक करुंक आसल्यान नर्सिंग जाल्लेंच हांव कामाक लागलों. अनीं तें अपलें शिकाप मुंदरिलागलें. हांवें ताका मुकार शिकोंक पयशांची कुमक केली. लानपणा थावन मोगाक आशेवन आसल्ल्या म्हाका विविनाचो बर्पूर मोग लाबलो. ताणें म्हाका मोगाचो आर्थ शिकयलो. पूण एका दीस ताणें म्हजे मोगाचें मोल बांदलें. ताच्या सांगाता शिकच ग्रेसत चेड्याच मोगार तें पडल्लें. हांव धर्णीक आपटलों. रडलों. म्हाका ओळकोंक ताणें इनकार केलें. हांव उपाशीं पडलों, घळगळ्ळ्यं रडलों. म्हजे इसटंनी ताका खबर दिली कांयिंच ताका फरक पडोंक्ना. त्याच ग्रेसत चल्या कडे ताचें काजार जालें. ताका घेवन बांदल्ली सर्व रावळेरां दर्णी समा जालीं. त्या आस्पत्रेंत काम सोडन दूसरया आस्पत्रेंत हांव कामाक भर्ती जालों. थंयसर म्हाका अन्येक चेडूं राकोन आसल्लें मरीय. सोभायेची बावली तें जावनासल्लें. एक दीस आस्पत्रेच बागलार म्हाका पळेवन हासोन वंदिलें ताणे. हांवें य हासो पाटीं दिल्ल्यो. एक पावटीं मोगाक लागोन धर्णीक शेवटोन अतां परत उबे रांवचे प्रयतन कर्न आसल्लों हांव, परत मोगा विश्यांत चिंतची सकत म्हाका नात ल्ली. अमचें सदांचे वंदन इसटगतेंत बदल्लें. एकाच माळियेर दूसरया दूसरया वार्डांत अमीं काम कर्तेल्यांव. सदां सांगात कामाक येंवचे, सांगात रुमाक वेचें, पिच्चराक वेचें, शोपिंगाक सांगाता वेचें, बेल्पुरी खांवची, हें सदांचे जाल्लें. तें

म्हज्या मुकल्य कटवणांत होसटेलांत रावतेलें. हांवें मरियाक म्हज्या पयल्या मोगा विश्यांत सांगल्लें. हांव तुजो मोग मात्र करुंक सकचो नां. आमीं दोगांय ह्या इसटगतेक ओप्पल्ल्यांव. आशेच हप्ते महिने वर्स उबलें. एक दीस फांत्यार तीन वरांचेर म्हाका मरियचें फोन आयलें.

"रोबी तुका सोडन म्हाका रावोंक जायन. आमीं काजारा भांदांत एकवटोंक तुजी कांय अडकळ आसागी?" मरियाच्या सवालाक हांव सयर बयर जालों. विविना म्हज्या काळजाच्या एका कोनशांत अनिकी जीव आसलें. "नां मरीय, हांवें तुजेकडे पयलेंच पर्वणगी घेत ल्ली. म्हाका तुजेकडे लग्ना भेसांत एकवटोंक जांवचेनां. अनीं पांच वर्सां परयांत हांव काजार जांवच परिसतितेर नां". मरियन रडोंक सुरू केलें. म्हजे काळीज मोवाळ्ळें. हांवें सांगलें "जर्तर तूं म्हजे कातीर पांच वर्सां रात्तेलेंय तर हांव तुजे कडेच काजार जातलों." मरीय म्हज्या शर्ताक ओप्पल्लें. आमची इसटगत अनिकी गूंड जाते गेली. आनीं एक दीस मरियचा भावाक अमचा विशीं कोणेंगी खबर दिली. भावाचा बेश्टवणेक लागोन मरियन म्हाका मेळचें बंद केल्लें. हांवें म्हजे काळजांत विविनाचो जागो मरियक दीवन जाल्लो. ताका विसर्चें कश्टांचे जाल्लें.

एक दीस ताच्या जल्मा दिसाक हांवें ताका फोन कर्न "मरीय, तूज जल्मा दिसाक हांवें तुका एक मोलादीक काणीक हाडल्या सांजेर म्हाका मेळशिगी?". हांवें विनंती केली." म्हाका फोन कर्चें अनीं म्हजें नांव पाड कर्चें बंद कर. तीच म्हाका वडली काणीक". मरियचा कठोर उत्रांनी हांव खरया मोगाक लागोन परत दर्णीक शेवटाल्लों".

***

हांवें म्हजी काणी बंद कर्न आशाचें मुखमळ पळैताना तें घळगळयां रडतांलें. हांव उटोन उबे रावलों सूरयो दरयांत बूड ल्लो. हळतार आशा उटोन कितेंच उलैनासताना आफ्ल्या गाड्ये सर्शीं पावलें. गाडी मुकार दांवली दोगां मदें कसलोच संवाद नासताना. म्हजे बाड्याचा लानश घरामुकार गाडी रावली. "देव बरें करूं आशा, हांव तूज मोगाक या इसटगतेक फावो न्हय. वेळ उतर्च पयलें अतांच म्हाका विसर्न सोड". हांव गाड्येचें दार बंद कर्न चल्तच रावलों. आशाच्या जापीक राकानासताना. त्या दिसा उपरांत आशा कामाक येवंक नातल्लें. आमीं सांगात ऐ

सी यू ंत काम कर्तार्ल्याव. कित्याक तें कामाक येवना म्हण कोणायकडे विचार्ची आतुराय हांवें घेवंक नातल्ली. आनीं आज.....

***

वेंटिलेटराच्या अलार्मक हांव उडोन पडलों. चिंन्ना सागोरांतलो वासतावाक पाटीं आयलों. आशाची काळजाची उडी रावल्ली. हांवें वेगिंच पडदो देगेक सर्सून हांव बोबाटलों. "हेल्प". दाक्तेर अनीं नर्सां दावोन आयलीं. "स्टार्ट द सी पी आर" दाक्तेराच्या बोबाटेक हांव दडबडोन आशाचें काळीज दांबूक लागलों. हांव ड्युटेर ना म्हळ्ळेंय हांव विस्राल्लों. सतत प्रयत्नान आशाची काळजाची उडी परत पाटीं आयिल्ली. हांव बीजल्ले दोळे अनीं भाराधीक मेटां घेवन ऐ सी यू बायर पावलों. "देव बरें करूं पुता तुका. अमीं सगळें पळेळें. म्हजे दुवेक पुनर जिवन लाबयिल्ल्याक". आशाची मम्मी तोंडाक पालंव दर्न रडताली. हांव कितेंच उल्लैनासतान घर्चे वाटेक लागलों. हांवें थोडे दीस कामाक रजा घाल्ली. आशाचें मुखमळ पळेवंक तांकनासताना मोग आनीं चली हांच्या दोगां थावन पयस धांवचो घट निर्दार घेवन पावलों हांव दुबय शहराक.

***

काम केलें. पयशे जमयले. लोन फारीक केलें. भयण्यांक काजार केलें. जल्मा थावन म्हाका मोग लाबयनातल्यारी म्हजे आवय बापयक महिन्या महिन्याक पयशे दाडन तांची जतन हांव घेतालों. सगळ्यांक म्हजे पयशे जाय आसले पूण हांव कोणायकी नाका आसल्लों. एक दीस अवचीत म्हजी आवय सरली. थोड्या तेंपान म्हज्या बापायनी ह्या संसाराक आदेवस माग ल्लो. तरिकी एकलो पूत जाल्ल्या हांवें गांवाक वेचें मन दाकयलेंनां. म्हाका पूत म्हण लेकून एका घड्येकी ताणीं म्हाका वेंगुंक नातल्यारी जीव असताना तांची जतन घेवन म्हजें कर्तव्य हांवें केल्लें. आशिंच सात वर्सां संपलीं. आज अचानक गांवाक वेचो निर्दार हांवें घेतल्लो. गांवांत म्हजें घर म्हळ्ळें नातल्लें. धावी जाल्ल्या उपरांत सोडल्लें तें आवय बापयचें घर परत हांवें गुंवोन पळेवंक नातल्लें.

***

बजप्यां विमान निल्दाण थावन गाडी कर्न. होटलाक पावलों. नावन फ??रेश्श जालों. टी.वी.चो बटन दांबून खाटीर आड पडलों. ह्या सात वर्सांनी हऱ्येक घडी म्हाका आशाचो उगडास दोसतालो. पूण हांवें ताचे वेशीं कोणायकडे खबर काडचें व्यसत प्रयतन करुंक नात ल्लें. काळजाची उडी म्हजी आशाक आशेवंक लागली. सात वर्सां उप्परांत गांवची वाट दरुंकी आशाची चिंन्नांच कारण असोंक पुरो. हांव उटलों अनीं बायर सरलों. आशा जर तर अजून म्हजे मोगा कातीर राकोन आसा तर ताका हांव खंडीत म्हजें कर्तालों घट निर्दारान बाड्याची गाडी घेवन हांवें आशाच्या घरा तेवशीं दांवडयली. केस अनीं ताळो सार्को कर्न गाड्ये थावन देंवलों. पाय म्हजे कांप्ताले. आशा जीव आसा या मेलां म्हळ्ळेंय हांव नेणासलों.

"मम्मी पळे कोण आयला? " नेंटुलें बुरगें बायर दांवोन आयलें. ताच्या पाटपट आयिल्ल्या चलियेक हांव घडियेन वळकलों. म्हज्या पांय पंदली दरण उग्ती जावन म्हाका गिळताशें बोगली. खरया मोगाक तूं थोडो तेंप राकोंक सकलेनांयगी आशा? हांव मती बितर रडलों. "रो.....बी...." आशा रावल्ल्या कडेच रूक जाल्लें. दोळे ताचे दुकांनीं भरल्ले. "ये बितर ये रोबी" अपल्या गालांचेर हात बोंवडावन हासचें प्रयतन तांणे केलें. "एक घडी बस हांव चा कर्न हाडतां" आशा रांदप कुडाकुशीन मेटां घालिलागलें.  "अंकल, इतल्या दीस कंय आसलोय? हांवें तुका पळेवना. तुजें नांव कितें? तुजे घर कंय?" म्हज्या लागसार बसोन सवालां वयर नेंटी सवालां उडयलीं त्या नेंव्या बाळान. "तुजें नांव कितेंबा?" हांवें मोगान ताचे केस पोशेले. "म्हजें नांव विविना". ताणें उलयताना म्हाका घडगडो मारल्लो आनभोग जालो. "तूं बायर वचोन खेळू कर विविना". आशान सांग्ताना तें नेंटे पाय घेवन बायर धांवलें. "कोणी आयल्यारी तशेंच सवलां वयर सवालां पोक्री चेडूं". आशा चा अनीं बिसकिव्यो टिपायचेर दवर्न म्हज्या मुकल्या सोप्याचेर बसलें.

एक चायेचें कप्प म्हाका दीवन दुस्रें कप्प अपल्या हातीं घेवन सोफाचेर ओणकोन बसलें आशा. "रोबी, ऐ सी यू थावन बरें जावन घर आयल्या उपरांत हांवें तुका मसत सोदलें. पूण म्हजें हऱ्येख प्रयत्न व्यर्त जाल्लें. हांवें एक पावटीं जीवगात केल्ल्यान परत म्हजे काजराची खबर म्हजे मांयन जांव या पप्पान जांव काडुंक्नातली. म्हजी परिसतिती पळेवन बितरल्या बितर तीं मसत रडतालीं. आशेंच एका दीस म्हजी खंत कर्न म्हजे मांयन उपरांत तोड्या तेंपान म्हजे पप्पान ह्या संसाराक आदेवस मागलो. हांव ह्या संसारांत एक्क्सुरीं जालीं. अचानक एक दीस अमच आस्पत्रेंत विविना म्हळ्ळें चेडूं कामाक सेर्वालें. रावोंक तें बाड्याचें रूम

सोदतालें. तें गुर्वार आसल्लें. म्हाका ताची बिर्मत दिसली. हांव य एक्सुरीं आसल्ल्यान हांवें ताका आस्रो दिलो. आमीं एकामेक अपलें सूख-दूक वांटून घेवन मोगान आसल्ल्यांव. एक दीस ताणें ताची सगळी जिणी म्हजे मुखार उग्तायली. तवळ म्हाका कळ्ळें तें विविना दुस्रें कोणी न्हय. म्हज्या खरया मोगाचो पयलो मोग म्हण. ताच्या घोवान ताका सोडून दूसरयाक दरल्लें. रोबीक धखो दिल्ल्याक देवान म्हाका दिल्ली ही सज म्हण तें पश्चात्तापांची दुकां गळयतालें. हांवें निचेव केल्लो. जर तूं म्हाका मेळशी तर म्हजे मोगाचो त्याग कर्न तुमकं दोगांयकी एकवटायतालीं म्हणोन. पूण विधीन दुस्रेंच निर्मिल्लें. सोबीत बाळाक जल्म दीवन ताणें ह्या संसाराक आदेवस मागल्लो." लांब उस्वास सेवन कप्पांतली चा खाली कर्न कप्प मेजार दवरलें आशान. "तर....तर...तूं अनिकी तुज्या खरया मोगाक राकोन आसायगी?" हांवें हळतार शिंपी गिळ्ळी. "रोबी, हांव खंडीत जावन जाणसल्लीं मोजो खरो मोग एक ना एक दीस खंडीत म्हाका मेळतालो म्हण. जर तर तुजो खरो मोग तुका मेळ्ळ तर हांव तुमच वाटेक केदिंच येंवचिनां". आशान दीश्ट पंद घाली. हांवें घडियेन आशाचो हात आपल्या हातांत घेतलो. "खरया मोगाचा सोदनेर हांवें म्हजी सगळी जिणी वीबाडली आशा. अजून वेळ उत्रंक्ना. तुजो खरो मोग तुज्या पांयथळ तुज्या मोगाची भीक मागोन आयला म्हाका आपणायशिगी?" हांव आशाच्या दिश्टीक म्हजी दीश्ट मेळोंक सकलोंना. हांव आशा मुखार दिंबियेर पडलों. "खंडीत जावन रोबी. म्हजो पयलो तशेंच अक्रेचो खरो मोग तूं." आशान म्हज्या गळ्या बोंवती अपले हात रेवडायले. म्हज्या खरया मोगाचीं सोदनां अखेर जाल्लीं. हांवेंय आशाक वेंगलें. "मम्मी" विविनाचा ताळ्याक अमीं दोगांय वासतवाक पाटीं आयल्यांव. अमचीच अमकं लज दिसली. "विविना, तूं सदांय विचार्तलेंयमू. ड्याडी कंय आसा म्हण. होच तुजो ड्याडिमां" आशा लजेलें. "ड्याडी" विविनान म्हाका वेंगलें. "प्लीस ड्याडी म्हाका अनीं मम्मीक सोडन अनीं कंय व्हचानाका. मम्मी सदांय रडता." त्या नेणत्या उत्रांक म्हजें काळीज बरोन आयलें. "ना पुता, अनीं केदिंच हांव तुमकं सोडन वेचोना" म्हजो ताळो गदगदीत जालो. हांवें आशाक अनीं विविनाक दोगांयकी म्हज्या वेंगेंत घेतलें.

*** ००० ***

# वेचीक काळीज

"लवी" अयताराचें मीस जावन घरा कुशीन सरारां मेटां काडच्या हांवें परिचीत ताळ्याक तकली घुंवडायली.

"विजू" संतोसान म्हजें काळीज नाचोंक लागलें. दांवोन वचोन ताका वेंग माररयां तशें बोगलें. पूण अपलीं सिंतिमेंता हांवें दांबून दरलीं.

"कशें असाय लवी?" विजून उलवण्याक बुन्याद घाल्ताना हांवें य अपले वोंट उसयले.

"हांव बरीं असां विजू. केदाळा गांवाक आयिल्लोय? केदाळा पाटीं वचोंक?" हांवें अतुराय दाकयली.

"हांवें येवन दोन दीस जाले. मांय काजार जा म्हण हट कर्ता देकून चार महिन्यांची रजा घालन आयलां. चेडूं पळेवन, काजार जावन, हनिमून कर्न उपरांत पाटीं". उलयतां उलयतां विजुचे पोले मातशे तांबशेले.

"तेल्मा????" म्हज्या कपालार मिरियो पडले.

"तेल्मा..." लांब श्वास सेवलो विजून.

"म्हज्या सांगाता बोंवोन, म्हजे पयशे विभाडन, मोगाचो खेळ खेळन, अमीं काजार जाव्यां म्हण विचार्ताना म्हाका तूं नाका, गलफाचो चलो जाय. तुका समा काम नां काजरा उपरांत म्हाका कशें पोसतालोय? म्हळ्ळ्या कटोर उत्रांची भाली म्हज्या काळजाक तोपून तोड्याच दिसानीं अपल्या गलफाच्या नोवरया सांगाता गलफाक उबलां तें". उलयतां उलयतां विजुचें व्हचान बावलें.

"म्हाका भोगशी विजू. तुजे सूकल्ले घाय जिवाळ केल्ल्याक." म्हाका विजुची बिर्मत दिसली.

"इटस ओके लवी. तें पुरा सोड. तूं म्हाका हें सांग तुजो पती राय कंय दिसाना?" विशय बदलुंचे प्रयतन केलें विजून.

"तो कुवैट आसा" मटवी जाप दिली हांवें .

"तेल्माच्या तिरसकरान गलफाची वाट म्हाका दाकयिल्ली. गांवांत काम कर्च्या दादल्यांच्या मोगाक मोल ना म्हण हांव समजल्लों. कषट काडन दुबाय सर्गाक हांव पावलों. आज म्हज्या कडे पयशे आसात, बरें काम आसा. फूण मोग नां..." विजुचो ताळो रडकुरो जालो.

"चल अमीं त्या गुड्यार दिसच्या कडपार बसोन अमचें सूख? दूख उलयां" विजून पयशिल्ल्या कडपा तेवशीं बोट जोकलें. अमीं दोगानिंय त्या कडपा कुशीन मेटां काडलीं.

त्या कडपाच्या तुदियर बसल्यार भोंवती गुडो अनीं ताच्या मुळांत अमचीं घरां दिसतालीं.

व्हय, हांव अनीं विजू सेजारी जावनास ल्ल्यांव. लानपणाचे सांगाती. सांगाता खेळचें, सांगाता इसकोलाक वेचें, रडचें, हासचें, घोव बायलेचो खेळ खेळचें, हें सक्कड सदांचे जाल्लें. वड जावन आयिल्ल्या बरिंच विजून मोज्ज्या काळजांत प्रमूख जागो आपणायिल्लो. सांगाता व्हड जाल्यांव. सांगाता कोलेजिचीं मेटां चडल्यांव. ताणें मोज्या मुखार तेल्मा सांगाता गप्पे मार्तान म्हजें काळीज दुखान रडतालें.

"कितें मौन जालेंय लवी. उलय. उडास आसागी तुका अमच्या लानपणाचो?" म्हज्या सांगाता खडपाचेर कुलो तेंक्ताना उलवण्याक बुन्याद घाली विजून.

"म्हाका अमच्या लानपणाची ह्न्येक घडी उडास असा विजू. तूं वडलो मनीस जालाय तूं सगळें विसरलाय आसतालोय." हांवें मात्सो राग दाकयलो.

"नां लवी. हांव कितेंच विस्रोंक नां. ह्या गुड्यार अमीं कंर्डा विंचतेल्यांव उडास आसागी?" विजू म्हाकाच चोयतालो.

"वय विजू, कंर्डा विंचुंक सांगात दिल्ल्या चेडवाक तूं विसरलोय". ताच्या दिश्टीक दीश्ट मेळोंक हांव सकलीं नां. म्हजी दीश्ट पयस गुड्यार खंचल्ली.

"नां लवी हांव तुका विस्रोंक्ना" विजून म्हज्या मुखमळा वयली दीश्ट बदलिली नां.

"लवी, तेल्मान म्हाका धखो दिताना हांव तुज्या सांगाताक मसत आशेल्लों." विजुचो ताळो गदगदलो, ताणें हळतार अपलो हात म्हज्या हातार दवरलो.

"विजू, चल घरा या. मांय – पप्पा राक्तात आसतलीं." हांव दडबडोन विजुचो हात पापुडन उटोन उबीं रावलीं.

"सोरी लवी" विजून अपलें मुखमळ अपल्या दोंपरां गांटी मदें लिपयलें.

"विजू" हळतार म्हजो हात विजुच्या बुजांचेर बसलो. ताणें तकली उकल्ली, पूण दोळे ताचे बीजल्ले.

"विजू हें कितें तूं रडताय? म्हजे हात हळतार ताच्या गालांचेर घुंवले.

"लवी, तेल्माक हांवें म्हज्या काळजांत उंचले स्थान दिल्लें. तेंच म्हजें सर्वस्व म्हण चिंतल्लें. पूण....."

परत विजुचे दोळे बिजले.

"विजू, तूं जाणांयगी हांवें तुका म्हज्या काळजांत कसलें स्थान दिल्लें म्हण?" विजूक समधान करुंक म्हाका दुस्री वाट दिसली नां.

"म्हळ्यार?" आतुरायेन विजून अपली नदर म्हजेर बोंवडायली.

"अमीं लान असताना घोव बायलेचो खेळ खेळतेल्यांव वय, पूण वड जावन आयिल्ल्या बरिंच हांवें तुका म्हज्या नोवरयाचें स्थान दिल्लें. तुका सांगोंक हांव लजेलीं. हांवें चिंतल्लें तूंय म्हजो मोग कर्ताय म्हण. पूण वेळ उन्नाल्लो. तुज्या दोळ्यांनी तेल्माचो मोग पळेवन हांवें ंच म्हाका तुजे थावन पयस केलें. जिणीं भर एक्सुरीं सार्तालीं म्हळ्ळो खटोर निर्दार हांवें घेतल्लो. पूण एकलीच दूव जावनासल्ल्या म्हाका म्हज्या बापायच्या उन्नांक खाल्तिमान घालन जीवनाचो हात दरिजे पडलो." सुकीं उन्नां म्हज्या तोंडा थावन उसाळतालीं.

"लवी, हांवें तुका त्या नद्रेन केदिंच देकोंकच नां. जिंकेन कसतूरी अपल्या कपालार दवर्न पर्मळ कंय थावन येता म्हण सगळो संसार सोदल्ल्या बरीं जाली म्हजी काणी. म्हाका भोगशी लवी. तुज्या मोगाक हांव ओळकोंक सकलों नां." विजुचो ताळो गदगदीत जालो.

"जाल्लें जावन गेलें. चल विजू घर या." हांवें म्हजो हात ताचे मुखार ओड्डायलो. म्हज्या हाताक बळ दीवन तो उटोन उबो रावलो.

"आज सांजेर तूं फ्री आसल्यार म्हजे सांगाता बोंवोंक येतायगी?" गुडो देंवताना हळतार कांपेरया ताळ्यान सवाल केलें विजून.

अपल्या हातांत आसल्लो म्हजो हात अजून सोडुंक नातल्लो विजून.

"खंडीत जावन" खबरे विणेंच हांवें जीब हालयली.

“बरें तर सांजेर बस स्व्यांडांत मेळतां”. हात वाररयार उबवन घर्च्या वाटेक लागलो विजू. विजुची पाट पळेवन हांव थंयच रूक जाल्लीं. “विजू, तूं म्हज्या मोगाक पयलें कित्याक समजोंक सकलो नांय?” दीर्घ स्वास सेवन हांवें हळतार म्हज्या घर्ची वाट गुड्डायली.

***

दीस दावले, हफ्ते उबले. बीच, पार्का, सिनेमां म्हणोन अमची इश्टागत दाट जावन येताली. पयलें पयलें विजूक समाधान करुंक हांव ताका सांगात दिताली. म्हज्या लानपणाचो मोग तो जाल्यान कंच्या घड्ये हांवें मोज्या नोवरयाक देगेक लोटून विजूक अपल्या काळजांत जागो दिल्लोगी हांवच नेणां जालीं.

मोगाची झळक दाकवन गल्पाक ऊबल्ल्या म्हज्या नोवरयाचो उडास काडुंकी म्हाका पुर्सोत नातली. हप्त्याक एक पावटीं ताणें गलफा थावन फोन कर्ताना ताच्या कडे मोगाचीं दोन उत्रां उलवन परत हांव विजुच्या चिंत्नानीं अपणाकच विसर्तालीं. म्हज्याकाळजाक विजून संपूर्ण अपलें कर्न घेतल्लें. लानपणार म्हजो मोग करिनातल्यारी अतां तेल्माक विसर्च खातीर तो म्हज्या सांगाताक आशेतालो.

***

“लवी, हांव तुका सोडन जियेवंक सकचों नां. तेल्मान म्हाका घात केल्या उपरांत तुवें म्हाका परत जियेवंक शिकयलेंय. तूं जर म्हाका सोडशी तर हांव जीवघात कर्तालों.” विजुचीं उत्रां संपच्या पयलें म्हजो उज्वो हात विजुच्या वोंटाचेर बसलो.

“तशें म्हणानाका विजू. लान थावन हांवें हर्येक घडी तुकाच म्हजो नोवरो म्हण मानलां. म्हज्या ड्याडिच्या ओत्तायेक लागोन हांव जीवनाची पतीण जालीं. पूण, ताचो मोग म्हाका लाबलो नां. काजार जावन हप्त्या बितर तो गलफाक उबलो. थोड्या तेंपान म्हजी नणंद बाळांत जाल्यान म्हजी सासू मांय लंडन उबली. हांव त्या घरांत एक्सुरीं जालीं. म्हजीं चिंत्ना, म्हजीं भोगणा समजतेलीं कोणच नां जालीं. अनीं अशें एक्सुर्पणान लासोन असतां म्हाका तूं मेळ्ळोय. सुकोन वेच्या झडाक झर मेळल्ल्या बरीं, हांव परत जिवाळ जालीं. सत सांगजय तर हांवें य म्हजें काळीज तुका समर्पिलां. ह्या समाजेक हांव फूड करुंक तयार आसां. पूण परत

लाब ल्ल्या तुज्या मोगाक मात्र सांडूक तयार नां." हांवें विजूक वेंगलें अनीं अपली तकली ताच्या हर्द्यार लिपयली.

"तर...तर...म्हज्या सांगाता येवंक तूं तयार आसायगी? ह्या समाजे थावन पयस वचोन एक बरें कुटाम अमीं बांद्या"

विजुच्या मुखमळाचेर संतोस पर्जळतालो.

"हांव तयार आसां विजू." चडीत चिंतिनासतां म्हजो निर्दार हांवें ताका कळयलो.

"बरें तर पाल्यां मोग कर्णारांचो दीस. हांव गाडी घेवन दोनपारां बारा वरां इतल्याक तुमच्या गेटी बायर राक्तालों. तुमगेर घरा कोणी नातल्यान तुका चडीत त्रास भोगचे नांत म्हण चिंत्ता. तुका घाल्ल्या वसतुराचेरच हांव म्हजे सांगाता घेवन वेतालों. सूटकेस अनीं कांय हाडुंक व्हचानाका लोकाक दुबाव जातालो. अयची आखरेची रात एक्सुरी साररयां. पाल्यां थावन केदिंच तुका म्हज्या पासळेंत थावन हांव वेगळें करिसों नां म्हण भास दितां." विजून हळतार अपले वोंट मोज्या वोंटाचेर दांबले. एकामेकाच्या वेंगेंत अमीं हो संसार विसरल्यांव. दरया तडिचें शितल वारें कुडीक लागोन हिंव खाताना एकाचपाणें अमीं वासतावाक पाटीं आयल्यांव. खांद्या वयलें शाल बोंवती रेवडावन वसतुरा वयली रेंव पापुडन एकामेकाच्या वेंगेंतच एकामेकाक ऊब दीवन अमीं घर्च्या वाटेक लागल्यांव.

***

खाटीर आड पडोन वयर गुंवच्या पंक्याक पळेवन अपलेस्थकीं हासतालीं हांव. अक्रेची एक्सुरी रात. अक्रेक तरी म्हजो मोग म्हाका लाबलो. सत संसाराक कळ ल्लेंच म्हज्या घर्चीं अनीं मोजो नोवरो खंडीत रागार जातालीं पूण थोड्याच तेंपान सक्कड समा जातालें. हांव म्हाकाच समजयतालीं. चिंत्ना सागोरांत बुडोन आसल्ल्या बरिंच निद्रादेवीन म्हाका अपल्या वेंगेंत घेतलें.

जनेलांतल्यान तिळच्या सूरयाच्या किर्णानीं म्हज्यां पोल्यांचो कीस घेताना हांव आंग वोळ काडन उटोन बसलीं. मुखार दिसच्या अर्स्यांत अपलें प्रतिबिंब पळेवन हांव संतोसलीं. म्हजें मुखमळ हर्शेच्याकी चड परजळीत दिसतालें. सकाळिंचो नासटो जावन बायर सर्न राकोन बसलीं विजुच्या येण्याक. एकेक घडी म्हाका एकेक शेकड्या बरीं भोग्ताली. दिश्ट मात्र हांवें हालयली नां वोणतीर उमकाळच्या त्या घडियाळा वयली. तितल्यार म्हज्या हातांतलें मोबायल वाजलें.

"लवी, तयार आसायगी? अनीं पांच मिनुटांनी हांव तुमच्या गेटी मुखार आसतालों. तुवें बायर येवन रांवचे नाका. तुज्या सेजाच्र्यांक दुबाव जातालो. हांव घरा बितर येतां. थोड्या वेळा उपरांत अमीं बायर सररयां." विजू उलवनच वेतालो.

"जायत विजू. हांव तयार आसां. वेग्गीं ये." म्हजें आंग सगळें कांप्तालें. काळीज धडदडतालें. दोन मिनुटानीं आपवणे कांपीण वाजली.

"अरे, पांच मिनुटां म्हण इतल्या वेग्गीं कसो पावलो हो?" काळीज म्हजें खुशेन अनिकी वेगान धडदडोंक लागलें. हांवें हळतार दार उघडलें.

"ह्याप्पी वेलेंटायस डारलिंग" तांबड्या गुलोबाच्या बुक्क्या पाटल्यान लिपोन आसल्लो ताळो उलयलो.

तितल्यार गेटी मुखार विजुचें कार येवन रावलें. ताणें गाडियेचो अर्सो सकयल केलो.

"सर प्रैस!" गुलोबाचो बुक्को देगेक दवर्न बळान वेंगलें म्हाका जीवनान. हांव एक घडी भर सैर बैर जालीं. अपल्या गाडिये थावन हें सक्कड पळेवन आसल्ल्या विजुचें तोंड घडगडो मार ल्ल्या तल्व्या

रूका बरीं कर्पोन गेल्लें. हांव थटस्थ जाल्लीं. जीवन रसत्याक पाट कर्न आसल्लो. हांवें म्हजे दोनी हात जीवानाच्या गळ्या बोंवारी रेवडावन, हात जोडले. म्हाका बोगशी म्हळ्ळ्या बरीं. विजू अनिकी अमकांच पळेवन आसल्लो. दोन थंबे दुकां म्हज्या दोळ्यां थावन देंवोन जीवानाच्या खांद्यार जिरलीं. हळतार गाडियेचे अर्से वयर कर्न अपली गाडी चालू कर्न चल्तच रावलो विजू. जीवन म्हाका पोटलून दर्न घरा बितर रिगलो.

"कशें आसा म्हजें सर प्रैस? अनीं केदिंच हांव तुका एक्सूररयाक सोडचो नां. तुका म्हजे सांगाता आपवन वरुंक सगळी तयाराय कर्न आयलां. घरांत कोण्णी नांत. चल अमीं मोग कर्णारांचो दीस आचरण करयां." जीवन म्हाका उकलन घेवन बेड्डु रूमा कुशीन चमकालो.

"म्हाका भोगशी जीवन" मती बितर भोगसाणें मागलें हांवें . हात म्हजे अजून जीवनाच्या गळ्या बोंवती रेवडाल्ले.

वाट चुकोन गेल्ल्या वेचीक काळजाक जीवनान पाटीं वाटेक पर्तिल्लें वेळ उतर्च्या पयलें.

*** ००० ***

# हांव ताचो मोग करतां

गुड इवनिंग रूपा! हांवें रूपाच्या कुशीकच रेवेर कुलो तेंकलो.

हो! हाय, केदाळा आयलोय रूपान परिचीत हासो पाटयल्यो.

हांव केदाळा आयिल्लों म्हण तूं नेणांयगी? तुज्या चिंन्नांक सांगात दिललो पुरो आतां थोड्यो घडियो तुज्या चिंन्ना सागोरांतलें पाटीं येवन म्हाका सांगात दीवंक सक्षिगी रूपा.

पोक्री हासो हासलों हांव. रूपा मावन आसलें. तें बुड्चा सूरयाकच चोयतालें. रूपा, हांव एक सवाल विचारूं? हांवें च परत उलवण्याक बुन्याद घाली.

विचार! रूपान आपली दीश्ट बदलिलिना.

रूपा, आमची इश्टागत सुरू जावन सुमार अरधें वरस संपलें. तरिकी हांव तुज्या पाटल्या जिण्ये विश्यांत कितेंच नेणां. तूं कोण? खंय रावताय? कितें करताय? कित्याक रूपा हें सरव तूं म्हजे थावन लिपयताय? म्हाका तूं आपलो म्हण लेकिनांयगी? हांव रूपाच्या कपाला वयली बदलावण पारकितालों.

थंय पळे रितेश, तो तांबडो सूरयो दरयांत बुडलो. रूपान पयस बुडच्या सूरयाक बोट जोकलें.

व्हय रूपा, पूण तो फाल्यां परत उदेतलो. म्हजा सवालांक जापी दीनासतां विशय बदलुंक चिंतल्ल्या रूपाचो म्हाका राग आयलो.

खंडीत जावन रितेश. पूण, फाल्यां परयांत आमी अंधकारांत आसतल्यांवगी? ना. आनी ह्या बूडल्ल्या सूरयाक घेवन रडोन विळाप करचिंय कोणी नांत. कित्याक रातचो राय जावन आसचो चंद्रेम आनी ताचीं सांगाती तारांय थोड्याच वेळान जल्म घेतेलीं. उपरांत मनीस ह्या सूरयाक विसरतलो. व्हयमू? रितेश वोपारिनी उलयलें

रूपा. रूपा, म्हज्या सवलांक जापी दीवंक मन नातल्यार ना म्हण सांग, आशें वोपारिनी उलवन म्हजो मूड पारकिनाका.

हांवें मात्सो राग दाकयलो रूपाच्या काळजांत लिपोन आसचें सत वोंकंवच्या खातीर. रितेश, म्हजी जिणीच एक वोपार जावंक पावल्या. जर तुका म्हज्या जिण्ये विश्यांत जाणा जांवची तितलीय आशा आसा तर आयक सांग्तां. रितेश, म्हाका जल्म दिल्ल्या म्हज्या जल्म दातारांक हांवें आजून देकोंक्ना. हांवें दोळे उघडताना हांव एका महान व्यक्तिच्या वेंगेंत आसल्लीं. आनी ताणेंच म्हाका नवो जीव दिलो, म्हजो मोग केलो. ह्या संसारांत कोणच नातल्ल्या ताका हांव आस्रो जालीं. आनी अनाथ जाल्ल्या म्हाका ताणें वाट दाकयली. व्हय तोच तो म्हजो पोसको बापय, म्हजो ब्राडी डा। रेहमान, बरीं मनशां देवाक सदांच लागीं म्हळ्ळ्याबरीं हांवें म्हज्या ब्राडीक वेगिंच आदेवस मागाजय पडलो. म्हज्या मोगाचो ब्राडी परत म्हाका अनाथ करन म्हसत पयस पावल्लो. रूपा आपली तकली दोंपरांचेर लिपवन हुसकारन रडालागलें. आचानक म्हजो हात ताच्या भुजांचेर बसलो ताका समाधान करच्या खातीर. तें परत नीट जालें आनी एका लांब उदगारा सवें आपली काणी परत मुंदरिलागलें.

रितेश, आज सगळें सोडन म्हजेंच जिवीत हांव चलवन आसां. होटेल ग्रीन व्यालिंत रिसेपशनिसट जावन हांव वावूरतां. आनी हांगाच लागीं आसच्या वरकिंग विमेन्स होसटेलान म्हाका आस्रो दिला. थंय वारडन जावन आसची मिसेस मरिया पिंटो म्हजी गारडियन जावन म्हाका सांबाळता. जाणांय रितेश, लोकाच्यो खोटो खावन, भीक मागोन अनाथ जावन जियेवंक दिल्ल्या जल्मा सांगाता म्हाका अन्येक मोलाधीक देणें म्हज्या जल्म दातारां थावन लाभलां. तें कितें? म्हण आतां हांव तुका सांगचीं ना. वेळ येताना हांवच तुका कळयतेलीं. रितेश, आज परयांत ह्या सुक्या रेवेर बसोन हांव चिंत्तां. म्हज्या रचनारा कडे नानांतीं सवालां विचारतां. पूण, जाप म्हाका अजून मेळोंक ना.

रूपा, जर तुज्या ह्या कराळ जिण्येक अंत्य दींवन तुका एक बरो फुडार लाबवंक कोणी मुकार येत तर तूं ताका सांगात दिशिगी रूपा? म्हजो ताळो मात्सो कांपलो. ........... रूपा उलयलें नां.

व्हय रूपा हांव तुजो म्हसत मोग करतां. म्हज्या मोगाक तुजो मोग म्हाका पाटीं लाभतगी रूपा? हांव रूपाच्या कपालाच्यो मिरियो मेजतालों.

रितेश, तुवें म्हसत वेळ केलोय. 'हांव ताचो मोग करतां'. हांवें ताका म्हजें सरवस्व समरपिलां. तर हांव परत तुका कशें स्वीकार करूं? रूपाच्या ताळ्यांत दूक आसा या संतोस तें हांव पारकुंक सकलों नां.

रूपा. कोण तो नशीबवंत म्हण जाणा जाव्येतगी? आतां म्हज्याच कपालार मिरियो पडल्यो.

वेगिंच तुका कळतलें रूपा हासलें.

बरें तर रितेश, वेळ जालो, म्हजी वारडन म्हजी वाट राक्तासतेली. हांव चल्तां. फाल्यांचो दीस आमचो तर खंडीत परत भेट जातेली. रूपा आपलें वसतूर पापुडन म्हज्या परवणगेची गरज लेकिनासतां चल्तच रावलें. सुमार पयस पावल्लें तें परत पाटीं पळेलागलें. हांव ताकाच देक्तालों. तें परत आपले दांत दाकवन हासलें आनी आपलो हात वारयार उबवन संतोसान मुकार मेट काडिलागलें. वेळ दांवलों म्हज्याच रूपाच्या चिंन्नांनी. दीस दुस्रो बुडलो त्याच रूपाच्या बोगणांनी. राती पाशार जाल्यो ताच्याच त्या सुमधूर स्वपणानी. अशेंच जालें. उदेल्लो सूरयो बुडतालो बूडल्लो तो परत उदेतालो. पूण, त्या दिसा उपरांत म्हज्या मोगाचें रूपा, वोपारिनी उलंवचें रूपा, काळजांत दूक दांबून धरन दूसरयांक हासंवचें तेंच तें म्हजें रूपा, आयलेंच ना. नां...... हांव ताची वाट राकोन थकलों. आनी आज आक्रेक रूपाच्या होसटेलाची वाट गुड्डायलागलों.

गूड मोरनिंग मेडाम तिका पळेयिल्लेंच ती रूपाची वारडन म्हण समजोंक चड वेळ गेलो ना.

गूड मोरनिंग म्हाका पाटीं वीश केल्यारी तिच्या कपालार उदेल्ल्यो त्यो मिरियो माज्वोंक नांत. हांवें ंच म्हजी परिचय करन घेंवची सूक्त म्हण चिंतलें.

हांव रितेश, हांवें रूपाक मेळ्येतगी? मटव्यान म्हजी परिचय आनी हांवें आयिल्लो ध्येय तिका सांगलो.

हो! रितेश ये भितर ये.

तिणें म्हाका तिच्या रूमाक अपवन वेलें. पूण बागलारच म्हजे पाय स्तब्द जाले. दोळे गयरे जाले. हांव धरणीक शेवटोंक आयतो जाताना म्हज्याच हातानी म्हाका आधार दिलो. मुकार दिसच्या कदेलाक हात दीवन बसलों. बोबाट मारन रड्डाशें म्हाका भोगलें. पूण हांवें ंच म्हाका समाधान केलें. तितल्यार वारडनीन एक निळशें कागद म्हज्या तेवशीं वोड्डायलें आनी ती म्हज्या नद्रे भायर पावली. हांवें कांपच्या हातानीं तें निळशें कवर उघडलें. तांतून नितळ, सुढाळ तशेंच सोभीत अक्षरांनी आशें लिखून आसल्लें.

मोगाच्या इश्टा रितेशाक,

तुज्या मोगाच्या रूपान बरंवचें पयलें तशेंच आक्रेचें कागत. म्हजी जिणिंच विचित्र रितेश. हिंद्वांचा घरा हांव जल्माल्यारी, मुसलीं जातिचो एक महान व्यक्ती म्हजो बापय जालो. आनी आक्रेक क्रिसतांवचो म्हाका मोग दीवन एक बरो फुडार लाबवंक भायर सरलो. पूण, हांव हाका खंचाकी फावो न्हय रितेश. तूं म्हजो ईश्ट तरी हांवें तुजे थावन एक सत लिपवन दवरल्लें. म्हजा आवय-बापय थावन म्हाका लाभल्लें मोलाधीक देणें म्हळ्यार तीच ती भिरांकूळ पिडा 'एयडस'. आनी हें सत हांवें सांगल्यार हांव कोणाचीच इश्टागत जोडुंक पांवचीं ना म्हण आज परयांत हें सत हांवें सगळ्यां थावन लिपयलें. रितेश, तुज्या नितळ मोगाक धखो दीवंक म्हाका मन नातल्ल्यान हांवें ंच ह्या कराळ जिविताक एक अंत्य दीवंक चिंतलें. व्हय रितेश, हें कागत तुजा हातानी आसताना म्हजी कोड मात्ये भितर धांपून जाल्या आसतेली. हांवें तुका सांगल्लें न्हयगी? हांव ताचो मोग करतां म्हण. व्हय तोच तो म्हजो रचनार ताच्या शिवाय दूसरयांचो मोग करुंक हांव फावो न्हय. रितेश, म्हजा उत्रांनी या म्हज्या करन्यांनी तुजें काळीज दुकलां तर म्हाका भोगशी. आदेवस रितेश आदेवस...........

नीरभागी रूपा

म्हज्या परवणगेविणें म्हज्या गालां वयल्यान सराग दुकां देंवोन आसलीं. रितेश! बागलार थावन आयिल्ल्या ताळ्याक हांव पाटीं घुंवलों. रूपा, रुपांत रुपेसत तशेंच गुणांनी गिरेसत जावनासल्लें. ताची काणी आयकोन हांव शिरीं चूकल्लीं. एका बरया चल्याक रूपाक दीवन काजार करन ताणें संतोसान आसचें हांवें पळयजाय म्हण चिंतल्लें. पूण तें म्हाकाच सोडन गेलें. तिचीं उत्रां कितें म्हण म्हाका आयकानातल्लीं. हांव कदेला वयलों लोव उटलों. परत म्हजी दीश्ट फुलांचो झेलो घालन वोणतीर उमकळायिल्ल्या हासत्या मुखमळाच्या रूपाचेर खंचली. तूं म्हजो मोग करतायगी रितेश? रूपाचे वोंट हालल्ल्या बरी म्हाका दिसलें.

नां रूपा, हांव ताचो मोग करतां. म्हजी जीब हाल्ल्यारी अवाज मात्र तोंडा थावन भायर पडलो ना. हांवें परत आयिल्लीच वाट गुड्डायली नीरजीव रूपाचीं जिवीं चिंत्नां घेवन.

*** ००० ***

# रवी बुडताना.............

दरया तडीर बसोन कितेंगी चिंत्तालें रोशनी. असतमतेंत रवी बुडताना तें निजायकी बेजार पावलें तें आपणाच्या आनी रविच्या वेगळाचारा विश्यांत चिंतच्यार पडलें.

रोशनी कितें चिंतून आसाय? रवी येवन आपणा सांगाता रेंवेर बसल्लो ताका कळोंकच नातल्लें. आपापीं रोशनिच्या दोळ्यां थावन थेंबे थेंबे दू:खां देंवलीं.

रोशनी तूं रडताय? आपल्या हातांनी रोशनिचें मुखमळ घुंवडायलें रवीन.

रवी फाल्यां तूं म्हजे थावन मसत पयस पावतलोयमू? रविच्या मुखमळाकच चोयतालें रोशनी.

रोशनी, आमच्या बरया फुडारा खातीर आमी थोड्या तेंपा खातीर पुणी हो त्याग करिजय पडतलो समजयलें रवीन.

रवी, तुजेविणें हांव एक घडीय रावोंक सकचीं ना. तशें आसतां हीं लांब दोन वरसां हांव कशीं पाशार करूं? खंत उचारली रोशनीन.

रोशनी, केवल दोन वरसां. उपरांत हांव तुका म्हजी जिण्ये सांगातीण करन म्हजे सांगाता तुकाय गलफाक अपवन व्हरतलों आनी तवळ परयांत कशें पुणी करन तुवें म्हाका राकाजय रोशनी. सांग तूं म्हाका राक्तालेंयमू? हासोंक प्रयतन केलें रवीन.

जायत रवी हांव तुका राकोन रावतलीं म्हज्या अक्रेच्या घड्ये परयांत. रोशनीन रविच्या भुजांचेर तकली दवरली.

थ्यांक्स रोशनी संतोसलो रवी.

पूण रवी, हांव एक चली. अबल स्त्री. जर म्हज्या पप्पान म्हजो हात तूं येंवच्या पयलें कोणाच्या दूसरयाचा हातांत दिलो तर. रोशनिच्या कपालार मिरियो पडल्यो.

ना रोशनी अशें जावंक साध्य ना. आमच्या मोगाक कोणायवरवीं तुटवंक जांवचें ना. रोशनिविणें रवी ऊरचो ना, रवी शिवाय रोशनी आसचें ना. रवीन रोशनीक आपल्या वेंगेंत घेतलें. रवी दरयांत बूडल्लो. धरतेर काळोक फांकल्लो. भोंवतणी शीतळ वारें व्हाळतालें.

रोशनी, काळोक जावन आयलो चल हांव तुका तुज्या घरा परयांत सोडतां. रवीन रोशनीक जागयलें. दोगांय उटोन चल्लीं. एक व्याक्सी राववन रोशनी आनी रवी रोशनिच्या घरा परयांत पावलीं. घरा लागीं रवीन व्याक्सी रावयली.

रोशनी, सी यू आपटर टू इयरस मै डियर. लांब मौनते उपरांत गदगदीत ताळ्यान उलयलो रवी. रोशनी परत रडलें.

रोशनी तूं आशें रडशी तर हांव वचोंक सकचो ना. आयच्या दिसा अक्रेक हांवें तुका पळेंवचें. प्लीज, म्हजे खातीर पुणी हास रोशनी परात्तिलें रवीन.

अक्रेक रविच्या संतोसा खातीर रोशनीन आपले वोंट उसयले आनी व्याक्सेर थावन तें देंवलें.

आदेवस मोगा. बोव कश्टांनी ताच्या तोंडांतल्यान दोन सब्द भायर पडले.

बरें तर रोशनी हांव चल्तां. टेक केर रविचो ताळो परत गदगदीत जालो. ताणें व्याक्सी स्टारट करुंक ड्रैवराक हिशारो दिलो. वारयार कीस उबवन हात हालवन चल्तच रावलो रवी. रविचो हात दिसता परयांत रोशनी पळेवन उबेंच रावलें. उपरांत तें आपल्या घरा कुशीन चल्लें.

पुता रोशनी, अजीक तुमची कोलेज संपली न्हयगी?

रातच्या जेवणाच्या मेजार रोशनिच्या पप्पान उलवण्याक बुन्याद घाली. कितेंगी चिंतून जेवन आसल्लें रोशनी वासतवाक पाटीं आयलें.

व्हय पप्पा तकली हालयली रोशनीन.

फ्रेंडसाक आनी सोडुंक बेजार जाता न्हयगी रोशनी.

नाजूकायेन उलयलो अलेसाब. रोशनी मौन रावलें.

फाल्यां थावन कितें करचें म्हण खंत सुरू जाल्यागी रोशनी? अलेसाबानच मुखारसिलें.

रोशनी उलयलें ना.

पुता, तुवें अशें एक्सूरयान बसोन खंत काडची म्हाका बरी दिसाना. देकून पुता हांवें एक नीरधार केला.

अलेसाब उलवन्ंच आसल्लो. रोशनी अतुरायेन अलेसाबाचेंच मुखमळ पळेलागलें.

पुता हावें तुका काजार करचें म्हण चिंतलां.

पप्पा!!! अज्यापलें रोशनी. येदोळ परयांत पप्पान उलयिल्लें आयकनातल्ल्या भाशेन मावन आसल्लें. आनी मावन रावल्यार उपरांत पश्चात्ताप पावजय पडतेलें. आशें चिंतून ताणें उलवंक सुरू केलें

पप्पा हावें करिजय जाल्लीं कामां आनिकी म्हसत आसात. हांव इतल्या वेगीं काजार जांवची ना पप्पा. उणे म्हळ्यार दोण वरसां.... रोशनीन आपलीं उत्रां अरध्यारच खातरलीं.

पुता म्हजो भरवसो ना. आज ना तर फाल्यां हांव मोरतलों. उपरांत तुका कोण वाट दाकयता पुता? उपरांत तुका पोसतलो कोण आसा? देकुन्ंच हांव मोरचा पयलें तुजो हात कोणाच्या पुणी हातांत दीवन हांव समाधानेन मोरोंक आशेतां पुता. म्हजी अक्रेची आशायी तूं पोंत पावंवचेंनांयगी पुता.

गदगदीत ताळ्यान उलयलो अलेसाब. पप्पा अशें पुरा अपशकून उलयनाका. तूं सोडल्यार ह्या संसारांत म्हाका दुस्रो कोण आसा पप्पा परत रडोंक आयतें जालें रोशनी.

देकुन्ंच पुता, हांवें तुज्या खातीर एक बरया चल्याक तलास केला. हांवें दिल्ली भास तूं मोडचेनांय म्हण चिंतून हांवें म्हज्या इश्टाक उतार दिलां. ताच्या एकल्याच पुता सूरजाक म्हजो जांवय करतलों म्हण.

अलेसाबान एकाच उत्रान सांगोन संपयलें. पप्पा!!! बोबाटलें रोशनी. ना पप्पा, हें काजार जावंक साध्य ना. तकली पंदा घाली रोशनीन.

पुता, ल्हान थावन आवय–बापायचो मोग दीवन तुका पोसल्ल्याक हेंचगी तुवें म्हाका दिंवचें इनाम. पुता, जर तुवें कोणाचो मोग केल्यारी म्हजेखातीर तुवें ताका विसरन सूरजाचो हात धरिजय पडतलो पुता. आनी हावें सूरजाक आनी ताच्या पप्पाक दिल्लें उतर उरयजय पडतेलें. सांग रोशनी तुका तुजो पप्पा जायगी

या............. अपलीं उत्रां अरध्यार कातरन रोशनिच्या मुखमळाक चोयलें अलेसाबान.

पप्पा, हांव आतां खंचोय नीरधार करच्या परिस्थितेर ना. रोशनी उठोन आपल्या बेड्डरुमा कुशीन चमकालें.

हावें कितें करचें? रवीक सांडुंक म्हजेवरवीं खंडीत साध्य ना. आतां रवीक मेळोन म्हजी परिस्थिती ताच्यालागीं सांगच्याबरीयना. तो फाल्यां सकाळिंच्या फ्लैटार गलफाक पावतलो. म्हज्या वांट्याक आतां केवल रडणेंच ऊरलें. रवी आनी केदिंच म्हाका मेळचो ना. रवी म्हजे खातीर गलफाक पावला आनी हावेंच ताका सोडल्यार.... रवी आपणाक सांबाळुंक सकात? जर हावें रवीक सोडन सूराजाक आपणायलें तर रवी म्हाका भोगशीत? हांवें एक साधारण मनश्याक पयस लोटून ग्रेसत कुटमांतल्या चल्याक आपणायलें म्हण तो चिंतलो. पूण म्हजी परिस्थिती तो समचोंक सकचो ना. देवा ही कसली परीक्षा तुजी. हांव आतां कितें करूं. पप्पाक हावें नेगार करन रवी सांगाता चल्ल्यार तो खंडीत काळजाक धखो बसोन मोरतलो. आज परयांत हांवें म्हज्या पप्पाक कितेंच दिल्लें ना. आनी आतां आक्रेक म्हजा पप्पान म्हजे थावन विचारल्लें जर हांव दीवंक सकलीं ना, तर हांव ताची धूव जावन कायिंच फायदो ना. ना, हांव रवीक विस्रातेलीं आनी सूरजा संगिंच एक नवें जीवन सुरू करतेलीं. केवल म्हज्या पप्पा खातीर..... आनी ताणे दिल्लें उतर उरंवच्या खातीर. चिंतून चिंतून अक्रेक एका नीरधाराक आयलें रोशनी. आक्रेक निद्रादेवीनयी ताका वेंगलीं. वोरां सकाळिंची आट जाल्लीं. हळतार उटलें रोशनी.

रोशनी, गूड मोरनिंग. हासत्या मुखमाळान हातांत च्हायेचें कप घेवन उबो आसलो अलेसाब. रोशनीक विचित्र दिसलें. तें पात्येवंक सकलें ना. ताणें परत आपले दोळे चीरडिले.

रोशनी, तुजे दोळे कित्याकबा इतले सुजल्यात? च्हायेचें कप मेजार दवरन धुवेच्या बेड्डार बसलो अलेसाब. रोशनी रातभर रडलां म्हळ्ळयाक ताची दोळेच साक्स जावनासल्ले. तरी तें कितेंच उलयलें ना. मौन रावलें.

पुता रोशनी, कितें नीरधार केलायबा? अलेसाबान मोगान धुवेचें मातें पोशेलें. आतां रोशनीक कळ्ळें आपणाक दाकंवच्या ह्या अपरिमीत मोगा पाटलो स्वारत कितें म्हण. ताणें हळतार उलवंक सुरू केलें. पप्पा, हांव सूरजाची जीवन–सांगातीण जावंक तयार आसां. धरणीक पळेवन उलयलें रोशनी.

रोशनी, ऐ लव यू अलेसाबान मोगान धुवेक वेंग मारली. ताका सरगच अपल्या हाताक मेळल्ल्या तितलो संतोस जालो.

पुता, वेग्गीं भायर सरोन रेडी राव. आतां सूरज आनी ताचो पप्पा येवंक पुरो. अलेसाब अम्सरिलागलो. रोशनी उटोन बात रुमा कुशीन चमकालें.

कितें कितें हावें चिंतल्लें! हावें रवीक घेवन बांदल्लीं रावळेरां सगळीं धरणी समा जालीं. रवी म्हाका भोगशीतगी? परत रोशनिच्या दोळ्यांनी दू:खां देंवलीं. तरिकी तें मन नातल्ल्या मनान रेडी जालें. गुलोबी वरणाची साडी तें न्हेसलें. रवीक तो रंग म्हसत पसंदेचो जावन आसल्लो. आनी आपले लांब केस ताणे सोडले. निजायकी वयर थावन देंवल्ल्या अप्सरा बरी तें दिसतालें. मुखमळार चडीत मेकप नातल्यारी तें म्हसत सोभीत दिसतालें. वोरां धांक लागीं जाताना सूरज ताच्या पप्पा सांगाता येवन पावलो. अलेसाबान रोशनीक उलो मारन सयरयांक पीवन हाडुंक फरमायलें. मन नातल्या मनान ट्रेंत रेडी आसलेल्या चार पीवनाच्या ग्लासां संगीं तें सालाक पावलें. ट्रे टिपायेचर दवरन तें बापय सांगाता बसलें. ताची दीश्ट धरणीरच आसल्ली.

रोशनी, तूं कसलेंमा पयलेंच्या काळाच्या होकलेभाशेन लजेताय. तोंड उकलन मुकार जावंक आसच्या तुज्या नोवरयाक पळे रोशनी सूरजाचो पप्पा उलयलागलो. मन नातल्ल्या मनान रोशनीन तकली उकल्ली. निजायकी लाखांनी एक जावनासल्लो सूरज. सोभीत आसल्लो. म्हणध मुखमळाचो पयल्या दीश्टीनच रोशनीन सूरजाक पसंद केलो.

अंकल, हांवें थोडो वेळ रोशनी संगीं उलयेतगी? नमृतेन विचारलें सूरजान.

ना पुता सूरज, आमच्यांत काजरा पयलें होकाल, नोवरयान उलंवची रिवाज ना, सोरीं अलेसाब उलयलो. कारण, जर रोशनीक सूरजा सांगाता उलवंक सोडल्यार तें कांय आपल्या मोग करणारा विश्यांत सांगोन हें काजार चुकयत म्हण भ्यें दिसलें अलेसाबाक.

तुंय खंच्या परन्या काळाक पावलोय अलेक्स. सूरजाच्या पप्पान अलेसाबाक समजयलें. पूण ताका मन नातल्ल्यान ताणेंय चड ओत्ताय केली ना. थोडें गरजेचें उलयल्या उपरांत सूरजाचो पप्पा म्हणालो.

पळे अलेक्स. सूरजाक हफ्त्यान परत्यान गलफाक वचोंक आसा. तो येताना चडीत रजा बरवन येवंक ना खंय. देकून आमी हफ्त्या भितर खरार करन दोन–तीन महिन्यां उपरांत काजार दवरयां, कितें म्हणताय?

सूरजाचो पप्पा म्हसत संतोसान आसल्लो आपणाक एक चंद्रा तसली सून मेळता म्हण. जायत तुवें सांगल्ल्या बरीच जांवदी अलेसाब उलयलो. दीस गेले. रोशनिचें सूरजासंगीं खरारयी जालें आनी सूरज पाटीं गलफाक उबलो. रोशनीय

संतोसान आसलें. पूण काळजाच्या एका कोनश्यांत आपलें रवीक घात केलो म्हण कांतयतालें. पूण तेंय कितें करतेलें? परिस्थितेन ताका सूरजाचो हात धरुंक म्हजभोर केल्लें.

दीस गेले, हफ्ते उबले. म्हहिनेय सरले. सूरज गांवाक पाटीं आयलो आपल्या इश्टां सांगाता. काजराचो दीस लागीं पावलो. रोशनीन रवीक खबर तिळसियां म्हण चिंतलें. पूण रोशनिकडे रविचो एड्रेस या फोन नंबर कितेंच नातल्लें. हांव जें करतां तें समांगी? रविच्या मोगाक हावें पयस लोटलें. रवी खंडीत म्हका भोगसुंचो ना. इतलो तेंप जाल्यारी रवीक तें विस्रोंक सकोंकनातल्लें. कितेंय जांव उदकांत देंवल्या उपरांत हिंव खाता म्हळ्यार जातागी? म्हण चिंतून घट नीरधारान तें आपल्या काजराच्या दिसाक राकोन रावलें.

आज उदेल्लो रोशनिच्या जिण्येचो श्रेषठ दीस. रोशनीक आज अन्येक घर उज्वाडावंक आसल्लें. धोव्या ड्रेस्सार म्हसत सोभतालें रोशनी. विवीध भोगणां ताचा मतिंत घेवन सुंरगारायिल्ल्या कारार पांय दवरलो रोशनीन. कार इगरजेचा बागलार रावलें. कारार थावन पाय सकयल दवरताना घुडगडो, जगलाणे एकाच्छाणे आपल्या मात्याक मारल्लो अनभव जालो रोशनीक. व्हय, देडो जावन सोभीत बुक्क्या सांगाता रावोन आसल्लो तोच तो रवी रोशनिचे हात–पाय कांपोंक लागले. पांच मिनुटां लागलीं ताका आपणाक सांबाळुंक. उपरांत तें आपणाकच सांबाळून कारार थावन सकयल देंवलें. आतां रवी मुकार आयलो आनी हासत्या मुखमळान ताणें बुक्को रोशनिच्या हातांत दिलो आनी एक सोभीत कीस रोशनिच्या गालांचेर दांबलो. रोशनीक दूक उमाळोन आयलें. पूण आतां रडचें बरें न्हय म्हण चिंतून ताणें काळीज घट केलों. सगळ्या मिसार रोशनी चिंत्तालें रवी आपुण्ंच सूराजाची वोकाल म्हण जाणासल्लोगी? जाणासल्लो तर ताणें हें काजार कित्याक आडावंक ना? नानांतीं चिंत्नां ताच्या मतिंत घुंवालागलीं. पूण कोण ताच्या सवलांक जापी दितलो?

थोड्याच वेळान काजरा माटवांत तीं रिगलीं. सगळें संपल्या उपरांत आयेराची सरती आयली. सरवांचो अयेर जाल्या उपरांत अक्रेक रवी मुकार आयलो. एक व्हडलो मोटो फुलांचो झेलो ताणे रोशनिच्या आनी सूरजाच्या गोमत्याक घालो आनी सूरजाच्या बोटांक एक सोभीत मुदी शीरकायली. उपरांत ताणें रोशनिच्या हाताक हात मेळवन आशें म्हणालो:

वीश यू बोत ए हेप्पी मेरीड लैफ.

काळजांतलें दूक दांबून धरन कश्टांनी ताणें वोंटार हासो हाडल्यो. तो दीस संपलो. रोशनी आपल्या बापायक आनी सयरयांक आदेवस मागोन सूरजा संगीं चल्लें. तेंच सुंरगायिल्लें कार एक व्हडल्या बोंगल्या समकार रावलें. थंय ताका बरो स्वागत लाबलो. थोडो वेळ बसल्या उपरांत तें ड्रेस्स बदलुंक ड्रेस्सिंग रूमाक पावलें. तें रूम निजायकी म्हसत सोभीत करन सुंरगायिल्लें. लागिंच आसल्ल्या मेजार एक व्हड सयत फुलांचो बुक्को आसल्लो. रोशनी त्या फुलांच्या बुक्क्यासरशीं पावलें आनी तो बुक्को ताणें हातीं घेतलो. तांतल्यान एक ल्हान चीट सकयल पडली. बुक्को ताणे थंयच दवरलो आनी चीट उबली. तांतू आशें लिखून आसल्लें: मोगाच्या रोशनीक,

रोशनी, सूरज, एक बरो चलो. तो म्हज्या ल्हानपणाचो सांगाती आनी ताणेंच म्हका गलफाक आपवन व्हेल्लें. ताचे काळीज म्हसत नाजूक रोशनी. तें केदिंच दू:खयनका. ताणें म्हाका त्या दीस तुजो फोटो दाकवन हीच म्हजी वोकाल म्हणताना हांव शिरीं चूकल्लों. पूण म्हज्याकी वरतो चलो रोशनीक मेळतलो आनी तुका अक्रेच्या घड्ये परयांत संतोसान दवरतलो म्हण चिंतून हांव संतोस पावल्लों.

तुज्या वांट्याक तुजो रवी बुडला आनी आयच्या उपरांत तुवें सूरजाक सांगात दीवन हें घर उज्वडायजय म्हण म्हजी आशा रोशनी. म्हाका तूं विसर. आनी एक उतार, सूरजाक केदिंच कळोंक न्हजो तूं म्हजो मोग करतालेंय म्हण. म्हजे थावन कितेंय चूक घडल्या तर म्हाका भोगसी. आज बूडल्लो हो रवी आनी केदिंच उदेंवचो ना. परत तुमकां एक बरें काजरी जिवीत आशेतां.

नीरभागी रवी.

कागत वाचून लागशिल्या कदेलार कोसाळ्ळें रोशनी. दू:खां उमाळोन आयलीं. तें हुसकारन हुसकारन रडलें.

पप्पा खातीर हावें रवीक घात केलो चिंत्तालें रोशनी. आनी चिंतून फायदो नातल्लो. वेळ उतरल्लो. बूडल्ल्या रवी विश्यांत चिंतच्या प्रास उदेल्ल्या सूरजाक सांगात दीवंक नीरधार केलो रोशनीन.

*** ooo ***

# मोगाची विंचवण

सूरयाचीं मोव कीरणां म्हज्या गालांचो उमो घेताना म्हाका जाग जाली. हांव उटोन बसलीं देगेक पळेयताना अवील मुदो जावन अविनाशाच्या वेंगेंत नीदल्लो. वोणतीर आसच्या आल्तारीक पळेवन हांवें म्हळें धन्या देवा, जशी बरी रात दिल्याय तसो बरो दीस दी देवा. उपरांत हांव उटोन कुजना कुशीन चमकालीं.

वोरां नोवांक लागीं जाताना अवील इसकोलाक आनी अविनाश आफीसाक भायर सरले.

मम्मी, हांव वेतां मम्मी. अविलान म्हज्या पोल्याक कीस दांबलो.

निशा, हांवय चल्तां. आज एक अरजेंट मीटिंग आसा. येताना इल्लो वेळ जातलो तरी वेग्गी येवंक प्रेतन करतां. मधूर हास्यासवें अविनाश मेटां देंवलो.

बापूय–पुताची वाट दिसता परयांत हांव तांकांच पळेवन रावलीं. कितलो नितळ आनी निसकळ मोग अविनाशाचो. हांव ह्या मोगाक बिल्कूल फावो न्हय. एक लांब स्वास सेवलो हांवें ः. तितल्यार फोन अवाजलें. लागीं वचोन हांवें रिसीवर हातीं घेतलें.

हलो कोण उलयता तेवशिल्यान थावन परिचीत ताळो आयकालो. हांव निशा उलयतां तूं कोण? हांवें विचारलें आतुरायेन.

निशा, हांव विनोद उलयतां, आज सांजेर चार वोरार आमी पयलें मेळोन आसल्ल्या त्या तळ्यालागीं येवंक सक्षिगी, प्लीज निशा, हांव तुज्या खातीर राकोन रावतलों. एकाच उन्नान सांगोन विनोदान रिसीवर पाटीं खिळायलें.

विनोद!!! पाटीं आयला! हांव लागीं आसल्ल्या कदेलाचेर गळ्ळीं. म्हज्या हातांतलें रिसीवर अपापिंच सकयल गळ्ळें. म्हजी मत स वरसां पाटली म्हजी कराळ जिणी नियाळुंक लागली.

विनोद, तूं म्हजो मोग करतायमू? म्हज्या उसक्यार नीदल्ल्या विनोदाक हांवें सवाल केलें.

कित्याक निशा तुका दुबावगी? इतले दीस नातल्लें सवाल आज कित्याक विचारलेंय? विनोदान अज्यापान म्हाका चोयलें.

विनोद, लिपोन खेल्लें आतां संसाराक कळचे दीस आयल्यात विनोद. हांवें म्हजी दीश्ट विनोदा थावन बदलिली आनी पयस बुडच्या सूरयाक हांव पळेयलागलीं.

हें तूं कितें उलयताय निशा. विनोद नीट जालो. व्हय विनोद हांव तुज्या भूरग्याची आवय जांवच्यार आसां. हांव उटोन उबी रावलीं.

कितें!!! विनोद अज्यापलो. विनोद, तूं म्हजो हात सोडचोनायमू? हांवें विनोदाचो हात घ ` धरलो.

निशा, तुका म्हजेर तितलोय भर्वसो नांगी? हांव खंडीत तुका सोडचोना. पूण निशा, आतां हांव ह्या विश्यांत म्हज्या आवय–बापायक सांगच्या परिस्थितेर ना. थोडे दीस तुका राकाजय पडतेलें निशा. विनोद खंतीश्ट जालो.

विनू, हांव तुज्या खातीर कितलो तेंपयी राकोंक तयार आसां. पूण म्हाका ह्या समाजेचें भ्यें दिसता विनोद. म्हज्या दोळ्या थावन दोन थेंबे दुकां धरणीर गळ्ळीं.

निशा, तूं रडताय? हांव आसताना तुवें कोणाकच भियेंवची गरज ना निशा. विनोदाचीं बोटां म्हज्या गालांचेर भोंवलीं.

निशा, काळोक जालो चल निशा, तुजो पप्पा तुका राक्ता आसतलो. हांवयी चल्तां. निशा, फाल्यां मेळ्यां. विनोद हात हालवन चल्लो. तो मसत पयस पावल्लो तरी ताचो हात मात वारयार धल्तालो.

हांव थंयच कुसकोन बसलीं.

आतां गेल्लो विनोद परत पाटीं येत? तुका आपली जीवन सांगातीण करीत? या तुवें सगळी जिणी अशीच दुकां गळवन सारिजय पडात? म्हज्या अंतसकरनाच्या ह्या सवलांक म्हजेकडे जाप नातल्ली. आसल्ली तर फकत दुकां. हांव रडलीं काळीज हळू जाता परयांत रडलीं, तकली दोंपरांचेर लिपवन, थोड्या वेळान तकली उकलून पळेयताना कालोक दाट जाल्लो. दोळ्यांनी देंवचीं दुकां पुसून हांव घरा तेवशीन चमकालीं.

दीस गेले, हफ्ते उबले आनी म्हहिने सरले. हांव विनोदाक राकोन थकलीं. विनोद आयलो ना. आतां म्हज्या अंतसकरनाच्या सवालांक म्हजे थंय जाप आसली.

हांव रडतालीं पूण म्हाका थांबयतेलीं कोण्ंच नातल्लीं. कारण म्हजी मम्मी हांव ल्हान आसतानांच म्हजे थावन मसत पयस पावल्ली. पप्पाक सोरो सोडल्यार दुस्रें कितेंच दिसानातल्लें. हांवें हें सत पप्पाक आनिकी कळवंक नातल्लें.

हें सत ह्या समाजेक कळच्या पयलें आमच्या मोगाक साक्स जावन आसल्ल्या त्या तळ्याकच म्हजो जीव समर्पुंचो म्हण हांवें चिंतून मेटां देंवताना, म्हजो पप्पा म्हाका एक संतोसाची खबर घेवन मेटां चडतालो.

पुता, फाल्यां तुका पळेवंक चेड्वागेलीं येतात. तुवें घराच रावोंक जाय, कळ्ळेंमू. पप्पा आज इल्ल्या संतोसान आसल्लो. आतां हांवें नीज गजाल पप्पाक कळयनासतां दुस्री वाट नातल्ली.

पप्पा, हांव काजार जायना हांवें धयर घेवन तोंड उघडलें.

मागीर केदाळा म्हातारें जाल्ल्या उपरांत जातलेंयगी? तोंड धांपून हांवें सांगल्लें आयक. ल्हान थावन आवय आनी बापयचो मोग दीवन वाडयिल्ल्याक हेंचगी तुवें दिंवचें इनाम? पप्पा गरजालो.

हांव जाणासल्लीं ल्हान थावन पप्पान म्हाका कितल्या मोगान वागयलां म्हण देकून हांव ओगेच रावलीं ना.

पप्पा, हांव खंडीत हें काजार जांवचिना हांव हठ करिलागलीं.

नीज घडीत सांगल्यार थंयच म्हाका तो जिविशीं मारतलो म्हळ्ळें हांव जाणासल्लीं.

तर म्हजेंय उतार आयक, तुका आसता परयांत शीत घालुंक म्हाका जांवचें ना. निकळ हांगा थावन. ल्हान थावन मोगान वाडयिल्ल्या म्हज्या पप्पान सोरयाचा आमालान म्हाका घरा थावन भायर लोटलें.

हांव गेलीं त्या तळ्यालागीं. थोडो वेळ सगळें चिंतून बसोन रडलीं. उपरांत देवालागचें बोगसाणे मागोन उडी मारुंक पळेयताना म्हज्या बावळ्यांक धरन कोणेंगी म्हाका पाटीं वोडलें.

म्हाका कित्याक वांचयलेंय. म्हाका मरोंक जाय. सोड म्हाका हांव ऊरडालीं. पूण ताणे सोडलें ना.

पळे, मरण्ंच कश्टांक परिहार जावनासल्लें तर ह्या संसारांत इल्लेशे कश्ट येतानांच मनीस जीवघात करता आसल्लो. तूं एका शिकपी चलियेबरी दिसताय. असलें भिवकुरें काम करुंक तुका लज दिसानांगी? चल. घरा वच. बरें करन चिंतून मुकलें मेट काड. त्या तरनाट्यान म्हाका समजयलें.

म्हाका ह्या संसारांत म्हजीं म्हळ्ळीं कोण्ंच नांत. हांवें तकली पंदा घाली.

बरें जालें. म्हाकाय ह्या संसारांत म्हजीं म्हळ्ळीं कोणी नांत. चल, हांव तुका आस्रो दितां. त्या तरनाट्यान म्हजो हात धरन म्हाका तांगेर आपवन व्हेलें. म्हजी सगळी काणी आयकाल्ल्या उपरांती ताणे म्हजेलागीं लग्न जांवचो नीरधार केलो. आमचें लग्न जालें. व्हय तो तरनाटो दुस्रो कोणी न्हय. नितळ काळजाचो, विशाल मनाचो म्हणध अविनाश.

वोरां दोनपारांची बारा मारताना हांव चिंन्ना सागोरा थावन वासतवाक पाटीं आयलीं.

निशा, विनोद तुजो पयलो मोग आनी अवीलय विनोदाचेंच फळ आनी अविलाक हें सत कळताना तो तुका खंडीत द्वेषितलो. देकून तूं अविनाशाक विस्रोन विनोदाकच आपणाय. जाल्लें सरव एक पाड स्वपाण म्हण विसर. हांतुंच तुजें बरेंपण आसा म्हजें अंतसकरन उलवंक लागलें.

निशा, अविनाशान तुका जिवीत दिलें. पूण विनोदान तुका कितें दिलें? काळोकांत तुका सास्पोंक सोडून तो चल्लो. तुज्या वाटेक उज्वाड दाकवन तुजो हात धरन चलयिल्लो तुजी पती अविनाश. ताच्या ह्या नितळ मोगाक तूं कितेंच दीवंक सकलेनांय. आनी आतां ताच्या त्या नितळ मोगाक घात करचो अधिकारयी तुका ना निशा. विनोदाक विसरन अविनाशा सांगाताच एक नवी जिणी आरंभ करन निशा, हांतुंच तुजें बरेंपण आसतेलें. म्हज्या अंतसकरनाचो आन्येक ताळो म्हाका समजयतालो. म्हजी मत देदेस्परार जाली. हांव बेडरूमाक वचोन खाटीर वोमतें पडोन रडोंक लागलीं. पूण म्हाका समाधान जालें ना.

वोरां तीन मारताना हांव एकाच्छाणे उटोन भायर सरलीं. म्हजीं भारादीक कदमां तळ्या तेवशीं चमकालीं. हांव थंय पावताना विनोद तवळच येवन उदकाक फातर उडवन म्हजी वाट राक्तालो.

निशा तूं आयलेंय! तो रडतालो म्हळ्ळ्याक ताचे दोळे साक्स जावन आसल्ले. ताणें म्हजे थावन तोंड घुंवडायलें. आपलें दोळे पुसलें आपलीं दुकां लिपंवच्या खातीर.

विनोद, रडजाय जाल्लें हांवें. तूं कित्याक रडताय, विनोद? हांवें विनोदाचें मुखमळ चोयलें.

तर निशा तुवें आनिकी म्हाका भोगसुंक नांयगी? विनोदाची दीश्ट प्रश्नारतक जाली.

तूं भोगसाणे मागोंकी फावो न्हय, विनोद कितें सांगोंक आसा तें वेग्गीं सांग म्हाका वेळ जाता. हांव गंभीर जालीं.

निशा, हांवें केल्ल्या पात्काक हांवें जाय तितलें प्रायश्चीत केलां निशा. देकुन्ंच हांव आतां अंदकारांत जियेवन आसां. म्हाका तुजे थंय एक आशेचें कीरण दिसलें. देकून हांवें तुका हांगा आपयलें निशा. उपरांत तूं खंडीत म्हाका भोगशितलेंय म्हळ्ळो भरवसो म्हाका आसा.

विनोद म्हज्या मुखमळाकच चोयतालो. हांव मावन रावलीं.

निशा, त्या सांजेर हांव तुका मेळोन घरा पाटीं वेताना म्हाका एक अज्याप राकोन आसल्लें. हांव म्हज्या भयणिचो मसत मोग करतालों आनी तें एका चल्याचो मसत मोग करतालें आनी जर ताचें काजार त्या चल्यालागीं जायनां तर आपूण जीवघात करतेलीं म्हण हठार पडल्लें आनी जर म्हज्या भयणीन त्या चल्यालागीं काजार जायजय जाल्यार त्या चल्याच्या भयणिकडे हांवें काजार जायजाय आसल्लें. म्हाका खंची वाट विंचिजाय म्हळ्ळें सुसतानातल्लें. अक्रेक हांवें तुका विस्रोन ताच्यालागीं काजार जांवचो नीरधार केलो. पूण ताची सवय बरी नातल्ली. देकून म्हसत सयरिको ताका येवन ताचे गूण बरे नासताना पाटीं गेल्ल्यान तांकां एक बरी वाट दीसल्ली. म्हज्या आनी तुज्या फुडाराक उजो लांवची. विनोदान अरद्यार रावोन म्हजें मुखमळ पळेलें. हांव आश्चरयान ताकाच चोयतालीं.

इतलेंचगी! तर आतां तूं आनी तुजी भयण मसत खुशेन दीस सारून आसात न्हयगी? हांवें परत विनोदाचें काळीज दुकयलें.

निशा, इतलेंच जाल्लें जाल्यार कितलें बरें आसल्लें. आमचें काजार जाल्या उपरांत हांव म्हज्या पप्पाचें बिझिनेस सांबाळुंक बोंबय पावली. पप्पाक काळजाची पिडा आसल्ल्यान ह्या म्हातारया प्रायेर ताणें काम करचें समा न्हय म्हण चिंतून ताका हांवें घरा धाडलें. पूण दीस वेतां वेतां म्हजे पयशे खावन म्हजी बायल आनिकी पाड जालें. वाटेर वेतेल्यांक घरा आपयतालें आनी म्हज्या पप्पाक उपाशीं घाल्तालें आनी म्हज्या पप्पानयी म्हाका कितेंच तिळसुंक नातल्लें आनी आक्रेक पप्पा कोनशाक पडलो आनी मोरच्या दोन दिसां पयलें म्हज्या पप्पान म्हाका एक सुढाळ कागत बरवन धाडलें आनी आतां म्हज्या बायलेचो नाटक सगळो म्हाका कळल्लो. गांवाक वचोन म्हजें सरवस्व नास केल्ल्या त्या देंवचाराक दोन कुडके करन जिवेशीं मारतलों म्हण चिंतून हांव गांवाक भायर सरलों. पूण हांवें मसत

वेळ केल्लो. म्हज्या पप्पाची नीरजीव कूड पळेंवचें भाग समेत म्हज्या नशीबान म्हाका दीवंक नातल्लें. म्हज्या गांवच्या लोका थावन म्हाका कितें कितें आयकोंक मेळ्ळें. इतलें जाल्यारी सोसून वोगेच आसल्ल्या म्हज्या पप्पाक चिंतून हांव कळवळ्ळों. पूण कितें करूं, वेळ उन्राल्लो. आनी त्याच रातीं म्हज्या बायलेची हांवें खून केली.

उपरांत म्हजो संसारच काळोकाचो जालो. पोलिसांक दुबाव जाल्यारी हांवें जीवघात म्हण सांगोन नाटक केलो. पोलिसां थावन बचाव जाल्लो हांव म्हज्या जिण्येच्या झुजांत सलवल्लों आनी आतां आक्रेक हांवें केल्लो नीरधार म्हळ्यार सगळें तुका सांगोन तुजेकडचें भोगसाणे मागोन म्हजो फुडार उज्वाडांवची भीक तुज्यालागीं मागची. ना तर आपणाकच पोलिसांक ओप्सून जिणिभर जयलाचें शीत खांवचें. सांग निशा तूं म्हज्या जिवितांत परत दिवो जावंक खुशी व्हरतायगी? निराशेन विनोद म्हाका पळेयलागलो. म्हज्या दोळ्यांनी दुकां देंवतालीं.

विनोद, हांव आतां खंचोय नीरधार करुंक सकची ना. फाल्यां नोव वोरार तूं आमगेर ये. तवळ हांव म्हजो नीरधार तुका कळयतेलीं. हांव चल्तां. हांव पंदा पळेवन चल्तच रावलीं. विनोदाच्या मुखमळार संतोसाचो छारो उदेल्लो. तो फाल्यांच्या दिसाक सपणेवंक लागलो.

हांवें घरा पावताना अविनाश वेगिंच येवन सोफासिटीर पेपर घेवन बसल्लो. हांव ताच्या मुकल्या सोफासिटीर वचोन बसलीं.

अविनाश, हांव खंय गेल्ली म्हण विचारिनांय. हांवें विचारलें मात्सें भियेवन.

निशा, ह्या घरांत तुका कितेंय करचें स्वतंत्र आसा. आतां वेग्गीं वचोन म्हाका एक कप कोफी हाडतायगी? अविनाश हासलो. म्हज्या मोगा मुकार अविनाशाचो म्हणध मोगच जीकल्लो.

वोरां पाशार जालीं. अविलाक वेग्गीं वाडन निदायलें. उपरांत आमी जेवणाक बसल्यांव.

अविनाशा कडेन म्हाका गरजेचें उलवंक आसल्लें. कशें सुरू करचें म्हळ्ळेंच हांव चिंतून आसल्लीं.

अविनाश हांवें आपयलें.

कितें? जेंवचें राववन म्हाका चोयलें अविनाशान.

अविनाश, विनोद पार्टी आयला आनी आज हांव ताकाच मेळोंक गेल्लीं. हांवें भियेवन्ंच उत्रां विंचलीं.

.... अविनाश आपणें कितेंच आयकोंक ना म्हळ्ळेबरी जेवाण करीत आसल्लो.

अविनाश, तो परत म्हजेलागीं काजार जावंक आशेता. ताणे आपली सगळी काणी म्हाका सांगली. निजायकी बीरमत ताची. काळोकाची जिणी सारीत आसा बावडो. हांवें अविनाशाच्या मुखमळार कितें पुणी बदलावण जातागी म्हण ताकाच चोयलें. तो जेवाण संपवन नीट बसलो.

पळे निशा, मात्येंत पडल्लें मोतीं हांवें विंचून तें हांवें सांबाळन दवरून हांवें ताची जतन केली. आनी आज त्या मोत्याचो वारेसदार येवन म्हजेलागीं विचारताना हांव खंच्या तोंडान ना म्हणूं. निशा, तुका तुज्या भविश्या विश्यांत नीरधार करचें हक्क आसा. आनी नीज सांगचें तर म्हाका तुज्या वयर कितेंच अधिकार ना. निशा तुका मन आयिल्लेबरी तूं कर. निशा, हांव ह्या संसाराक येतानाय एकलोच आसल्लों. म्हज्या बगलेक कोणी नातल्लीं. व्हड जालोंय एकलोच आनी आतां एक जीवन सांगातीण म्हाका मेळ्ळी म्हण संतोस पावताना त्या विधीक हो संतोस पळेवंक तांकलेना. आनी हांव जाणां हांव परत एक्सुरों जातलों अविनाशाचो ताळो गदगदीत जालो. तो शीदा बेडरूमा कुशीन चमकालो.

हांव रडलीं. हांव परत सलवालीं अविनाशाच्या मोगा म्हका. कश्टांनी हांवें ती रात पाशार केली. दीस उदेलो. तो दीस आयतार जाल्ल्यान अवील आनी अविनाश दोगी उटोंक नातल्ले.

अविनाश न्हाण संपवन भायर येताना वोरां नोव मारलीं. तितल्यार कोलबेल्लाचो आवाज आयकालो. हांवें अविनाशाकच दार उघडुंक धाडलें आनी हांव कुजनांतच रावलीं. अपरिचीत तरी अविनाशान विनोदाक हासकुरो स्वागत दिलो.

निशा तुका मेळोंक कोणगी आयला पळे. म्हण म्हाका उलो मारिलागलो अविनाश.

हांव दोन कप्प च्हाये सांगाता भायर आयलीं.

च्हायेचीं कप्पां दोगांच्या हातांत दीवन हांवें तांकां एकामेकाची परिचय करन दिली.

विनोद, हो अविनाश म्हजो नोवरो.

आनी अविनाश, हो विनोद तितलेंच हांवें सांगलें.

हो! तुमी उलया हांव चल्तां. विनोद म्हळ्ळें नांव आयकालेंच उटोन उबो रावलो अविनाश.

अविनाश, विनोद म्हजो नीरधार आयकोंक आयला आनी तूं उटोन भायर सरलोय. हांवें अविनाशाचो हात धरन म्हजेलागिंच ताका बसयलें.

पयले पावटीं हांवें अविनाशाक आपडल्ल्याक तो शोक मारल्ल्याबरी तटस्थ जालो.

विनोद, हांव तुका एकच एक सवाल विचारतां. उपरांत हांव म्हजो नीरदार तुका सांग्तेलीं हांवें म्हळें.

दोगांच्यो आतुरायेच्यो दीश्टी म्हाका चोयताल्यो.

विनोद, जर तूं म्हज्या जाग्यार आसल्लोय तर तूं कोणाक विंचतो आसल्लोय?

निशा, हांव खरया आनी फटकीरया मोगाचें तुलन करन खरया मोगाकच विंचतो आसल्लों. विनोद म्हणालो हासोन.

विनोद, वेर्रिगूड; तुवें समां जवाब दिल्याय आनी अबळे हांवें 'य तेंच केलां. व्हय विनोद, हांवें खरया मोगाची विंचवण केल्या, हांवें म्हळें.

म्हळ्यार विनोद आतूरलो. पूण अविनाश आपली दीश्ट धरणीर लावन मावन बसल्लो.

विनोद, काळोकांत म्हजो हात सोडन म्हाका थंयच सास्पोंक सोडून, मुकार पावल्ल्या मोगाक सोडन, काळोकांत म्हजो हात धरन म्हज्या वाटेक दिवो दाकवन पोंत पावयिल्ल्या मोगाची हांवें विंचवण केल्या. व्हय, हांवें म्हज्या पती अविनाशासंगीं एक नवी जिणी सुरू करचो नीरधार केला विनोद. हांवें लोव उत्रां संपयलीं. अविनाशाचें काळीज संतोसान नाचतालें. ताचें मुखमळ एकाच्छाणे प्रजळ्ळें. आपल्या दोळ्यांक आनी आपल्याच कानांक तो पात्येना जालो. विनोदाचें मुखमळ सगळें बावोन करपोन गेलें. कितेंगी चिंतून आयिल्ल्या विनोदाक कितेंगी मेळल्लें. विनोद वचोंक म्हण उटोन रावताना भायल्यान पोलीस जीप येवन रावलें. विनोद आनी अविनाश अज्यापान म्हज्या मुखमळाक पळेवंक लागले.

विनोद, तुजी नीज काणी हांवें पोलिसांक सांगोन हांवें 'च तांकां आपयिल्लें. विनोद, तुज्या भविश्याच्या नासाक हेंच कारण. आज तुजें निशा जिवंत आसा तर ह्या अविनाशावरवीं.

देकून तुवें हें कशें चिंतलेंयकी म्हाका घात केल्ल्या तुज्या सांगाता हांव परत येतेलीं म्हण. विनोद, मुकल्या जल्मांत पुणी एक बरो व्यक्ती जावन जल्म घे. हीच

म्हजी आशा. तितल्यार इन्सफेकटर घरा भितर पावल्लो. खडो विनोदा मुकार धरन तो म्हणालो.

मी। विनोद, यू आर अंडर अरेसट.

इन्सपेकटर इल्लो वेळ राव. वेच्या पयलें हांव एक बरें काम करुंक आशेतां. लागीं येवन रावल्ल्या अविलाक उकलन दोनी पोल्यांक विनोदान कीस दांबलो आनी अविनाशाचो हात निशाच्या हातांत दीवन तो इन्सपेकटरा कुशीन घुंवलो. आपले हात इन्सपेकटरा मुकार धरन इन्सपेकटर ऐ आम रेडी. विनोद म्हणालो हासोन.

म्हाका दूक उमाळोन आयलें. अविनाशाक पळेतां तर ताच्या दोळ्यांनीय दुकां देंवतालीं. कितेंच नेणासल्लो अवील सगळ्यांची मुखमळां चोयतालो. अविनाशाक निजायकी सरग मेळल्ल्या तितलो संतोस जाल्लो. हात हालवन्ंच हासकूरया तोंडान विनोद जिपार चडलो.

आज उदेल्लो सूरयो अविनाशाच्या जिण्येंत संतोस आनी उज्वाड आनी विनोदाच्या जिण्येंत काळोक हाडन आयिल्लो. म्हज्या जिण्येंती एक नवो अवस्वर सुरू जाल्लो. हांवें म्हजी आदली जिणी विसरन एक नवी जिणी सुरू करुंक चिंतल्लें. दुस्रो दीस उदेल्लो. पेपर वाचून आसल्लो अविनाश एकाच्छाणे नीट जावन म्हाका आपयलागलो.

निशा, हें वाच अविनाशान पेपर म्हज्या मुकार धरलें. तांतूं दाट अक्षरांनी बरवन आसल्लें.

जयलाच्या भद्र सरळां भितर कराळ जिण्येचें अंत्य.

व्हय विनोदान आपल्या काळोकाच्या जिण्येक एक अंत्य दाकयिल्लें.

*** ००० ***

# संपल्ली काणी

एमरजेन्सी वारडाभायर रित्या बांकार आपली तकली धरणीक तेंकून म्हज्या कराळ जिण्येचीं चिंतां आटयतलीं हांव.

काजारा पयलें स्वतंत्र सुकण्याबरी कितलीं खूश आसल्लीं हांव. व्हडांगेलो चलो म्हण पप्पान म्हाका बेब्याच्या गोमट्याक बांदून म्हाका आदेवस मागलो. काजारा आदीं कितलीं सपणां हांवें देकल्लीं. पूण काजाराच्या पयले रातिंच सगळी चूरान चूर जाल्लीं. सासुमांयचे आनी घोवाचे करकरे सोसुंक तांकानासतां घर सोडन धांवोंक चिंतल्यारयी खंय वेचें? पप्पा सरल्या उपरांत कुळारचें दार म्हज्या वांट्याक धांपल्लें. मेटां मेटांनी म्हाका कश्टून म्हजी सासुमांय देवाक मोगाची जाल्ली. म्हाका ह्या संसारांत म्हज्या पती स्टीवना शिवाय दुस्रो कोणच नातल्लो. आनी कितले धके हांवें सोसल्यारयी दाक्तेरान स्टीवनाक स महिन्याचो वायदो दिताना

हांव म्हाकाच सांबाळुंक सकोंक ना. 'कितेंय जांव स महिन्यां उपरांत तरयी हांव स्वतंत्र जातलीं' हांव चिंत्तालीं आनी आज तो दीस उदेल्लो. म्हजे जिणियेंतले कश्ट संपल्ले. मिसेस आशा रोड्रिगस, तुज्या पतीक मत आयल्या. पूण ताच्या वांट्यांक आनी थोड्योच घडियो ऊरल्यात. तुका कितें उलवंक आसा तें उलव्येत. सिस्टरीन भायर येवन सांग्ताना हांव चिंत्नां सागोरांतलीं वासतवाक पाटीं आयलीं. सूजल्ल्या दोळ्यांनी हांवें सिस्टरीक चोयलें आनी सिस्टरिचो पाटलाव केलो. तिणे म्हाका स्टीवनाच्या खटल्यासर्शी पावयलें.

आ...शा! हांव लागीं पावल्लेंच म्हजे हात आपल्या हातांनी घेवन मसत कश्टांनी उत्रां विंचिलागलो स्टीवन.

आतां, हां...व भोगसाणें मा... गों...क फावो न्हय तरयी आशा, सा...ध्य तर म्हाका भोगशी... म्हजेलागीं का...ज...र जावन एका दी...साचें सूख तूं...वे... लेकल्लांय... म्हजी मानसीक परी...स्थी...ती समा नातल्ली आतां.... खंच्या दिसा म्हाका कळ्ळें...गी हां...व मो...रतां म्हण सगळ्यां वयर म्हाका राग... ये...तालो. आता,... आयच्यान तूं स्वतंत्र. एका बरया चल्याचो हात धरन तुजी ऊरल्ली जी...णी सुफळ कर. तवळ तूं...वे म्हा...का भोगसिलेंय म्हण... हांव पात्येतां... म्हजे खा...ती...र ऊरल्ली जी...णी एक्सुरी सारिनाका आ... आ...शा... स्टीवनान तकली आड घाली. म्हज्या हातांतलो स्टीवनाचो हात सकयल गळ्ळो. हांव आनीकयी वोगीं आसल्लीं. म्हजे हात आपापिंच स्टीवनाच्या दोळ्यांचेर बसले, उग्ते आसल्ले ताचे ते दोळे धांपच्या खातीर. आकेरीक पूणयी समजणेचीं उत्रां उलयलो हांव संतोसलीं. तितल्यार सिस्टर भितर सरली. म्हजें मुखमळ पळेवन अज्यापोन तिणे अशें विचारलें.

पळे, मिसेस आशा. मनांतलें दूक मनांतच दांबून धरच्यापरास रडल्यार मन हाळू जाता.

सिस्टर, रडोन मन हाळू करुंक म्हजेलागीं आसल्लीं दुकां एदोळच संपल्यांत हांव थंय थावन चल्तच रावलीं.

***

पाशार जाल्ल्या वेळा सांगाता दीस तशेंच राती उबताल्यो. व्हय स्टीवन सरोन आजीक सात दीस संपल्ले. इतल्या व्हडल्या घरांत एका विदोव स्त्रीयेक दीस सारुंक कश्ट मारताले. पूण हांवें धयर सांडलें ना. म्हजे जिणियेंत कितेंच घडोंक ना, जाल्लें सरव एक पाड सपण म्हण हांवें विस्रोंक चिंतलें आनी हांतूं हांव सुफळ जांवचीं खुणां दिसोन येवंक लागलीं.

ट्रीण... ट्रीण... सुमार तेंपा उपरांत फोनाचो तो मधूर आवाज म्हजे मतीक उल्लास दीलागलो.

हलो म्हजो ताळो कांप्तालो.

हलो आशा, म्हजी ओळोक मेळोंक ना? आशा, तुजो अविनाश दोन वरसांच्या ह्या लांब वेगळाचारा उपरांत तुजेलागीं पाटीं येता. आतां तुजो पप्पा म्हाका नेगार करचोनामू? ताका दिल्ल्या भाशेपरमाणे आज परयांत हांवें तुजेलागीं कसलोच संपरक दवरुंक ना आनी आज तुज्या फ्रेंडालागचो तुजो फोन नंबर घेवन तुका फोन केलें. तुज्या पप्पाक भेटच्यापयले हांव तुका मेळोंक आशेतां. आशा, फाल्यां सांजेर चार वोरार आमी मेळोन आसल्ल्या त्या जाग्यार हांव तुका राकोन आसतलों. बरें तर फाल्यां मेळ्यां. बाय सी. यू. डारलिंग म्हाका तोंड उघडुंकयी दीनासताना अविनाशान रिसीवर पाटीं खिळायलें. बोवशा देवाक म्हजी बीरमत दिसली जायजे, चिंतलें हांवें मनांत. अंदकार पासारल्ल्या म्हजे जिणियेंत आशेचें कीरण जावन अविनाश उदेल्लो. जर अविनाश म्हजी सगळी काणी आयकोन म्हाका जिणिये सांगातीण करुंक तयार जाल्यार हांव निजायकी नशीबवंत चिंतलें हांवें.

आशा, तुका पिशें पूणयी लागोंकनामू? जर तूं तुजी सगळी काणी सांगशी तर अविनाश तुका स्वीकार करीतगी? तुवें फकत एक्सुरें जायजे पडतेलें. देकून अविनाशाक कितेंच सांगानाका. हांतुंच तुजें बरेपण आसा. म्हज्या अंतसकरनाच्या ताळ्यान म्हाका जागयलें आनी हांवें ’यी तशेंच करचें म्हण चिंतलें. म्हजेथंय नवी उमेद भरली. एकेक घडी पाशार करुंक म्हाका बोव कश्ट मारले तरयी हांवें चिंतल्ली घडी उदेल्ली. न्हावन प्रेश जावन कबाटांतली म्हज्या जल्मादिसाक अविनाशानच गिफ्ट केल्ली साडी काडली. ती सोबीत पाचवी साडी म्हज्या आंगार सोबताली. मुखमळार हळू मेकप करन, काळ्या लांब केसांक पाटीर खेळोंक तशेंच

सोडन सोडले. आनी एक सोबीत तांबडो गुलोब केसांमदें शीरकायलो. पाचव्या कापडाक सरी जावन पाचवीं कांकणां हांवें हाताक शीरकायलीं आनी आरश्या मुकार रावलीं.

आशा, तुवें करचें समांगी? कितेंय जांव स्टीवन तुजो पती आनी तो सरोन सात दीस जाले तितलेच. तुवें ह्या परीं मेकप करन परकी चल्याक भेटोंक वेचें समांगी? म्हजें अंतसकरन म्हाका समजयलागलें. पूण हांव आयकलीं ना.

व्हय, स्टिवनासंगीं कश्टांनी दीस सरताना म्हाका धयर दीवंक या भुजवंक कोणच नातल्लीं. आतां हांव कोणाचेंच आयकोंची ना हांव हटाक पडलीं.

आशा तूं एक विदोव स्त्री आनी हें रंगाळ कापड, हीं कांकणां, हीं फुलां, तूं आमचे संसकृतेची खून करन आसाय. अशा चिंतून पळे परत म्हजें अंतसकरन जागयलागलें.

रंगाळ वसतुरां, कांकणां, फुलां एके चलियेची सोबाय चडयतात आनी एक चली जल्मातानाच हें हक घेवन येता तर विदोव जाल्या उपरांत ती चली न्हयगी? तर कित्याक ही समाज ताका हो अदिकार दीना? एके स्त्रीयेच्या संतोसांत मात वांटेली जावन ताच्या कश्टांत ताका बोट जोकून, ताचीं खेळकुळां करच्या हे कुड्डे समाजेक आनी संसकृतेक हांव दिक्कार करतां. आकेरीक हांवच जिकलीं म्हळ्ळ्या संतोसान वेनिटी बेग खांद्यार घालन हांव भायर सरलीं.

***

हलो, मिसेस आशा रोड्रिगस एक्सुरीं बसोन मुकले जिणियेचीं सपणां देक्तेल्या म्हाका ओळकिचो ताळो आयकलो. हांव पाटीं घुंवलीं.

अ...वी...ना...श! हांव उदगारलीं.

आशा, हो ऐआम सोर्री. मिसेस आशा रोड्रिगस. ही साडी तुका मसत सोबता. पूण करियमणी नासताना तुजो गळो सोबाना. आपल्या पतीक घात करन करियमणी

काडन दवरन म्हाका मेळोंक आयलांय. तूं एक घात्की चली. पयलें तुवें म्हाका भास दीवन घात केलोय. उपरांत आतां एका परक्या चल्या खातीर आपल्या पतीक घात करताय. तूं दोन वरसां म्हजे खातीर राकोंक सकलेंनांय. तूं कितें चिंत्ताय. तुजेशिवाय म्हाका दुस्रीं चेडवां मेळानांत म्हणगी? तूं कशें म्हाका विसरन स्टीवनासंगीं एकवटलेंयगी तशेंच हांवयी दुस्रे चलियेलागीं काजार जातलों. एक मात्र सत आशा. काल परयांत म्हज्या जिवापरास वर्तो मोग हांव तुजो करतालों. पूण म्हजे माम्मीन घडल्ली सगळी गजाल म्हाका सांगल्ल्यान तुज्या ह्या घात्की खेळा थावन हांव वांचलों. एनी वे तुका संतोसभरीत काजारी जिवीत माग्तां आनी वेगिंच म्हज्या काजाराचें इन्विटेशन हांव तुका धाडतां. साद तर तुज्या पतिसंगीं येवन म्हजे सेलेक्षन कशे आसा पळेवन काजारी जोड्याक बरें मागोन वच. हांव चल्तां.

अविनाशाचीं धारिचीं उत्रां म्हजें काळीज शिंदुंक लागलीं. हांव कितेंच उलवंक सकलीं ना. अविनाश म्हजे थावन मसत पयस पावल्लो. अविनाश फकत काजारी आशा विश्यांत जाणासल्लो. पूण विदोव आशा विश्यांत नेणासल्लो. हांव दोळे धांपून थंयच कुसकालीं. म्हज्या उज्व्याक म्हजो पती स्टीवन हात हालवन म्हजे थावन पयस वेचेबरी आनी म्हज्या दाव्याक म्हजो प्रेमी अविनाश म्हजेथावन पयस वेचेबरी म्हाका दिसलें. हांवें म्हजी तकली धोंपरामदें लिपयली आनी रडोंक लागलीं म्हज्या फूटल्ल्या नशिबाखातीर.

***

पप्पा... पप्पा, मुकल्या घरची आशा आंटी सरली कंय. माम्मी मोरनाक गेल्या. नेणत्या शरलाचीं उत्रां म्हज्या काळजाक तोपलीं. लिकणी हातीं धरन आशाची कराळ जिणी एक काणी जावन हांवें कागदार झरयिल्ली. व्हय, हांव एक श्रेश्ट बरयणार जालों. पूण तें... तें... सासणाक मोरनाचे पेटेंत विशेव घेवंक लागलें.

*** ००० ***

# तुजे शिवाय संसार नाका

वेलकं ब्याक टू इंडीय मै डियर डा। रोशनी.

सात वरसांच्या लांब वेगळाचारा उपरांत आज हांव पयल्ये पावटीं ड्याडिच्या वेंगेंत लिपलीं. ड्याडीक पळेयिल्लेंच हांव हुसकारन हुसकारन रडलीं.

ड्याडी, ज्योतीन अशें कित्याक केलें?

हांवें दोळे पुसताना ड्याडीक सवाल केलें.

रोशनी, तुका मसत पुरासण जाल्ल्यासतली, चल घरा वचोन रेसट घे.

विशय बदलून कार स्टारट केलें ड्याडीन.

वाटेर हांवें म्हजे वोंट हालयलेनांत. ड्याडीय आपली जीब हालंवची व्यरत प्रेतन करिनातलो. मौनपणान्ंच आमचें पयण संपलें.

देंव रोशनी, म्हाका थोडें अरजेंट काम आसा. हांव वचोन येतां. तूं रेसट घे. ड्याडीन आपलें कार एक आलिशान बंगल्या मुखार रावयलें. कारार थावन देंवल्लेंच तो बंगलो म्हजोच म्हण वळकोंक चड वेळ गेलो ना. हांवें रावल्ल्याबरीच ड्याडिच्या हिशारयांनी वाचमेनाद्वारीं म्हजी लग्गेज त्या बंगल्या भितर पावली.

ड्याडीन कार रिवरस करन पाटीं वरताना हांवें त्या बंगल्यांचीं मेटां मेजलीं.

कशी आसाय बाये? कितली बदल्ल्याय बाये तूं ह्या सात वरसांनी. पालवांत हात पुसून होलाक पावलें कामाचें चेडूं शयला.

हांव बदल्ल्यां जावंक पुरो पूण हा घरांत कितेंच बदलोंक नां न्हयगी? शयला. हांवें चारांय कुशिनी दीश्ट भोंवडायली.

खंडीत जावन बाये कितेंच बदलोंक नां. पूण...

अरध्यार अपलीं उत्रां कातरलीं शयलान.

पूण कितें शयला? हांवें अजापानी ताकाच जोयलें.

थंय पळे बाये शयलान पयशिल्या वोणती कुशीन बोट जोकलें हांवें लोवल तेवशीं मेटां काडलीं.

व्हय सात वरसां आदीं थंयसर केवल म्हज्या माम्मिची फुलां-झेल्यांनी नेटियिल्ली तस्वीर मात्र झळकताली. पूण आज ताच्या संगीच म्हजें भयण ज्योतिची तस्वीरय उमकाळताली. घडियेन म्हजे दोनी दोळे बिजले. हांव शयला कुशीन घुंवणीं.

शयला, हांव थोडो वेळ रेसट घेतां म्हाका दिसटरब करिनाका. शयलाची परवणगेची गरज म्हण समजनासतां हांवें ज्योतिच्या बेड्ड रूमाकुशीन मेटां काडलीं.

ज्योतिच्या बेड्ड रूमांत रीगल्लिंच हांव ताच्या डायरेच्या सोधनेर लागलीं. ताच्या लोकराचें नंबर हांव जानासल्ल्यान सुलभायेन हांवें तें उघडलें आनी डायरी हातीं घेतली. ती उघडताना तांतून थावन एक तस्वीर सकयल पडली. हांव हळतार बाग्वालीं ती विंच्च्या खातीर. गुंगूर केसांचो गोरश्या खातिचो 'तो' पळेवंक मसत सोभीत आसलो. जीन्स प्यांटार मरून कलर फूलस्लीवस शरट ताणें शीरकायिल्लें. दोळ्यांक कूलिंगग्लास चडयिल्ले. एक पावटीं पळेयिल्लो कोणी परतून गुंवोन पळेंवच्या तितलो आकरशक तो जावनासल्लो. थोडो वेळ ती तस्वीर पळेयल्या उपरांत हळतार हांवें ती घुंवडायली.

तांतूं निळश्या दाट शिंतांत सोबीत हात बरपान अशें लिखून आसलें.

तुजे शिवाय संसार नाका,

'रविराज रोड्रिगस'

तस्वीर तशीच देगेन दवरन हांवें ज्योतिच्या डायरेचीं पानां घुंवडायलीं. हरयेका पानार ज्योतीन जियेल्ली ती कराळ जिणी पिंत्रायिल्ली. हांव बितरल्या बितरच कळवळ्ळीं. पूण, वेळ उतरल्लो. डायरेच्या अखरेच्या पानासंगीं गुलोबी वरणाचें

म्हज्या नांवार असल्लें एक बंद कवर आसलें. हांवें तें हळतार फडलें. म्हज्या भयणिच्या त्या सोभीत हात–बरपाक हांव घड्येन वळकालीं.

मोगाच्या भयणी,

जिवीत म्हळ्ळ्या ह्या विशाल दरयांत हांव उप्येवंक सकलीं नां. म्हजें तारूं हांवें धयरान मुखार वरिजय आसलें तरी हांव भिवकुरीं जालीं. कितलेश्या जणांक जीवन दान दिल्लीं हांवच आज हो संसार सांडून वेतां रोशनी. अखरेच्या घड्ये हांव तुका पळेंवकी सकलीं ना. रोशनी, हें कागद वाच्च्या पयलें तुवें म्हजी डायरी वाचल्याय म्हळ्ळो भरवसो म्हाका आसा. मोग म्हळ्ळ्या ह्या दोन सब्दांक हो संसार मोल दीना जावंक पुरो पूण, हांव ह्याच मोगा खातीर आज अमर जावंक वेते आसां. हांव एक दाक्तेरन जाल्यारी हांवें मोग केल्ल्या चल्या सांगाता एक सोभीत पुडार बांधुंक सकलीं ना. देकून म्हाका म्हजीच लज भोग्ता रोशनी. हांवें ह्या संसाराक आदेवस मागचो विशय रवी बिल्कूल नेणा.

रोशनी, स्वाभिमानी पप्पावरवीं म्हजो दुबळो मोग म्हाका मेळोंक सकलो ना. रोशनी, माम्मीन आमकां आदेवस मागल्या उपरांत पप्पान आमकां भोव मोगान पोसलां. हांवें केल्ल्याबरीं तूं केदिंच पप्पच्या खुशे विरोध वचानाका रोशनी. साध्य तर म्हज्या रवीक सांबाळ रोशनी.

रो...शा...नी संसार सगळो गूं...व...त आसा. दोळे म्हजे ग...ग्रे जा...ता...त. वेगान हां...व उस्वास का...डी...त आसां. हात पाय म्ह...जे कां...प्तात. म्हाका दिसता... थोड्या घडियां आदीं ताळ्यांत घाल्ल्या म्हज्या मातरयानी आपलो प्रभाव दाकवंक सू...रू केला. र...र...र...वीक सां...बा...ळ

आ...दे...व्स...!

थंयच लागीं आसल्या बेड्डार आड पडोन हुसकारन हुसकारन हांव रडलीं. मात्या पंदा आसलें सोभीत मोव उशें सगळें भिजोन गेल्लें. दोळे म्हजे तांबडे जाल्ले. अनिकी तांतून उदक उप्येतालें. हांव रडलीं, रडलीं, मसत रडलीं पयल्ये पावटीं. म्हज्या नीरबागी भयणी खातीर...

...काराचे अरसे सकयल करन हांवें हळतार भायर तिळ्ळें. म्हजो ठिकाणो आयलो म्हण चिंतून हांव हळतार कारार थावन देंवलीं. हळतार मेटां चडताना रिसेपशन कौंटराचेर म्हजे खातीरच राकोन रावल्लो मेडिकल सुपरिंटेंडेंट मुखार आयलो.

गूड मोरनिंग एंड मेलकं टू दीस होस्पिटल डा। रोशनी. हासोन आपलो हात मुखार हाडिलागलो डा। रामन.

गूड मोरनिंग एंड थ्यांक यू हांवें ंय म्हजे दांत दाकयले. आनी म्हजो उज्वो हात ताच्या हाताक मेळयलो.

डा। रोशनी, हांव फसट आफ आल तुका ह्या होस्पिटलाचें ओरियेंटेशन दितां. सो लेटस स्टारट प्रम दी रिसेपशन कौंटर.

थंयसर बसोन आसल्ल्यांची परिचय करन दिली डा। रामनान. तें सगळें होस्पिटल भंवोंक उण्याच्या उणें देड वर जाय पडलें.

एंड लासट बट नोट द लीसट दीस ईस एम. ऐ. सी. यू. डा। रोशनी.

(मल्टी इंटेन्सीव केर युनीट)

डा। रोशनी, हांगासर कोमा पेशंटस आनी आखरेच्या हंतार आसचे सीरियस पेशंटस मात्र एडमीट जातात.

हांव एकेकल्या पेशंटालागीं वचोन तांची परिस्थिती पळेवन कळवळतालीं आनी अखरेक हांव 'त्या' पेशंटाक पळेवन शिरीं चुकलीं.

मुखमळार ताच्या खाड वाडल्ले. केस दांतोणी देखनासतां विद्रूप जाल्ले. पळेल्ल्या घडियेच 'तो' कोमा पेशंट म्हण समजोंक म्हाका चड वेळ गेलो ना. हांव 'त्या' पेशंटाची केस फायल पळेंवच्या खातीर ताच्यालागीं पावलीं. म्हज्या पांयां पंदली धरण कोसाळल्लो अनभव म्हाका जालो. हांव थंयच रूक जालीं.

रविराज रोड्रिगस ताच्या फायला वयर वडल्या अक्षरानी बरवन आसल्लें.

डा। रोशनी नौ यू टेल मी, यू आर इंटरेसटेड ईन वीच युनीट डा। रामनाच्या उत्रांक हांव वासतवाक पाटीं आयलीं.

ओ.ल्.अ.र सर.

अपापीं म्हज्या तोंडांतल्यान उत्रां भायर पडलीं.

वेरी गूड. सो नौव लेटस ह्याव अ कप आफ टी

ओ. के. सर. हांवें लांब स्वास सेवलो.

डा। रामना संगीं क्यांटिना कुशीन हांव चमकालीं.

ज्योती!! अपरिचीत क्षीण ताळ्याक हांव घुंवलीं.

हळताची तरनाटी स्त्री थंयसर उबी आसल्ली. हांव तिचेलागीं पावलीं.

तूं रविची मम्मिमू? हांवें दुभावान सवाल केलें.

हें कितें ज्योती तूं म्हाकाच विसरलेंय. तिचें मुखमळ बावलें.

म्हाका तुजेकडे थोडें उलवंक आसा. चल म्हज्या क्याबिनाक

हांव तिका अशें सांगोन डा। रामना कुशीन घुंवलीं.

सर! ईफ यू डोंट मंयड हांवें विनंती केली.

ओ.के डा। रोशनी सी यू ईन द आपटर नून. एम. एस. डा। रामन थंयचो चल्लो.

डा।...रो...श...नी! तिच्या कपालार मिरियो पडल्यो.

सोर्री डा। रोशनी हांव चूक समजाल्लीं. म्हजी सून ज्योती तुज्या बरिंच आसल्ल्यान हांव तुंच ज्योती म्हण समजालीं. ऐ आम वेर्री सोर्री.

नां आंटी तूं चूक समजोंक नांय. ज्योती दुस्रें कोणी न्हय बगार म्हजेंच जोवळें भयण. क्याबिना बितर सरताना हांव हळतार उलवंक लागलीं.

हांवें तुका एदोळ पळेवंक नां? तिणें परत एक सवाल उडयलें.

म्हाका पळेवंक हांव हांगासर नातल्लीं. हांव हायर स्टडीसा खातीर अमेरिका पावल्लीं. एका हप्त्या आदीं गांवाक आयलीं आनी अमेरिकाक पाटीं वेची अलोचन आसल्यारी पप्पा एक्सुरो देकून हांगाच सेटल जावंक चिंतलां. हांव उलंवनच वेतालीं.

तर आतां ज्योती खंयसर आसा रोशनी?

तिच्या त्या प्रश्नारतक दिश्टीक हांव फूड करुंक सकलीं नां, हांवें धरणीर चोयलें.

... हांव मौन जालीं. कितें जाप दीजय म्हण म्हाका कळ्ळेंना. म्हजे थावन कितेंच लिपयनाका रोशनी प्लीज सांग, ज्योती खंयसर आसा?

ज्योती... ज्यो... ती आमकां सांडून मसत पयस पावलां आंटी.

नां! रो... श...नी! हें तूं कितें उलयताय. नां रोशनी रवी जिवंत आसताना ज्योती केदिंच पालवंचें नां. नां... नां.

तिका समधान करुंक सुमार अरदो घंटो लागलो म्हाका.

प्लीज रोशनी, हें सत मात्र केदिंच रविच्या कानांक घालिनाका. हांव म्हज्या एकल्याच पुताक होगडावंक खुशी वरिनां. तो बरो जाता परयांत तरी ज्योती जावन ताका एक नवें जीवन लाभय डा। रोशनी. म्हज्या पुताक वांचय. घळगळ्यां रडोन ती थंयची चल्तच रावली. म्हज्या दोळ्यांती आपापीं दुकां देंवलीं. हांवें नीज गजाल तिका सांगोंक न्हजो आसलें म्हण म्हाका भोगलें. पूण एक व्हड काम हांवें केलें म्हळ्ळी तृप्ती म्हाका लाबली.

दीस आनी रातिच्या म्हज्या निस्वारती सेवेन आज फळ दाखयिल्लो. व्हय, आज रवीक नवें जिवीत लाभल्लें. तो कोमा स्टेजी थावन पाटीं आयिल्लो. म्हाका सरवां थावन शाबासकी लाबल्ली. पूण, म्हज्या काळजाक खरो संतोस लाबल्लो रविच्या मम्मिचो संतोस पळेवन. हांवें म्हजी जिणी सारतक म्हण चिंतलें.

गूड मोरनिंग रवी. ब्रेक फासट जालेंगी? I.C.U थावन स्पेशल वारडाक शिपट केल्ल्या रवीक मेळोंक सकाळीं फुडेंच हांव थंय पावलीं.

नां ज्योती, तुजे शिवाय कितेंच रुचाना.

म्हाका रविचीं उत्रां आयकून तकली गुंवली. रवी म्हाका ज्योती म्हण चिंत्तालो म्हण हांवें स्वपणांती चिंतुंक नातल्लें.

रवी आनी तुमें घरा वच्येत हांव आजच तुका दिसचारज करतां. हांव वचोंक घुंवलीं.

ज्योती, थोडे दीस मतीर नातल्लों म्हण हांव आमचो संबंधच विसरलों म्हण चिंतलेंयगी? नां ज्योती कोणी आड आयल्यार तूं म्हजेंच. त्या दीस तुका म्हज्यालागीं थावन तुज्या पप्पान वोडन वेल्लें न्हयगी? वेगिंच हांव एक वडलो व्यक्ती जावन तुज्या ड्याडिलागीं तुजो हात विचारुंक येतलों. ज्योती, हांव ह्या होस्पिटलांत आसल्यार तुका सदांनीत पळेवन खूश आसतलों, पूण, बायर गेल्यार ही समाज आनी तुजो ड्याडी आमकां सांगाता देकोंक सकचीं नांत, देकून, प्लीज म्हाका दिसचारज करिनाका. रवीन परात्ताना म्हजें काळीज मोवाळ्ळें पूण, हांव कितेंच करुंक सकानातलीं. हांव शीदा म्हज्या क्याबिना कुशीन चल्लीं.

डा। रोशनी, म्हज्या पुताक नवें जिवीत दिल्ल्याक मसत देव बरें करूं. आज हांव ताका घरा अपवन वरतां. पूण तो संपूरण बरो जावंक नां डा। रोशनी. ताका पुनर जिवीत तुवें लाभयलांय आनी ज्योती जावन रविची जिणी उज्वाडायशी तर हांव मोरता परयांत तुका ऋणी जावनासतलीं. भियान उत्रां विंचलीं रविच्या मम्मीन.

अं...टी!!! हांव हळतार किळांचली.

हांव चुकलीं तर म्हाका भोगसी डा। रोशनी, म्हज्या पुताच्या अपरिमीत मोगान म्हाका तशें उलवंक म्हजभोर केलें. परत्यान देव बरें करूं. आमी चल्तांव डा। रोशनी. दाव्या खांद्या वयलो पालंव उज्व्या भुजां वयल्यान हाडून ती थंयची चल्ली.

सूरयाच्या कीरणांच्या दावेंत, चंद्र तशेंच तारांच्या सावळेंत हांवें चिंतलें. तरी पूण एका बरया नीरधाराक येवंक म्हज्यान साध्य जालें नां. तितल्यार पोनाच्या अवाजाक हांव जागीं जालीं.

हलो! हांवें हळतार रिसीवर हातीं घेतलें.

हाय डियर, ऐ आम दीपक. रोशनी, हांव फाल्यांच इंडियांक येतलों आनी तुजे संगी लग्ना–भेसांत एकवटोन तुका म्हजे संगीं घेवनच पाटीं अमेरिकाक येतलों. रेडी राव.

हांवें तोंड उघडिजय तर ताणें पोन डीसकनेकट केल्लें.

ट्रै टू अंडर स्त्यांड मी. दीपक तुंच सांग हांवें कितें करिजय. हांव दीपकाक समजयतालीं.

वाय डोंट यू अंडरस्त्यांड रोशनी, दीपकाची रोशनी केदिंच रविचें ज्योती जावंक सकचें नां. दीपक रडोंक आयतो जाल्लो.

दीपक, आतां हांवें तुजे विशीं चिंतच्याकी चड रवी विश्यांत चिंतिजय. खंडीत जावन हांवें ताका पुनर जीवन लाभयलां. आनी ताका लाभल्लें हें पुनर–जीवन काळोकांत ताणें सारचें म्हाका खंडीत जावन पसंद नां. दीपक, तुवें मन केल्यार तुका कितलिंय रोशनी मेळतीत. पूण, रवीक मात्र दुस्रीं ज्योती मेळचीं नांत. दीपक, म्हज्या वांट्याक सरव वाटो बंद जाल्यात. प्लीज दीपक, म्हाका वचोंक सोड. हांव पयस दिसच्या निळश्या मोळबाकच चोयतालीं.

... तो मौनच रावलो.

कित्याक दीपक मौन जालोय. हांवें थिंपी गिळ्ळी.

वच, रोशनी, वच हांव तुका आडायना. तुज्या जिविता विश्यांत तीरप दिंवचें हक्क म्हाका नां. काळीज ताचें रडतालें. हाका ताचो गदगदचो ताळोच साक्स जावनासल्लो.

थ्यांक्स दीपक, थ्यांक यू वेर्री मच.

म्हज्या काळजाचेर फातोर दवरन हां हळतार मेटां काडिलागलीं.

रो...श...नी दीपकाच्या कांपच्या ताळ्याक हांव पाटीं घुंवलीं.

रोशनी, दीपकाचें रोशनी जावन खंयचा घडो तूं पाटीं येंवचें मन करशी जाल्यारी तुका हरयेका घडो म्हज्या काळजाचें दार उग्ते आसतलें. म्हजें काळीज सांग्ता तूं खंडीत जावन पाटीं येतलेंय रोशनी.

कितलें प्रयत्न केल्यारी ताच्या दोळ्यानी देंवचीं तीं दुकां आडावंक तो सकलो नां. हांवय म्हाका सांबाळुंक सकलीं नां. दांवोन वचोन दीपकाक हांवें वेंग मारली.

घड्येन म्हज्या नीरदारान म्हाका जागयलें. हळतार हांवें वेंग सदीळ केली. आनी पाटीं पळयनासतां चल्तच रावलीं.

रवी दोळे उघड. रवी तुजें ज्योती आज तुजे सरशीं आयलां आनी केदिंच तुका सोडन हांव वेचीं नां. रवी.

हांव रडलीं.

मेडाम वी आर वेरीं सोरीं. रविची नीरजीव कूड मोरचरीक पावली. हांव थंयच कुसकालीं.

दर डा। रोशनी. रविच्या मम्मीन एक कागदा कुडको म्हज्या हातीं चेपलो आनी ती थंयची चल्ली.

हांवें हळतार तो कागदा कुडको सोडयलो.

डा। रोशनी, म्हज्या विचित्र वरतना वरवीं तुजें मन मसत दुकलां आसतालें. देकून हांव तुजेलागीं भोगसाणें माग्तां. त्या दीस हांवें तुजें आनी म्हज्या मांयचें उलवणें आयकल्यान सत गजाल हांव जाणा जालों. म्हज्या मांयन आपल्या पुताक होगडावंक खुशी वरिनासताना तुका ज्योती जावंक परात्तिलें. पूण डा। रोशनी सत सांगचें तर म्हज्या ज्योतिचो जागो ह्या संसारांत दूसरया कोणेंय घेवंक साध्य नां. ज्योती जर पालवलां, रवीय बुडतलो. ज्योती शिवाय हो संसार म्हाका नाका हांवय ताच्या सरशीं वचोंक भायर सरलां. आदेवस तुमकां.

वाचून संपजय तर म्हज्या दोळ्यानीं सरारां दुकां देंवलीं. हांव हुसकारलीं. तितल्यार म्हज्या खांद्यार बसल्ल्या हाताक हांव नीट जालीं.

दीपक!! म्हजीं उत्रां ताळ्यांतच जीरलीं.

हांव खंडीत जाणासलों म्हजें रोशनी तें केदिंच कोणाचेंच जांवचें ना. चल आमी आ. म्हज्या हाताक दरन उटयलें दीपकान.

रोशनी, वरां इक्रा जावन आयलीं. तुजें बरवन संपल्यार निदोंक येशिगी? दीपकाच्या मोवाळ ताळ्याक हांवें म्हज्या पेन्नाक विराम दिलो. डायरी दांपली. आनी जळोन आसल्लो दिवो पालववन हांव बेड्डा तेवशीं चमकालीं.

*** ००० ***

# नीरमोणें

पुनवेचो चंद्र धरतेचेर मंद उज्वाड फांकवन आसल्लो. रातचें जेवण जाल्या उपरांत गप्पे मारच्या खातीर बापूय अलेसाब आनी पूत विकटर टेरेसाक चडले. थंड वारें व्हाळतालें.

विक्की, तुका तुजे जीणयेंत बदलापाची गरज भोगानांगी? बसका विंचताना उलवण्याक बुन्याद घाली अलेसाबान.

म्हाका तुज्या उत्रांचो अरत समजोंक ना पप्पा विकटराच्या कपालार मीरयो पडल्यो.

पळे पुता विक्की, अशें एक्सूरपण कितले दीस परयांत? तूं आतां तुजें बीजनेस बरयान सांबाळन आसाय. आनी एका जीणये सांगातिणीक घरा हाडन घरांत भूरग्यांनी खेळचें, हासचें, गोद्दें उलंवचें तुका पसंदनांगी?

अलेसाब विकटराच्या मुकमळाची बदलावण पारकुंच्या खातीर ताकाच चोयतालो. पप्पा, एक विशय असो घुंवडावन उलंवची तुजी सवय तूं केदाळा सोडतलोय? विकटरान मात्सो राग दाकयलो.

तशें न्हंय पुता, शीदा उलवंक भिरांत दीसल्ल्यावेळार असलीच वाट विंचिजे पडता. अलेसाबान आपली दीश्ट विकटराथावन बदलिली.

पप्पा तूं म्हज्या काजारा विश्यांत उलयतलोयमू? पप्पा हांव कांय म्हातारो जावंक ना. आनी थोडे पयशे जमवन उपरांत हांव एक बरो फुडार बांदतलों. आतां म्हाका मसत जवाब्दारयो आसात. ताच्या इञ्छांत काजार जावन कुटमाची तकली फडाफड घेवंक नाका. घट नीरदारान उलयलो विकटर.

पळे पुता, तुज्या पोणतुरांक पांवचे तितली आसत आमकां आसताना पयशे पयशेम्हण कित्याक रडताय विक्की? आनएक विशय, विक्की त्या त्या वेळार जावंक आसचें त्या त्या वेळारच जायजे. आनी काजार जावन फुडार बांदची एक तकली फडाफड म्हणचो तूं पिसो. बरें तर तूं जावनच ओप्तापरयांत हांव तुज्या काजाराचो प्रसताप काडचों ना. पुताक नीट करच्याखातीर मात्सो राग दाकयलो अलेसाबान.

पप्पा, ल्हान थावन तुवें म्हाका आवय–बापायचो मोग दीवन बरयान सांबाळ्ळांय आनी व्हड जाल्या उपरांत एका बरया इश्टाबरी तुवें म्हाका सांगात दिलाय. जायत पप्पा तुवें सांगल्लेबरीच जांवदी. विकटरन अलेसाबाचे हात आपल्या हातांत घेतले.

विक्की तूं कोणायच्या मोगार पूणयी आसायगी वा तुवें खंच्या पूणयी चेडवाक पळेवन दवरलांयगी? अलेसाब संतोसान उलयलागलो.

व्हय पप्पा हांवें एके चलयेक पळेयलां. तें बोव सोबीत आसा आनी ताचे दोळे बोव आकरशीक आसात. हांवें ताचेलागिंच काजार जावंक चिंतलां विकटर धरणीक पळेवन उलयतालो.

हो तर विशय इत्तून पावला. हरएक विशय तूं म्हजेलागीं सांग्तालोय, हो विशय कसो तुवें लिपयलोय विक्की? आसोंदी कितेंय जांव ते चलयेचें नांव कितें? घर खंय? अलेसाब आतुरीक जालो.

पप्पा ती एक व्हडली काणी... त्या दीस... विकटर उटोन उबो रावलो. मोळबार परजळच्या चंद्राक पळेवन उलवंक सुरू केलें विकटरान. अलेसाबाची आतुराय आनीकयी चडली. तो पुताकच पळेवन बसलो.

त्या दीस आमी पिक्निकाक भायर सरल्ल्यांव पप्पा. ज्योरान पावस वोत्तालो. पूण आमी काराभितर गम्मत करन आसल्ल्यांव. आमकां कित्याचीच खंत नातल्ली. हांव

कार सोडतालों आनी तितल्यार एक आवगड घडलें. काराच्या वेगाक रसत्यावयल्या फोंडकुलांत भरल्लें म्हेळें उदक रसतो उत्रोंक रावल्ल्या धवे कापड न्हेसल्ले एके सिस्टरिच्या आंगार उसाळ्ळें. म्हजें हरदें धड्डडोंक सुरू जालें. इल्लेशें मुकार कार राववन भोगसाणें मागच्याखातीर भियानच हांव तिचेलागीं पावलों.

सिस्टर, ऐ आम वेरी सोरी कांपचे हात जोडन हांवें तिचेलागीं भोगसाणें विचारलें. इटस आल रायट

रागान तापल्ल्या तिच्या मुकमळार मंद हासो उदेल्ल्यो. आनी ती पाटीं परताली. हांव मात्र तिका पळेवनच ऊरलों. पप्पा, तिचें नांव म्हज्याच नांवाच्या पयल्या अक्षराथावन सुरू जाता. म्हळ्यार ‘वी’ अक्षराथावन म्हळ्ळें तिचे गोमटेंत उमकाळचे ते सोबीत चेयनिथावन कळ्ळें. पूण, तिचें सगळें नांव हांव नेणां पप्पा. आनी उपरांत एक दीस तिका कळनासताना तिचो पाटलाव केलो, तिचें घर सोदून काडच्या खातीर. तशें हांव तिचो विळास जाणा जालों. इतलेंच पप्पा. विकटर वांकड्या दोळ्यांनी पप्पाक पळेलागलो.

व्हड न्हंय, म्हजो पूत मसत हुशार आसा. हांवें तो आनीकयी ल्हान भूरगो म्हण चिंतल्लें. बरें तर हांव फाल्यांच तांगेर वचोन सयरीक घट करन येतां. अलेसाब उटोन पुतालागीं गेलो.

फाल्यां! फाल्यां म्हाका जांवचें ना पप्पा. म्हाका एका फंक्षनाक वचोंक आसा खंत उचारली विकटरान.

तूं नातल्यार व्हड न्हंय पुता. हांवच वचोन येतां अलेसाब आम्सोरलो.

जायत पप्पा, तुजे खुशेपरमाणेच जांवदी. विकटराचें मुकमळ लजेन तांबडें जालें.

***

सकाळिंच्या धा वोरार पेड्डिच्या घरा बागलाक पावलो अलेसाब. कोलबेल्लाचेर आपलो हात दांबलो ताणे. तितल्यार पेड्डीच मुकार दिसलो अलेसाबाक. चड ओळोक नातल्यारयी अलेसाब पेड्ड्याबाक ओळकतालो. पेड्डिथावन अलेसाबाक बरो स्वागत लाबलो. वेळ पाड करूंक खुशी नासताना तक्षण विशयाक आयलो

अलेसाब. पेड्ड्याबाक अज्यापा सांगाता संतोसयी जाल्लो. कित्याक आपली माल्गाडी धूव चड सोबीत नातल्ल्यान आयिल्ल्यो सरव सयरिको पाटीं वेताल्यो आनी आज आपापिंच आपले धुवेचें नशिबाचें दार उगडल्लें पळेवन पेड्ड्याबाक मसत खुशी जाली.

पळे पेड्डी, ही म्हज्या पुताची तस्वीर. ताका इल्लें तूरताचें काम आसल्ल्यान येवंक जावंक ना. आनी ताणे तुजे धुवेक पळेवन पसंद केलां. हांव आज सयरीक घट करन खराराक दीस दवरुंक आयलां. अलेसाब उलयीत वेतालो.

म्हजे धुवेक आपंवगी? पेड्डी उटलो.

नाका पेड्डी, म्हज्या पुताची पसंदच म्हजी पसंद आनी हें बरें कामयी हांव वेगिंच संपवन तुजे धुवेक आमगेर आपवन व्हरतां.

थोडें उलवणें जाल्या उपरांत सयरीक घट करन खराराक दीस दवरन मेटां दंवलो अलेसाब.

पप्पा, पळेयां ती तस्वीर हेवशीन दी. तो नशीबवंत भावोजी कोणम्हण पळेयां अलेसाब गेल्ल्या तक्षण भितरल्या कुडांत आसल्लें विल्मा धांवोन आयलें. पेड्डीन आपल्या हातांतली तस्वीर विल्माच्या हाताक दिली.

पुता, असल्या एका महान, नितळ मनाचे वेक्तीक हांवें जांवंय जावन जोडचें निजायकी म्हजे पून पुता. पेड्ड्याब संतोसाचीं दुकां गळयतालो. तस्वीर पळेयिल्लें विल्मा मात्र थंयच रूक जाल्लें.

पळेयां विल्मा तुज्या भावोजीक हांवयी मातशें पळेयतां विल्माच्या हातांतली तस्वीर वोडन घेतली वीणान.

निजायकी तूं मसत नशीबवंत बाये विल्माचो ताळो गदगदीत जालो. तें भितर धांवलें.

व्हा विक्की! तुका मोगाचो खेळ खेळोंक दुस्री खंचीय बावली मेळोंक नांगी? हांवें तूं एक बरी वेक्ती म्हण लेकल्लें. पूण तूं एक...

आपल्या इश्टांसांगाता पारकांत बसोन उलवन आसल्ल्या विकटराक विल्माचीं अनिरीक्षीत कटीण उत्रां आयकोन अज्याप आनी सांगाताच राग आयलो.

विक्की, जावंक पुरो आजपरयांत हांव तुजेलागीं उलवंक ना. पूण तुज्यो तो सदांच्यो परिचीत हासो म्हाका पिश्यार घालिलागल्यो. आमी आजपरयांत एकामेका सांगाता मेळोंक ना वा उलवंक ना जावंक पुरो. पूण हांव तुजो मसत मोग करतालीं. म्हजी ड्यूटी संपच्या वेळार तूं फकत म्हज्या एका हास्या खातीर राकोन रावतलोय आनी हांवें चिंतलें तुंयी म्हजो मोग करताय म्हण. पूण... बरें जालें आमचो मोग फकत हास्याकच सीमीत जावन आसल्लो. जर चड सळावळ जाल्ली तर आज तुका विस्रोंक भोव कश्टांचें जातें आसल्लें. कितेंय जांव म्हाका विस्रोन म्हजे भयणीक एक बरो फुडार लाबय. गूड बै.

विल्मा! अपणा थावन थोडीं मेटां पयस पावल्ल्या विल्माक तो अपयलागलो. अतां सवकास ताका विल्माच्या उत्रांचो मतलब समजाल्लो.

विल्मा अम्सोरनाका. हांव निजाकयी तुजोच मोग करतालों, आतांयी करतां आनी मुकारयी करतलों. तूं कितें उलयताय म्हाका कितेंच समजाना. प्लीज सोडवन सांग विक्की उटोन उबो रावलो.

तर तूं ह्या विश्यांत कितेंच नेणांयगी?

खंडीत जावन विक्की मुकार सरलो.

तुज्या पप्पान तुजी सयरीक म्हजे भयणी संगीं घट केल्या विल्मा वोगें जालें. वोट! नो, नेवर विकटर बोबाटलो.

ना, म्हज्या पप्पान केल्ले चुकीक हांव खंडीत जावन शिक्षा भोगचोना. हांव आतांच वचोन सगळें सारकें करतां. विल्माचें मावनपण पळेवन विकटरच उलयलो.

ना, तूं अशें केदिंच करचोनांय. एदोळपरयांत आयिल्ल्यो हरएक सयरिको मोडल्ल्यान म्हजे बायेक मसत दुकलां. आनी जर ही घट जाल्ली सयरीक तूं नाका म्हणशी तर तें खंडीत पिशें जातेलें वा जीवगात करन घेतेलें. आनी तूं कितें चिंत्ताय म्हजे भयणीक घट जाल्ल्या चल्यालागीं हांव काजार जातां म्हणोन? ना. मसत तेंपा उपरांत हांवें बायेच्या तोंडार हासो देकल्यात आनी त्यो हासो सासणाक ताचेसंगीं आसजे. तर हांवें तुमचे थावन पयस व्हचाजे. विल्मा आपल्या काळजाचेर फातोर दवरन उत्रां विंचतालें.

हें तूं कितें उलयताय? विक्कीन केल्ली चूक म्हणोन तुंच म्हणताय आनी आतां ती चूक समा करुंकयी तूं सोडिनांय. तर सांग आतां विक्कीन कितें करिजे? विक्किचो एक ईश्ट मुकार आयलो आपल्या इश्टाची परिस्थिती पळेवन.

म्हजी भयण म्हजो कितलो मोग करता म्हण तुमी नेणांत. आनी ह्या मोगामुकार म्हजो आनी विक्किचो मोग कितेंच न्हंय. म्हजे भयणिचो फुडार पाड करुंक म्हाका मन ना.

विल्मान कितलें प्रेतन केल्यारयी ताच्या दोळ्यांनी दुकां ठिकलिंनांत.

ना, विल्मा तुका म्हजो मोग तितलो मोलादीक म्हण दिसचोना. पूण हांवें तुजो म्हज्या काळजा थावन मोग केला. आनी हांव मोरतापरयांत करतालों. विक्की घट नीरदारान उलयतालो.

विक्की, जर तूं म्हजो खरो मोग करताय तर तुवें म्हजे बायेचो हात सोडिनासतां ताचो जीणये सांगाती जावन ताच्या फुडाराचो दिवो पेटयजे आनी तो केदिंकच पालवोंक सोडुंक न्हजो. तुमची जिणी नंदन जांवदी. विल्मा वचोंक घुवलें.

ना विल्मा हें खंडीत साध्य ना विक्की रडलो.

विक्की जर तूं म्हज्या बायेचो हात सोडशी तर ताचें जीवन थंयच संप्तलें. आनी हांव तुका मेळतलीं म्हळ्ळें सपण सोडन सोड. म्हजे भयणी सांगाता हांवयी म्हज्या फुडाराचें अंत्य करतेलीं. आनी तूं दोगांचो खुनिगार जातलोय. हें तुका पसंदगी वा म्हज्या बायेलागीं काजार जावन आमकां संतोसान दवरचें तुका पसंद. सांग विक्की सांग. गळगळ्या देंवचीं दुकां दांबून धरन विक्कीक समजंवचें प्रेतन करतालें विल्मा.

आपल्या बायेखातीर तुज्या मुकार आसचो सोबीत फुडार तूं लासुंक तयार आसायगी विल्मा? विक्कीन दोळ्यांनी देंवचीं दुकां पुसलीं.

खंडीत जावन भावोजी चड वेळ तें थंय रावोंक सकलें ना. थोडें पयस पावल्लें तें परत पाटीं घुंवलें. पूण भावोजी हो विशय म्हज्या बायेक केदिंच कळुंक न्हजो. कळल्ल्या दीस हांव तुज्या थावन मसत पयस पावतेलीं विल्मा चल्तच रावलें.

***

आज उदेल्लो दीस विणाचे जीणयेचो श्रेषट तशेंत संतोसाचो दीस. पूण विल्माचे जीणयेचो दुकाचो दीस. हरएक घडी विल्माच्या दोळ्यानी दुकां देंवतालीं. पळेयिल्लीं सगळीं सांग्तालीं बावडें आपले भयणिचो मसत मोग करतालें आनी आज ताचो वेगळाचार सोसुंक कश्ट जातात जायजे बावड्याक. पूण ताच्या रडण्याचो खरो मतलब फकत विक्की आनी ताचे दोन ईश्ट जाणासल्ले. तांणी विल्माक मसत भुजयलें.

घडयो, वोरां, दीस, हप्ते, मयने आनी वरसांयी पाशार जालीं. सगळ्या संसारार बदलावण जाली पूण विल्माचे जीणयेंत कसलीच बदलावण जालिना. आनी ह्या दिसांनी ताच्या आवय–बापायन ताका आदेवस मागल्लो. आज विल्मा सगळ्या संसारांत एक्सुरें जाल्लें. निस्वारती सेवाच ताचें सरवस्व जावनासलें.

मिस्स विल्मा तुका मेडिकल सुपरिटेंडेंट आपयता आपल्या कामांत म्हणन आसल्लें विल्मा नीट जालें. थोड्याच घडयांनी विल्मा मेडिकल सुपरिटेंड्टाच्या क्याबिनाक पावलें.

ये, ये मिस्स विल्मा बस मोगाळ स्वागत तुका लाबलो.

गूड मोरनिंग सर बसका विंचताना उलयलें विल्मा.

गूड मोरनिंग पाटीं वंदिलें एम.एस. डो। रावान.

मिस्स विल्मा, तुज्या निस्वारती सेवेक मेचवोन तुका वारड सुपरपायसरा थावन झून सुपरवायसर प्रमोशन मेळ्ळां डो। राव विल्माकच पळेतालो. पूण विल्मा आपली तकली पंदा घालन आपल्या हाताचीं बोटां चोयतालें.

विल्मा तुका संतोस जावंक ना? परत सवाल केलें डो। रावान.

सर, हांवें विचारल्लें जर तुमी म्हाका लाबयश्यात तर म्हज्या मुकमळार तुमी हासो देक्तेल्यात भिरांतेन लोव वयर पळेलें विल्मान. विचार विल्मा तुका कितें जाय? डो। राव बसल्ल्या कडचो हाल्लो ना.

स... स... सर, हांवें आयकालां... न्याशनल ट्यूबरकुलोसीस होस्पिटलांत नरसांची मसत गरज आसा आनी जर तुमी परवणगी दिल्यार जीणयेंत ऊरल्ले दीस हांव टी.बी. पिडेसतांची सेवा करुंक आशेतां धयरान उलयलें विल्मा.

मिस्स विल्मा तुका पिशें पूणयी लागोंकनामू? तूं एक फुलोंक आसचो बोंगो विल्मा. आनीकयी तुजे जीणयेंत सबार बरयो संगती जावंक आसात. तुज्या मुकार आसच्या सोबीत फुडाराक कित्याक तूं उजो लावंक आशेताय. इतलें व्हडलें नांव, प्रमोशन मेळताना तूं आपणाकच कित्याक मोरनाच्या तोंडाक लोटून आसाय? डो। रावाच्या कपालार मीरयो उदेल्यो.

सर, जर म्हाका ट्रान्सफर मेळ्ळो ना तर हांव फाल्यांच म्हज्या ह्या कामाक रिजायन दितलीं अपापिंच आतां विल्मा थंय धयर उदेलें.

विल्मा तुज्या तसले महान वेक्तीक आज परयांत हांवें पळेवंक ना. जायत तर, तुवें सांगल्ल्याबरीच जांवदी. फाल्यांच तुजें ट्रान्सफर ओरडर तयार जातेलें. आतां तुवें वच्येत. पूण हे आस्पत्रेंत तुजें उणेपण सदांच भोगतालें. सदां न्हंय तरयी मयन्याक एकपावटीं हे आस्पत्रेक भेट दितलेंय म्हण पात्येतां. डो। रावाचें मुकमळ बावल्लें. पूण विल्माक सरग मेळल्ल्या तितलो संतोस जाल्लो.

दीस पाशार जाल्ल्याबरीच सिस्टर विल्मान आपले निस्वारती सेवेद्वारीं ते आस्पत्रेंतयी बरें नांव जोडल्लें. आनी ताका पुरसकारयी लाबल्लो. विल्माक कित्याचीच खंत नातल्ली. तें मसत संतोसान आसल्लें. पुणल हो संतोस चड तेंप ऊरलो ना. दीस–रात म्हण लेकिनासतां टी.बी. पेशंटांची सेवा केल्ल्यान ताकायी ही पिडा लागली. तरयी ताणे आपल्या जिवाची परवा केलिना.

व्हय, आज तेच आस्पत्रेंत निरादारी जावन आपले जीणयेच्यो आकेरिच्यो घडयो मेजताली सिस्टर विल्मा. तें चिंतुंक लागलें – आपणाचे जीणये वाटेर आपल्या आवय. बापायन वेगिंच म्हजो सांगात सोडलो आनी तीं म्हाका आदेवस मागोन बोव पयस पावलीं. आनी आपणें काळजाथावन मोग केल्ल्या विक्कीक आपलेच

भयणीन अपहरसिलो. आज तें बिल्कूल एक्सुरें जाल्लें. ताच्या दोळ्यांनी फकत दुकां देंवतालीं. आनी हीं दुकांच हरएक घडी ताका सांगात दीवंक लागलीं. आनी आकेरीक आपणाचो वेळ लागीं पावला म्हण कळतच ताणे वळू सिस्टरीक आपयलें.

सिस्टर, हो फोन नंबर म्हजें भयण मिसेस वीणा रोड्रिगसाचो... प्लीज ताका फोन करन म्हजी स्थिती गंबीर आसा म्हण ताका आपवंक सक्षातगी? अरदे धांपल्ल्या दोळ्यांनी लांब उस्वास काडन उलयतालें विल्मा. अपणाच्या दुकांत तें दूसरयांक वांटेली जावंक सोडिनातल्लें देकून आजपरयांत ही खबर विल्मान आपले भयणी थावन लिपयिल्ली. आनी आतां दुस्री वाट नासतां ताका अशें करिजे पडलें.

***

विक्किची परसनल डायरी! उदगारलें वीणा. सदांय लोकराभितर आसची ही डायरी आज कितें भायर दवरल्या. बोवशा उडास ना आसतलो. कितेंय जांव, मेळल्लो आवकास होगडावंक न्हजो. वीणान ती डायरी हातीं घेतली. पानां घुंवडायिल्ल्याबरीच ताच्या दोळ्यानी दुकां भरोन आयलीं. म्हजे भयणीन म्हज्या खातीर इतलो व्हडलो त्याग केलो. पूण हांव ताका कितेंच दीवंक सकलीं ना. हांवें आतांच ताचेलागीं वचोंक जाय डायरी धांपून उटलें वीणा. तितल्यार फोनाचो आवाज आयकालो. दोळ्यांनी देंवचीं दुकां पुसून तें फोनालागीं पावलें.
हलो, हांव न्याशनल टी.बी. आस्पत्रे थावन उलवन आसां. तुजी भयण विल्माची परिस्थिती एकदम गंबीर आसा. ताच्या वांव्याक आनी थोड्योच घडयो ऊरल्यात सिस्टरिचो ताळो गदगदलो.

नो! किळंचलें वीणा. रीसिवर ताच्या हातांतलें सकयल गळ्ळें. तितल्यार विक्की भितर सरलो.

कितें जालें वीणा धांवोन आयलो विक्की.

विक्की विल्मा मसत सिरीयस आसा खंय कुडक्या उत्रांनी उलयलें वीणा.

चल वीणा आतांच या वीणाक घेवन विक्की तक्षण भायर सरलो.

सिस्टर, मिस्स विल्मा गोम्स खंच्या वारडांत आसा.

ऐ आम सोर्री मिसेस वीणा. ताका आत्तां मोरचरीक शिपट केलें बेजारायेन उलयली सिस्टर सविता.

ना. विल्मा तूं म्हाका अशें सोडन वेचेंनाय गळगळ्यां रडलें वीणा. विक्किचें काळीज भेसां जाल्यारयी ताणे आपले पतिणेक समाधान केलें. आनी मोरचरी तेवशीं मेटां काडली. वोचमेनामुकांत्र विक्की आनी वीणा विल्माच्या नीरजीव कुडिलागीं पावलीं. वीणान लोव विल्माच्या मुकमळावयलें वसतूर निस्रायलें. विल्माचें मुकमळ आजून हासकुरें आसल्लें.

विल्मा विल्मा विल्मा म्हाका भोगशी विल्मा. हांवें तुजो फुडार विबाडलो. कित्याक तुवें म्हजे थावन हें सगळें लिपयलेंय विल्मा. विल्मा! जर पुनरजल्म आसा तर हांव तुज्या जाग्यार म्हळ्यार विल्मा जावन जल्मोन तुजी जीणभर सेवा करुंक आशेतां. विल्मा म्हाका भोगशी हुसकारतालें वीणा.

वीणा हें तूं कितें उलयताय? विक्की अज्याप पावलो.

विक्की, व्हय आज म्हाका सगळी सत गजाल कळ्ळी. तुजी डायरी हांवें वाचली विक्की. म्हाका भोगशी. वीणा आनीकयी रडतालें.

विक्की खंच्या दिसा हांवें तुजो मोग करचो विशय म्हजे भयणीक कळ्ळोगी त्या दीस हांव तुजेथावन बोव पयस पावतालीं. विल्माचीं तीं उत्रां परत परत विक्किच्या कानांक अपटोंक लागलीं. विल्माच्या नीरजीव कुडिलागीं दिंबी मोडन हुसकारन हुसकारन रडलागलो विकटर.

*** ००० ***

# निस्वार्थी सेवा

“सिस्टर सिलविया, एक एमर्जेन्सी एक्सिडेंट केस असा”. डा। सुनिलाच्या अम्सरी उन्नांक सिलविया चतूर जालें. एमर्जेन्सी केस सांबाळच्यांत तें मसत हुशार जावनासल्ल्यान सर्वांक ताच्या वयर मसत भर्वसो आसल्लो. जायना म्हण हात सोडल्लें काम तें बररयान पोंताक पावयतालें. ताच्या त्या मोवाळ हास्यांनीं अनीं गुणेसत उन्नांनीं तें दाक्तेरांक तशेंच्च पिडेसतांक भोव लागशिलें जाल्लें.

वरां धावलीं, दीस गेले, हफ्ते सरले अनीं महिन्यां पाटल्यान महिनेय उबोन गेले. सिलवियाच्या निरंतर निस्वार्थी सेवेन पांय मोडोन कोनश्या पड ल्ल्या प्रकाशाक परत नीट केल्लो. क्रतक पांय अनीं सिलवियाच्या सहाकारान स महिन्या उपरांत हळतार चलोंक शिक्तालो प्रकाश.

“गूड मोर्निंग प्रकाश” जनेलाचे पडदे वोंद्वावन सिलविया हळतार प्रकाशाच्या बेड्डा सर्शीं पावलें.

“प्रकाश, सूरयो मात्या वयर येवंक जालो तूं अनिकी निदोन पडलाय मू?”

हासलें सिलविया.

“सिस्टर, संसाराक सूरयो उदेला आसतालो, पूण म्हजो सूरयो अत्तां उदेलो तितलोच.” हासलो प्रकाश.

“पुरो, पुरो तुजें सदाचें रामायाण. ऊठ नासटो कर अनीं हे गुळियो घे”

प्रकाशाच्या भुजांक दर्न ताका लोव उटयलें सिलवियान.

क्रतक पांय अनीं सिलवियाच्या आदारान बात रूमा कुशीन चमकालो प्रकाश.

नासटो संपवन गुळियो अनीं एक ग्लास उदक प्रकाशाच्या हातीं दीवन वचोंक घुंवलें सिलविया.

“सिस्टर म्हाका तुजेकडे इल्लें उलोंक आसल्लें तुका पुर्सोत आसल्यार....”

गुळियो ताळ्यांत उडवन अम्सरान उदक पियेलो प्रकाश.

“कितें” बागला लागीं पावल्लें सिलविया पाटीं घुंवलें.

“सिस्टर सिलविया, हांवे तुका खाली सिलवी मूण आपव्येत गी?” नम्रतेन विचारलें प्रकाशान.

“जायत” म्हळ्ळ्या बरीं तकली हालयली सिलवियान.

“सिलविया, पांच वर्सां पयलें म्हजी अनीं तुजी सयरीक तुटोंक हांवच काराण. म्हज्या मम्मीन चेडूं कशें लागलेंरे म्हण विचार्तान हांवें तिका सांगल्लें, त्या हळ्ळेंतल्या नाट रूप नातल्ल्या दुबळ्या चेडवाकडे हांव काजार जायना म्हण हांवेच नेगारल्लें. तुज्या भविश्या विश्यांत एक घडिभरय चिंतिनासतां म्हजो खठोर निर्दार हांवें तांकां कळयिल्लो. ग्रेसतांगेल्या सोबीत चलियेच्या सोदनेर हांव आसलों. म्हज्या वडिलां विरोध वचोन हांवें ग्रेसतांगेल्या सोबीत चलियेक अपणायिल्लें. दवें आसलें सगळें दूद नंय म्हण हांव उपरांत समजल्लों. पश्चात्ताप पावल्लों. पूण वेळ उत्राल्लो. सदांनीत कश्ट काडन काम केल्यारी म्हज्या बायलेक खूश दवर्च्यांत हांव असमर्थ जाल्लों. “म्हाका पोसुंक तांकानातल्यार म्हजे कडे काजार कित्याक जाल्लोय? हांव कुळारा वेतां. म्हाका आपवन वरुंक येनाका” म्हण तें कुळारा पावल्लें अनीं हांव ह्या संसारांत सर्वां असोनी एक्सुरों जाल्लों. म्हज्या वडिलांक हांवेंच्च पयस केल्ल्यान परत्त तांच्या सर्शीं अस्रो सोदून वेचें दैर हांवे घेतलें नां. ह्याच राटावळिंनी बैकार कामाक वेतासताना मुकल्यान येंवचें बस्स म्हाका दिसलें नां. देकून दाडलें म्हाका देवान तुज्या पांयांथळा म्हज्या पात्कांचें भोगसाणें विचारुंक. एक्सिडेंट जाल्ली खबार आयकोनी म्हाका कोणी पळोंक या मेळोंक येंवनांत. दोनी पांय समा आसताना सांबांळुंक तांकानातुल्लो पांय मोडल्या उपरांत कशें सांबाळतालो म्हण कंय चिंतलें आसतालें म्हज्या बायलेन. तें ताच्या कुळारा संतोसान आसतालें. तें थंयच सुखान असोंदी. एक पावटीं केल्ली चूक हांव परत आदार्चो नां.” प्रकाशान लांब श्वास सेवलो.

सिलविया दारा कडेच्च रूक जाल्लें. प्रकाशाक केवल सिलवियाची पाट दिसताली. सिलवियाचें मुखमळ पळेवंक वोह्याडलो तो. पूण बेङ्डार थावन देंवच्या स्थितेर तो नातलो. सिलविया रावल्ल्या कडचें हाल्लें नां. प्रकाशानच मुंदरिलें. "सिलवी, हांवे तुका नेगारल्यारी, तुवें कित्याक म्हजी ह्या रितीर सेवा केलीय? सर्वांनीं म्हाका सांडताना तुंवें कित्याक मजो हात सोडुंक नांय? म्हजी सयरीक तुटल्या उपरांत तुका दुस्री सयरीक आयलिगी? तूं काजारिगी सिलवी?" प्रकाश सिलवियाच्या पाटीक पळेवन उत्रां विंचतालो.

"प्रकाश, तुका म्हज्या पर्सनल जिण्ये विश्यांत विचार्चें हक्क नां. तरिकी तुवें कसली चूक केल्लीय अनीं त्या चूकी वर्वीं कशी एका चलियेची जिणीं विभाडली म्हण हांव तुका सांग्तां. युनिफोर्माच्या बोल्सांतलो तुवालो काडन अपले दोळे पुसून परत बोल्सांत चेपून पाटीं घुंवलें सिलविया.

"प्रकाश, अमची सयरीक चुकल्या उपरांत घ्हर्च्यानीं तशेंच सेजार्च्यानीं म्हाका बोट जोकुंक सुरू केलें. उपरांत म्हाका एकी सयरिक्यो आयिलनांत. म्हजीं अवय बापय एदोळच म्हाका सांडून पयस पावल्ल्यान म्हजो विळाप आयकोंवचीं जांव, या म्हाका समादान कर्चीं जांव कोणी नातल्लीं. म्हजीं माम अनीं मामी म्हाका एक पावटीं काजार कर्न बायर घालुंक राकोन आसल्लीं. अनीं अक्रेक एक सयरीक आयली. चेडो प्रायेन म्हज्याकी पंद्रावर्सां वड अनीं लोटल्यार पडच्या बरीं आसलो. म्हज्या अनुमते विणेंच काजार संपलें. काजार जावन थोड्या तेंपान कळ्ळें की ताका ब्लड क्यान्सर आसा म्हण. थोड्याच तेंपान ताणें ह्या संसाराक आदेवस मागलो. तो ताच्या पिडेन मेलो म्हण कळीत आसल्यारी ताच्या घर्च्यांनीं म्हाका खेंडुंक सुरू केलें.

"हांणे अमगेर पांय दवरल्लोच म्हज्या पुताक खावन काडलें अनीं कोणाकी गिळच्या पयलें निकाळ हांगाचें" संसारांत अनाथ जाल्या म्हाका म्हज्या अवय–बापायन जोडन दिल्ल्या दिस्पडत्या ग्रासान अस्रो दिल्लो. वय हांव ह्या अस्पत्रेक येवन पावलीं. पिडेसतांक बलायकी पाटीं लाबोवन म्हजी निस्वार्थी सेवा अर्पुंक." युनिफोर्मार आसल्ल्यान मसत कसटांनी अपले उमाळे दांबून दरले सिलवियान.

"सिलविया काळजा बितर इतलें दूक दांबून दर्न सर्वां कडे इतलें हासोन हासोन कशें उलयताय? निजायकी तूं एक वर्ती चली सिलविया. म्हाकाय सर्वांनीं सांडून घालां, अनीं तुकाय कोणी आधार नां अमीं कित्याक एकामेकाचो आधार जावनोजो?" प्रकाशाचें काळीज दडदडतालें सिलवियाची पतिक्रिया चिंतून. प्रकाशान चिंतल्ल्या बरीं कितेंच जालें नां.

सिलविया सरारां मेटां काडन कुडा थावन बायर दांवलें.

"हांवे आशें सांगोंक नजो आसल्लें. बेश्टेंच तांचे काळीज हांवें दुखयलें. येताना कितलें हासोन तें आयिल्लें. अनीं त्या सुंदर दोळ्यानीं दुखां देंवच्या बरीं हांवे केलें. हांव कित्याक आम्सरलों?" आपणाकच दुर्सातालो प्रकाश.

उपरांत सिलविया ताच्या दिश्टीक पडलें नां. दूसरया दिसाय ताचो सूरयो उदेलो नां. ताच्या जाग्यार दुस्रीच सिस्टर उबी आसल्ली.

"प्रकाश, हांगा गुळियो दवरल्यात. नासटो कर्न घे." इतलें सांगोन सी। रीना चल्तच रावली.

"सिस्टर रीना" अपयलें प्रकाशान.

"कितें" पाटीं घुंवलें रीना.

"सिस्टर सिलविया कितें येवंक नां?" मोवाळायेन विचारलें प्रकाशान.

"तें अयल्या उपरांत ताच्या कडेच विचार" सांगोन ती चल्तच रावली.

"कितलो व्यत्यास सिलविया अनीं हिचे थंय. सिलविया येवन म्हाका उटवन, विश्श कर्न, गुळियो खावयल्या उपरांत दोन मोगाचीं उत्रां उलवन वेतालें. पूण ही... आज म्हाका म्हजो तिस्रो पांयच गत" हळतार उटोन नीट जालो प्रकाश.

दुस्रो, तिस्रो, चोवतो अशें हफ्तो काबार जावंक अयलो पूण प्रकाशाचो सूरयो उदेलो नां.

"गूड मोर्निंग प्रकाश" चिंन्नांनी बूडल्लो प्रकाश एकाचपाणें उडोन पडलो.

"कसो असाय प्रकाश?" प्रकाशाच्या भुजांचेर हात दवर्न उलयलो डा। सुनील.

"हांव बरों आसां डाकटर" निराशेन म्हळ्ळ्याबरीं उलयलो प्रकाश.

"प्रकाश, तुवें अनीं घरा वच्येत. तुका हांव आज डिसचार्ज कर्तां. पूण अनिकी थोडो तेंप तुवें ह्या क्रतक पांयाच्या आधारान चलाजय पडतेलें" डा। सुनील प्रकाशाच्या पांयाची परिक्ष्या करित्त उलयित्त वेतालो.

"डिसचार्ज" प्रकाश आज्यापोन नीट बसलो.

" कित्याक प्रकाश अज्यापलोय? तुका दिसचार्ज जावंक नाकागी? सगळीं डिसचार्ज म्हणताना संतोस पावतात. तुवें ह्या अस्पत्रेक येवन लागीं लागीं स महिनें चड जाले. तुका अतां हेंच घर म्हण भोग्ता दिसता नंय?" दाक्तेर हासलो.

"सिस्टर सिलवियाक पळेयनासतां डिसचार्ज जायजे नंयगी म्हण खंत कोण्ण डाकटर?" सी। रीनान पाटल्यान रावोन कोंकलें.

"वय सी। रीना, हांवे खंडीत चिंतुंक्ना प्रकाश खुद्द अपल्या पांयानी चलोंक सक्तलो म्हण. सिलवियाच्या सतत प्रयत्नान हें साध्य जालां. शी ईस रियली ग्रेट."

सी। रीनाक सिलवियाची होगळीक आयकोन अंबोट खेल्ल्या बरीं जालें. रीनाचें मुखमळ पळेवन प्रकाशाक हासोंक आयलें. दाक्तेरय हासलो.

"बरें तर प्रकाश, सी यू आपटर अ मंत" डा। सुनील अपलो हात प्रकाशाच्या हाताक मेळवन चल्तच रावलो. प्रकाश परत चिंत्ना सागोरांत मग्न जालो.

"हलो मी। प्रकाश, तुका दिसचार्ज केलां तुवें अनीं घरा वच्येत" परिचीत ताळ्याक चिंतामग्न जाल्लो प्रकाश एकाचपाणें नीट जालो.

"सिलविया" प्रकाशाचें मुखमळ पर्जळ्ळें. सिलवियाक वेंगेंत घेवन उम्यांचो शिंवोर वोत्यां तशें भोगलें ताका. पूण परत ताका अम्सरोंक नाकासलें. ताणें आपले उमाळे काळजांतच दांबून दरले.

"सिलविया, हांवे डिसचार्ज जावन घरा गेल्यार म्हाका सांबाळतलो थंय कोणी नां?" प्रकाश रडकुरो जालो.

"प्रकाश, तुका आपवन वरुंक पळे कितलीं जणां आयल्यांत?" सिलविया दारा कुशीन घुंवलें.

"विल्मा" आपयलें सिलवियान.

"विल्मा, मम्मी, पप्पा!" अपूण स्वपणेताशें भोगलें प्रकाशाक. अपल्या

अवय–बापय विरोद वचोन विल्मा कडे काजार जाल्ल्यान ताणीं प्रकाशाक पयस लोट ल्लें. अनीं आज विल्मा सांगाता तिंय प्रकाशाक घरा आपवन वरुंक आयिल्लीं. तांचे वयर सिलवियान कसलें म्याजीक वापरलां म्हळ्ळें एक निगूड सत जावनच उरलें प्रकाशाक.

“सी। सिलविया, देव बरें करूं” प्रकाशाक पोटलून दर्न थोड्या वेळाचें रडणें रुदान संपल्लेंच प्रकाशाक घेवन रूम खाली केलें ताणीं. प्रकाश सिलवियाकडे कितेंगी सांगोंक आशेतालो पूण, ताचे वोंट वेगळे जालेच नांत. ताणीं बायर उबें असल्या कारा सर्शीं पावता परयांत पळेवनच रावलें सिलविया. सगळ्यांनी सिलवियाक पळेवन हात हालयलो पूण प्रकाश मात्र अपल्या बसकेक तकली तेंकून दोळे दांपून तटस्थ बसल्लो. सिलविया प्रकाशाचें मन समजोंक सकलेंनां.

“हांवे चूक केलिगाय? सर्वस्व होगडावन हांगासर आयिल्ल्या प्रकाशाक हांवें सर्वस्व पाटीं दिलें ही चूकगी? ताका अक्रेक म्हाका एक थ्यांक्स म्हणोंकी तोंड सुटलें नां नंयगी? म्हज्या निस्वार्थी सेवेक इतलेंचगी ताणें दिल्लें इनाम?” सिलविया मनांतच रडलें.

“सिलविया, स्वार्थी जायनाका. तुजी जावनासा “निस्वार्थी सेवा” तुवें कोणा थावन कितेंच आशेंवचें नंय. तूं पुल्च्या पयलेंच बावलेंय, पूण विल्माच्या जिवितांत परत संतोस बरलोय. हाचें इनाम खंडीत तुका फावो जातालें” सिलवियाचें अंतसकर्न उलयतालें.

“सी। सिलविया, एक एमर्जेन्सी एक्सिडेंट केस असा. डा। सुनील तुका राकोन असा”

सी। दीपिकान येवन सांग्ताना सिलविया चिंन्ना सागोरांतलें वासतावाक पाटीं आयलें.

“वय सिलविया, हीच तुजी जिणी. अन्येक प्रकाश तुज्या निस्वार्थी सेवेक राकोन आसा. चल वेळ पाड करिनाका” सिलविया अपल्या अंतसकर्नाक पाळो दीवन सी। दीपिका बराभर एमर्जेन्सी रूमा कुशीन दांवलें.

*** ooo ***

# आशावादी प्रकाशन (२००२ थावन) यदाहां जीवामी अहमाशांसे

2002

**आशावादी** (वल्ली क्वाड्रस)

2003

**च्यार मुखां** (वल्ली क्वाड्रस)
**जिविता सोभाण** (जोर्जी पींत आयकोळ)
**खिळो** (वल्ली क्वाड्रस)

2004

**कटपुतळी** (वल्ली क्वाड्रस)
**कयद्याच्यो कविता** (एच्चेम)
**व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाव्या** (आंड्र्यू एल. डी' कुन्हा)

2005

**विंचणार चिंताप आनी भगणां** (जेम्मा पडील)
**सतां आनी खतां** (वल्ली क्वाड्रस)
**सर्गावयली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)
**कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (वल्ली क्वाड्रस)
**मोतियां आनी तारां** (वेवेगळे कवी)
**कवितापाठ - १** (वल्ली क्वाड्रस)

2006

**पाटीं गांवाक** (वल्ली क्वाड्रस)
**बामुणांचें चेड्डूं** (एच्चेम)
**दर्भारांतली पिंर्गोण** (वल्ली क्वाड्रस)
**दर्याक उदाक** (वल्ली क्वाड्रस)
**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (वेवेगळे कवी)
**पाटीं गांवाक** (वल्ली क्वाड्रस)

2007

**आडोसांतलीं फुलां** (आसटीन डी' सोज प्रभू)
**आटव्या रंगाचो धोणू** (मेलवीन जे. वास)
**शिंपडलेलीं मोतियां** (वल्ली क्वाड्रस)
**मुखां पाटलीं रुपां** (अनील पेनाल)
**मोळबावयलीं स्वपणां** (वल्ली क्वाड्रस)
कुल्कुलो (सिज्येस ताकोडे)
तिंतेरांत पिंतुरां (वेवेगळे कवी)
काळोक नातल्लो गांव (वल्ली क्वाड्रस)

2008

**म्होंव आनी मूस** (मेलवीन पिंटो नीरुडे)

2017

**बंध** (वल्ली क्वाड्रस)
**अपवित्र संबंध** (वाल्टर लस्रादो)
**सगावयली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)
**बजार** (कानडी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)
**मुगदनातलीं गितां** (वल्ली क्वाड्रस)
**मोनी बोब** (जोन सुंटिकोप्प)

2018

**बजार** (नागरी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)
**पाटीं पर्तल्लीं ल्हारां** (वाल्टर लस्रादो)
**तान** (प्रसन्न निड्डोडी)
**बायील बम्मुणू** (वसुधा प्रभू)
**सुक्ती भर्ती** (वल्ली क्वाड्रस)
**पडबिंब** (रीटा आल्भुकर्क)
**काळजा उडी** (रोशुबाबा, बार्कूर)
**चाबूक आनी हेर कथा** (रोनी मोंतेरो, कटपाडी)
**पर्नो रूक आनी तर्नी वाल** (एवरी पांगळा)
**शिमटी आनी हेर कथा** (स्टेनरो अजेकार)

2019

**कंगाल कुक्केहळ्ळी मत्तू कतेगळू** (वल्ली क्वाड्रस)
**एक नवो संसार** (मा| चेतन कापुचीन)

2020

**नवी दिशा** (मोनिका मथायस)
**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके)
**कोंबो आनी झूज** (स्टीफन पिंटो)

Email: ashawadi@gmail.com Web: www.ashawadi.com WhatsApp: +91 7021967880